नबत

शशांक सीताराम

1215
N-7 Dev
SHA

001215

L: B01 - R02 (Dev. A)

Konkani

Konkani in Devanagary Script.

A - Novel

A
1824

नबत □ अपुरबाय प्रकाशन □ नबत

Vidya Pai.

नबत

कथा

शशांक सीताराम

अपुरबाय प्रकाशन

विश्व कोंकणी ग्रंथालय • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY •
1824

गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पालवान हें पुस्तक, लेखकाचें ' पयलें पुस्तक अनुदान येवजणे ' खाला छापलां.

© सौ. स्वाती शशांक शिरोडकार
मार्शे, काणकोण, गोंय, ४०३७२८ 403728

पयली अुजवाडावणी :
मे १९८८

अुजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय-फोंडें-गोंय
४०३४०१

छापपी :
हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय-फोंडें-गोंय
४०३४०१

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल :
तीस रुपया

A, SHA ; N88

1215
N>Dev
SHA

☐ आई - दादाक

शशांक ☐

☐ कथांची पयली उजवाडावणी

१.	तेरेझीनमांय	'कुळागर' मार्च १९८४
२.	ख्यास्त	'कुळागर' दिवाळी १९८६
३.	घुसमटिल्लो धुकट	'जैत' दिवाळी १९८३
४.	मूर्त	'कुळागर' जानेवारी १९८३
५.	जोर – जुलमके टक्करपे संघर्ष हमारा नारा है !	'कुळागर' जुलय १९८२
६.	आमकां जाय...	'कुळागर' मार्च १९८७
७.	वळख	'कुळागर' जानेवारी १९८२
८.	माती	'कुळागर' दिवाळी १९८४
९.	अेक आशिल्लो मारूती, अेक आशिल्लो सदानंद	'कुळागर' दिवाळी १९८५
१०.	अपराजीता	
११.	अपूर्णताय	
१२.	अजय	'कुळागर' जानेवारी १९८८
१३.	लुंड दुख्ख	'कुळागर' दिवाळी १९८७
१४.	श्री सत्यनारायण हांसले	'कुळागर' फेब्रुवारी १९८८
१५.	देवा, तूं पाव	'कुळागर' डिसेंबर १९८७
१६.	गीद	'कोंकणी' वर्सुकी १९८७ – ८८

☐

'अपराजीता,' 'श्री सत्यनारायण हांसले,' 'देवा तूं पाव,' आनी 'अपूर्णताय' ह्या कथांचे मराठी अणकार अनुक्रमान 'राष्ट्रमत' दिवाळी १९८१, 'राष्ट्रमत' दिवाळी १९८४. 'राष्ट्रमत' दिवाळी १९८५ आनी 'गोमंतकालिका' जुलय १९८६ अशा नेमाळयांनी उजवाडाक आयल्यात.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001215

मांडावळ

	प्रस्तावना	णव/बारा
१.	तेरेझीनमांय	१
२.	ख्यास्त	८
३.	घुसमटिल्लो धुकट	१९
४.	मृत	२४
५.	जोर-जुलमके टक्करपे संघर्ष हमारा नारा हैं !	३०
६.	आमकां जाय...	३७
७.	वळख	४४
८.	माती	५३
९.	अेक आशिल्लो मारुती, अेक आशिल्लो सदानंद	६१
१०.	अपराजीता	६९
११.	अपूर्णताय	७६
१२.	अजय	८७
१३.	लुंड दुख्ख	९९
१४.	श्री सत्यनारायण हांसले	१०७
१५.	देवा, तूं पाव !	११६
१६.	गीद	१२५

अुपकारी मनान....

पुस्तकरूपान आज हांव तुमचेमुकार येतां. पयलेंच फावटी.

वर्स–सव्वावर्साच्या माणकुल्या भुरग्याक पयलें पावल मारतना जो भंयमिश्रीत आनंद जाता तोच आनंद आज हांव अणभवतां.

ह्या वेळार खूब कितेंकितें दोळ्यामुखार नाचता. खूब कितेंकितें सांगनशें दिसता.

म्हजो दाद (बापुय) एक रसीक. एक कलाकार. ताजे नदरेंत एक टीकाकार आशिल्लो. तेंच दायज हांवूय चलयतां आसुये. एखाद्रे ह्या दायजानच म्हज्यांतल्या कथाकाराक जलमाक घातला आसुये.

कथालेखनात धडपडटना म्हजे रसीक शिक्षक श्री. बाळकृष्ण (सच्चित) गांवकार हाणी म्हाका धीर दिलो. मार्ग दाखयलो. फुडें 'कुळागर' कथाशिबिरांत श्री. चन्द्रकान्तबाब केणी हाणी अुमेद जागयली. अुपरान्त प्रा. प्रकाशबाब थळी हाणी पत्ररुपान दाखयिल्लें आपलेपण म्हाका खूब अुपकारा पडलें. हांव कथालेखनांत ल्हवू ल्हवू पावलां मारूंक शिकलों.

'कुळागर' आनी 'राष्ट्रमत' कथास्पर्धांनी म्हाका आत्मविस्वास दिलो.

एक दीस अचकीत श्री. पुंडलीकबाब नायक हाणी म्हजे पुस्तक अुजवाडा हाडपाची आपली अित्सा व्यक्त केली. ते दीस जमनीच्या दोन आंगळावेल्यान हांव चलिल्लो आसूये. श्री. पुंडलीक नायकान म्हाका प्रोत्साहन दिले नाशिल्लें जाल्यार हें पुस्तक अितले बेगीन तुमचेमुकार येवपाचेंच न्हय.

कांय दीस फाटी, श्री. चन्द्रकान्तबाब केणी हांचेकडेन हांव प्रस्तावना मागूंक गेल्लो, म्हज्या भिडेस्त सभावान खाकुडत खाकुडतसो. चन्द्रकान्तबाबान म्हाका कितें सांगचें ? तुज्या पुस्तकाक प्रस्तावना दिवंक म्हाका आनंद जातलो ! कितली अुमेद आयली जाणा !

म्हजो अिश्ट श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार हाणे मुखचित्राचे रूपान हें पुस्तक सोबवन बरोच पालव दिल्लो आसा.

तेबगर म्हज्या घरांतच म्हाका खर स्वाभिमान, अशीम त्याग आनी व्यथोत व्यथा हांचे दर्शन घडलें. जीणेकडेन पळवपाची नदर नाकळत म्हाका मेळत गेली. आनी निमणे

म्हजे पुस्तक अितलेबेगीन अुजवाडा येत म्हुण हावे सपनांत लेगीत चितलें नाशिल्लें. पुणून कोंकणी अकादेमीचो आर्थीक पालव मेळिल्ल्यान आनी अपुरबाय प्रकाशनान सगळो भरिभार–सगळो म्हळयार सगळो – घेतिल्ल्यान हो चमत्कार घडून आयलो.

ह्या सगल्यांचे ऋण म्हजे तकलेर आसा.

माशें, काणकोण — शशांक सीताराम
मे १९८८

□ □ □

नव्या युगाची नबत

□ □ □

'नबत' हो श्री. शशांक सीताराम हांगेल्या सोळा कथांचो संग्रह. ह्या तरनाट्या कथाकाराली प्रतिभा म्हज्या दोळयांसामकार फुलत आसा. कोंकणीतल्यान आपणाक कथा बरोंवक जमत म्हणपाचो आत्मविस्वास तांच्यांत नाशिल्लो त्या वेळावयली तांची दुबावी मन:स्थिती हांवें पळयल्यां आनी आयज कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार आपली एक वेगळी वाट सोदून काडून ते फुडें वतात हेंय हांव पळयतां.

तांच्यांतल्या कथाकाराची वाड ही नव्यान चलूंक शिकतल्या भुरग्या सारकी आसा. एक एक पावल उखलीत उखलीत ल्हान भुरगें चलूंक शिकता आनी मागीर आत्मविस्वास वाडटा तशें तें आपल्या पायांचेर उबें रावून थांबना तर चलूंक आनी धांवंक लागता. श्री. शशांक सीताराम हे कथेच्या मळार आयज धांवंक लागल्यात. धांवतां, धांवतना ताणी जें पळयलें, आयकलें, अणभवलें तें सगळें आपल्या मनाचे कोठयेंत भरून घेतलें आनी समाजांत वावुरतना जो मोग आनी राग, जी वासना आनी हीनपण, सुवार्थ आनी उदात्तपण पळयलें तातूंतल्यान एका एका सुत्राचे धागे घेवन ताणी ते आपल्या कल्पनेच्या साच्यांत बांदले आनी एकांन एक धागो गुथून साबार सुंदर भाववस्त्रां विणलीं. एक वस्त्र दुसऱ्या सारकें न्हय. तांची लांबाय, रुंदाय वेगळी. कांय नाजूक, कांय खरखरीत आनी तांचे रंगय वेगळे. पुण एक एक कलाकृती परिपूर्ण. वाचप्यांक आनंद दिवपी आनी ते नदरेन तांच्यो कथा म्हळ्यार विविधतायेचें एक कपयाळें.

कथाकाराची भूमिका ही ल्हान भुरग्यासारकी आसता. तरेकवार भावनाचें एक विश्व आपल्या मनांत रचून तांचो अणभव घेता आनी मागीरच तो अणभव दुसऱ्यांक दिता. त्या कसाचेर 'नबत' ह्या संग्रहातल्यो सोळाय कथा पुराय उतरतात.

सामान्यतायेन आमचे कथा लेखक दुसऱ्याचें अनुकरण करून बरयतात. देखून आमची ग्रामीण कथा लेगीत शारांतली भास आनी संवसारीक साहित्यांतल्यो ओपारी, उपमा घेवन येता. पुण श्री. शशांक सीताराम हांच्यो कथा मातश्यो वेगळयो. देखूनच 'नबत' हो जरी तांचो पयलो कथासंग्रह आसलो तरी परंपरेन कथे भोवतणी आशिल्ली तंत्र आनी विशयाची फास्की मोडून तांची कथा बंधनां मेकळी जावंक सोदता. घोळून घोळून गुळगुळीत जाल्ल्यो उपमा वापरपाचें टाळून ते आपल्या दोळयांनी पळयिल्ल्यो ओपारी दितात. देखीक 'तेरेझीनमांय' हे कथेंत, 'गाबणी दुकरीणीवरी तिळसांज जड दिसताली.' नाजाल्यार 'खुटिल्ल्या तायकिळचावरी ती बावन गेली,' ह्यो ओपारी पळयात. सैमाच्या निरीक्षणान मनाच्या कॅनवासचेर उदेल्ल्यो ह्यो प्रतिमा.

जगांत बदल घडटात आनी ह्या बदला बरोबर कुटुंब वेवस्था बदलूंक लागल्या, तें चित्र लेगीत गोंयचे भूयेंतल्यान किल्लून वयर आयिल्ले सारकें ते रंगयतात. तांचे कथेंत गोंयच्या वातावरणाचो वास येता. आखाती देशांत जोडीक गेल्ले गोंयकार आनी तांगेल्या पैशांच्या आदारान उबी राविल्ली गोंयकारांची अर्थवेवस्था नदरे मुखार येता. लांब काळमेरेन चलिल्ल्या स्वातंत्र्य चळवळीत कांय मनशांच्या मनाचेर जीं खिणां दवल्ल्यांत तांची जीणय ह्या कथांनी आमकां पळोवंक मेळटा. वेगळया वेगळया संदर्भातल्यान हांगासल्लें सैम, हांगाचो वाठार गोंयचें वेगळेपण कथाकार फिशालकायेन उबें करता. पुण गरज पडटा तेन्ना प्रदेशाच्यो शिमो हुपून तो संवसाराच्या मळबांत उडून वचूंक अनमनना. त्या वेळार हांगासल्ल्या मनशांची सुखां आनी दुख्खां ही थळावी उरनात. ती पुराय मनीस जातीचीं जावन बसतात.

तांच्या कथांतलीं पात्रां ही मनीस सभावाच्या साबार तासांचें दर्शन घडोवपी नमुने जावन आसात. एके तरेन आमच्या भोंवतणच्या समाजाचें पडबिंब आमकां ह्या कथांनी पळोवंक मेळटा. एक एक कथा म्हळचार एक एक चित्रच. कथा ही कितलीय जाली तरी काल्पनिक आसता. पुण तसले प्रसंग आमचे भोंवतणचे जिणेंत आमी अणभवतात आनी तातूंतलीं पात्रां एकाद्या खिणाक आमकां पळोवंक मेळटात. घडये तीं जशाची तशीं आमच्या सामकार येतात आसत, पुण पडबिंबाच्या रूपान आमकां तीं दिश्टी पडटात. कथेंतल्या पात्राचें चित्र एकाद्रया मनशाचे जिणेचे अशीर फास्केंत बसोवपाचें नासता. आदी अंत नाशिल्लो अनंत मनीस समाज हीच त्या पात्रांची फास्की.

हांव अशें मानता कि तंत्र हें तांतयाच्या कट्ट्यासारकें आसता. जोमेरेन भितर बोळ आसता तोमेरेन कट्टें जाय आसता. नाजाल्यार बोळ वादाविसूळ जातलो. पुण त्या बोळांतल्यान जेन्ना पील आकार घेता तेन्ना एक तर कोंबी तें कवटें फोडून पिलाक मेकळें करता नाजाल्यार खासा पील आपले चोंचीन भितल्ल्यान कवटें फोडून भायल्या विश्वांत दोंके दवरता. तेच भाशेन प्रतिभासंपन्न कथाकाराक लेगीत केन्नाय तरी तंत्राची फास्की हुपून भायर येवचेंच पडटा. मात पिलान आकार घेवचे आदींच कवटें फोडलें जाल्यार ह्या मेकळ्या संवसारांत तें तग धरूंक पावचें ना हें विसरूंक फावना.

श्री. शशांक सीताराम हाणी ज्या नाजूकपणान तंत्राची बंधनां तोडल्यांत तीं पळयतकच आपले आशयान उपाट भरिल्ले अणभुतीच्या म्हालवजारच कथाकार फुडलीं पावलां उखलूंक पावतलो आनी तशें करता आसतना पसून कलात्मक मूल्याकडेन तो तडजोड करचो ना म्हणपाचो विस्वास दिसता.

'मूर्त' सारकिली प्रथम पुरूषी आत्मनिवेदनातल्यान फुलत वता ती कथा एक परमळीत अणभव दोळ्यांमुखार उबी करता. वाचप्यांक एका नव्याच संवसारांत घेवन वता. 'माती' ही कथाय तशीच किरकोळ घटनेंतल्यान ल्हान बझन्यावरी फुडें वता आनी आपल्या वांगडा वाचप्याकय एका वेगळ्या वातावरणांत व्हरतां व्हरतां विशाळ रूप धारण करता.

राजकारणाचो संसर्ग लागनाफुडें मात कथाकाराचो घुस्मटमार जाता आनी कलाकाराचें तटस्थपण लेखक वगडावन बसता हें लिपून उरना. एकाद्रया प्रस्नाचो तपशील ताची फोडणीशी करतना कथाकारान पाळपाच्या पथाचें भान तो विसरता. बंडाचे भाशेक आनी भडक भावनेक लागून त्या विशयावयली कथा रिपोर्ताज जावन बसता. तितले भान कथाकारान राजकी विशय हाताळता आसतना दवरपाची गरज आसा.

कथेचें पुस्तक वाचप्यांच्या हातांत दिता आसतना तांकां कथांची वळख करून दिवप म्हळचार तांकां जो आपसूक आनंद मेळपाचो आसा तातूंत विक्षेप घालपा सारकें वा म्हगेले पूर्वग्रह तांचेर लादिल्ल्यासारकें जातलें. तें म्हाका करपाचें ना. ह्या कथांची हांवें तुस्त-तोखणाय केल्ली आसली तरी लेखकाक एक शिटकावणी दिवची अशेंय म्हाका दिसता.

साहित्य साधना ही एक अखंड चलोवपाची प्रक्रिया आसता. भायलो संवसार बदलता तशें कथाकाराचें अंतःर्मन खोल आनी विशाळ जायत वता. ह्या अंतर्मनाच्या तळांत उगडास आनी अणभव हांची एक खाण आसता तातूंत बुचकळचो मारून नवीं नवीं रत्नां भायर काडपाचें काम कथाकाराक करचेलें आसता. जितलीं मेळ्ळीं तितलीं खूब जालीं अशें लटकें समाधान जो कथाकार मानता ताका फुडार नासता. जो अतृप्त रावता तोच ह्या अनंत मळबार नवीं नवीं क्षितीजां हुपूंक पावता. ती हुपपाची तांक श्री. शशांक सीताराम हांच्या पाखांत आसा. देखून साहित्याच्या मळबात ते खूब फुडें पावतले अशी म्हाका आस्त दिसता.

मडगांव
चैत्र पुनव, शक १९१०

चंद्रकांत केणी

□ १ □

तेरेझीनमांय

□ □ □

तिळसांजेचो काळोख घयरूमावरी हुमकळत सकळ देवूं लागिल्लो. तातूंत पावसाचें मोड. गाबणी दुकरिणीवरी तिळसांज जड दिसताली.

तेरेझीनमांयन आकाडयाचो आडांबो काडलो. ती आंगणांत भितर सल्ली. कांबळीखोल झिडपून खोण्णेक लायलो. घरांत कोणालीच जाग नाशिल्ली. तिणे दार धुकळून पळयलें. सादेंच आड केल्लें. ती थंयच सोप्यार बसली. वण्टीक तेकून. खुटिल्ल्या तायकिळयावरी ती बावन गेल्ली.

– च्या जाय आशिल्लो इल्लो. भीतर वचून करून घेवचो ? ओलिंद आनी कितेंय म्हणत ! च्याची तलफ तिणे तशीच जिरयली. ती वग्गी बसून रावली.

शेजरासान तिची सून आयली.

"पाय खंय गो, लिंदा ?"

"हो ऽ चय येता !"

तेरेझीनमांयलो घोव आकाडयांतल्यान भीतर सरतालो. ताचे पांय आनी पिराय एकमेकांक सांबाळत चलताली.

"कितें मेळळें गा पाय निस्त्याक ?"

"करमट गो XXXX निस्त्याचेर लेगीत दुकळ आयला."

तागेल्या अतरांत आजूनय म्हातारपण देंवलें नाशिल्लें.

सुनेन नुस्तें घेतलें.

"चार रुपोयांचें गो तें."

ताणे अुरिल्ले स रुपय सुनेल्या हातार दवल्ले.

तो फाटल्या पायान फिल्लो. सांजेचे कोपा मारून बडबडत बसपाची ताजी संवय आजून मोडली नाशिल्ली.

"हॅ चल्लो!"

तेरेझीनमांय आपलेमदींच अुलयली.

–केन्नाय हातांत धरून नुस्तें हाडून बायलेक दिल्लें हेका याद आसा काय? म्हजो जाल्यारय हांवेंच वचून हाडूं जाय आशिल्लें. हाडटकीरय हें असलें आनी तें तसलें. केन्नाय बरो करून अुलयला म्हाजेकडेन? धा रुपयांतले चार रुपोय खर्च जाल्यार स रुपोय अुरतात हो हिशेब बायलेक पैशे धाडून दितना कळू जाय आशिल्लो. हेका याद जायनाका आनी म्हाका पैशे धाडिनाका, हो बोटलेर आसूनय रानांत आनी शेतांत वचून म्हाका भुरग्यांक व्हड करचें पडलें.

सून नुस्तें घेवन अुजरावपाक बसली. तेरेझीनमांय अुठली.

"हाड गो. हांव शिदोन दितां."

"नाका गे मांय, बस तूं."

तरीय तेरेझीनमांय सुनेकडेन वचून बसली. सुंगटा विचून सोलूं लागली.

–बोटीवयल्यान येतना अितलें हाडटालो. खंयचो रेडिव, खंयचे कपडे, बेगो. हें आनी तें. पुणून पांच-स म्हयने पैशे नासतना बायल दीस कशे काडत म्हुण कळळें ना हेका. आतां व्हडल्या चेडचान–आंतोनीन पैशे धाडूंक एक दीस ओगोत केल्यार फडफडटलो. गाळी घालतलो.

...अितलें जोडलेलें म्हु तुवें. थोडें तरी दवरून घेवचें आशिल्लें म्हातारपणांत. सगळें वांटून मेकळो.

मालटेंतलीं सुंगटां सोपिल्लीं. तेरेझीनमांयन हातान अुदकांत चाळून पळयलें. कांयच ना. सुनेलें फरमटय अुजरावन जाल्लें.

रेब्यांत खदळ केल्ल्यावरी काळोख फाफसल्लो. दिवे पेटिल्ले. तेरेझीनमांयन हांगाथंय सुनेल्या कामांत हातबोट घातलेशें केलें.

कोनश्याचे सोणण काडून तिणे तें धडावन घेतलें. पेटयलें.

"खंय गे मांय?"

"आंतोनीकडेन वैतां गो."

"अितले बेगीन. आनी जेयचे पयलींच?"

"जेयच्याकूच आपयलां गो तेणे म्हाका. दियार आपयता तो. आज वच्च्या म्हुणलें. येना जाल्यार रागार जातलो. येतां गो बाय हांव."

सून वगी राबली.

तेरेझीनमांयन एकदोन फावटी सोणण काळखांत वयर सकल केलें. अुजवाडांत

आकाडो अुजवाडलो. आडांबो काडून ती चलत रावली. पिशोल मारिल्ल्यासारकें सोण्ण वयरसकल हालयीत.

तेरेझीनमांयली धाकली सून–लिन्दा, आपल्या घोवान–दुमिंगान, बांदिल्ल्या नव्या घरांत येवन देडेक वर्स जाल्लें आनी त्या वेळार सुनेक घर लावन दिवपाच्या निमित्त्यान आयिल्ली. तेरेझीनमांय तेन्नासान थंयच थिरावल्ली. व्हांवत्या अुदकांतल्या तणग्न कांदलीच्या दावांक लागून थिरावचें अितली सहज. पुणून अुदकाबरोबर व्हांवत रावि‌ल्ल्यावरी लोटाबरोबर तणापात्यान सतत हालत रावचें तशी ती वागताली. धाकले सुनेकडसून व्हडले सुनेकडेन दिसांतल्यान एक दोन फावटी तरी ती मारताली. जेवपखावप सगलें धाकले सुनेगेर. जेवन खावन रातचें न्हिदपाक मात्र व्हडले सुनेल्या आनी नातरांसांगताक. व्हडले सुनेलें घर धाकले सुनेल्या घराकडसून सात–आठ घरां फुडें. ताज्या दोन तीन घरां आयल्यान तेरेझीनमांयलें आपले स्वताचें–घोवान बांदिल्लें घर. तें आतां बंदच आसतालें – घोवबायल दोगीय धाकले सुनेकडेन आशिल्ल्यान.

रस्त्यार येतरेच धाकले सुनेक तिणे जाप दिली.

"बाये येतां हां... "

बिळाच्या तोंडार भरतेचें अुदक पावि‌ल्या कुल्ल्यांवरी तिची चिंतना मेकळी सुटली.

– आमी म्हळयार बोडार अुबारिल्ल्यो पोटल्यो. चलतां चलतां जड जायत वचपाच्यो. एकल्याक तर सामकेंच जड. जड जालें ना तरी लोक जडायतले –

'दोन पूत. तुमीच कित्याक पोसू जाय. तुमकां दिला तशेंच तेंकाय दिला.'

तेरेझीनमांय आपल्या घराकडेन पावली. पुणून ती घराचीं सपणां चडली ना. तशीच व्हडल्या पुतागेर – आंतोनीगेर आयली.

पूत मायरच ओलतेरांत बसून शिगार ओडटालो. भितर स्टिरिओ वाजतालो.

"भुरगीं खंय रे ? "

"टि. वी. पोवूं गेलाय सासपायगेर."

"आनी मारी ? "

"तेंय गेला "

ताणें सोपिल्लें शिगार भायर माल्लें.

"तूं आजूनय नडूं, लुवूं वेता म्हुगे ? "

– हेका कोणे कितें म्हुळें काय ? तेरेझीनमांय दुबावली.

"किते करतलें ? पयलेंचो अभ्यास वेता ? "

"कितें करतली आनी कितें गे ? नातरां आसात तेंका खेळय. बसोन राव."

"तें खरें रे पुता. पुणून बसोन रावपाची संवय ना रे म्हाका. तुगेलो पाय अितलो जोडकार. पुणून ते वेळार लेगीत घोळून खातालें हांव. आता आमी पडलीं

म्हातारीं. आमचें आनी भुरग्यांलें जमता ? ”

“ तुमकांय जमयन घेवचेंशें दिसना.”

“ तशें न्ही रे पुता–”

तिका आपणें अुलयिल्लें चुकल्लेंच दिसलें.

–पोटां आशिल्लें तें तोंडा येतलेंच. चेडो तो म्हुजो. म्हाका कितें म्हणपाचें आसा तें पारखिलें तेणे. हांव तेज्या बायलेकडेन मारीकडेन रावना. धाकले सुनेकडेन रावतां. तेका तें कशें बरें दिसतलें ? पुणून तेकाय आपले बायलेचो सोभाव खबर आसा.

तिजें तिकाच खालेंशें जालें.

“ म्हाका भेदभाव ना रे पुता. रातीन येतांच म्हरे हिंगा हांव. नडून-लुवून हाडिल्लें भात लिन्दाक दितां तितलेच तुज्याय भुरग्यांक दितां. बरी गरगरीत पेज जेवूं म्हुण. तूं आयलाच आतां. तूं आपय म्हाका. हांव रावना काय पळय आसामेरेन.”

तो वग्गी बशिल्लो.

“ पाय बी येयिल्लो रे हांगा ? ”

व्हांवत्या अुदकांत ल्हवूच कागदाची होडी सोडची तशी तेरेझीनमांय अुलयली.

“ तो येता हिंगा ? ”

“ तुवें आपवंक जाय आशिल्लो.”

“ गेल्ले फावटी हांव येयिल्लो, तेन्ना झगडून गेल्लो म्हुगे तो. मेलो तोरी आपुण ह्या घरांत पांय दवरचो ना म्हुण गेल्लो.”

“ राग येयल्यार कितेंय अुलयता रे मुनीस. आपुण येयला म्हुण तुवें आपवंक जाय आशिल्लो तेका.”

तो आतांय वग्गी.

“ येता त्या आयतारा पंदरा आगस्ट म्हुरे. तुगे चेडचालो बड्डे न्हू ते दीस ? तेन्ना आपय पायक. तेकाय बरें दिसतलें.”

“ येत म्हुगे तो ? ”

“ तूं आपयन चोय रे. येयना कित्याक ? तूं कितें दुस्मान तर तेजो ? ”

आंतोनीक कितें अुलोवचें ते कळ्ळें ना. तो वग्गी.

तेरेझीनमांय कळवळ्ळी. सगळो जीव अुतरांत रकयत अुलयली.

“ आपयतलो म्हुरे ? ”

ताणे हयकार दिलो.

तेरेझीनमांयक सू ऽऽ जालें. सुजिल्ल्या जाग्यार हून अुदकाचो शेंक दिल्ल्यावरी.

चेडो कुयटासान आयलो म्हुण पायनय चेडचाची खबर घेतली नाशिल्ली आनी चेडोय पायचे वासप्र्शेक येंव नाशिल्लो.

“ तूंच सांग रे तेका. चेडचाकडेन बी सांगून धाडशी.”

तेरेझीनमांयन चेडचालो समाव पारखून ताका शिटकायलें.

चेडचाक केन्नासान ती सांगूक सोदी.

– तशें न्ही रे पुता. तो तुजो पाय न्ही ? तुंवें ताजी वासपुस करू जाय. पाय कितेंय करूं. तुंवेयबी आमकां चोवूं जाय रे. व्हडलें जोत तशें धाकलें जोत ...

आज तेरेझीनमांयक ईस बरो मेळिल्लो. व्हडली सून, तिगेल्या मांयगेर टी. वी. पिक्चर पळोंवक गेल्या म्हुण ती जाणा आशिल्ली. मांयले घर तीन–चार फर्लांगाचेर आशिल्ल्यान दर आयताराक–शेनवाराक मारी मांयगेर वतालेंच. पिक्चर साडेआठांबगर सोंपना. जेवणाचे निमित्त्य करून तेरेझीनमांय आंतोनीकडेन आयिल्ली.

सांगपाचे सगलें सांगून सोपिल्लें. वोगीच थोडो वेळ ती बसून रावली. आठ वरां जांवक पाविल्लीं. चेडो कितेंय उलयता काय म्हणून तिणे वाट पळयली.

आपुण नासतना आपल्यो चाडयो केल्यो अशें दिसत सुनेक.

उज्यार दवरिल्ल्या दुदाची याद जाल्ल्यावरी ती उठली.

"येतां रे हांव."

चेडो कांयच उलयलो ना.

वोदोळचें सोण्ण सामकें पेटून गेल्लें. ती दुसरें सोण्ण सोदूं लागली.

चेडचान तिका बॅटरी दिल्ली. अर्दवाटेर हाडून पावयलें.

"चल रे तूं. येतां हांव."

धाकले सुनेगेर वचपाचे वाटेन ती कांय वेळ गेली. चेडो घराकडेन पाविल्लो दिसतरेच परत फिरून आपल्या स्वताच्या घराकडेन आयली. येवन सोंपणार बसली. चावी काडून घरांत वचप तिच्या जिवार आयलें. केदोवेळ ती तशीच बसून रावली.

– जेयचे वेळार पाविल्लें हांव. तूं थंय आनी कित्याक वता. हांगाच जेय गे. म्हुणू नाका आशिल्लें हेणे ? सोगलें फुकट.

ती चावी काडून भीतर गेली. लायट पेटयली. रान्नीत उजो पडलो. ल्हानशाच तोपुल्यांन उदक तापूं लागलें. हातापायांची हाडां मोडून उडयिल्ल्यावरी पोटली करून ती रान्नीवेल्या उदकार नदर थीर दवरून बसून रावली.

– नडूं कित्याक वता काय म्हण्टा. तूं पळय हें अशें करता. आयलो म्हुण चार दीस आपल्यागेरच राव गे मांय अशें म्हुण्णा. पयलीं वासपूस करना. मागीर लिन्दाक आमच्यो ह्यो पोटल्यो आपल्याच हडुचार पडल्योशो दिसचें ना ? तेका आनी तशें दिसूं नाका. कितेंय घोळून हाडटा. वेळय पासार जाता. कोणाल्या घरणांत रावचें पडना, जाता तितले मेरेन करतलें.

रान्नीवेलें उदक सळसळटालें.

– तुजो पाय हट्टी. आपलें तेंच खरें म्हणपी. लिन्दा तेगेलें कितलो तेप

आयकतलें ? तुगेल्या पायक वाऱ्यार घालून हांव सुनेकडेन रावूं ? म्हुणून तर तुवें धाडून दिल्ले, दुमगान दिल्ले पैश तश्शे दवरतां हांव. खंयच जायना जाल्यार मागीर येवन पडलीं आमच्या कोटरांत.

अुदक सळसळटा तें तिज्या लक्षांत आयलें. तिणे अुदकांत च्या साकर अुडयली. च्याचें आयदन सकल देंवयलें. स्टोव्ह पालयलो.

– तूं म्हजोच गुन्यांव करतलो. फाटल्या देडेक वर्सासान लिन्दाकडेन आसा न्हू हांव. पयलीं तुगेले मारीवांगडा आशिल्लें. लिन्दाक आजून ना भुरगोबाळ. मारी भुरगीकान्न. हांवे मारीकडेनच रावूं जाय आशिल्लें, सगळें खरें. मारीन मायेन आग्रो करून आपयल्यार हांव येना आशिल्लें ? घरांतलें सगळें करून येघिल्लें मनीस रे हांव. कितेंय करतलो जाल्यार म्हाका कांयच विचारप ना. येशें करयां गे मांय. तेशें करयां गे माय म्हुणल्यार म्हाका कितलें बरें दिसता आशिल्लें. बेश्टेंच कितेंय करून हांव तुगे पैशे अिबाडन ? ह्या म्हातारपणांत कोंणेय मायेन च्या पी, जेव–खा म्हुणचेशें दिसता रे म्हाका... तुजे बायलेक हांव वायट म्हुणणा रे... हें म्हातारपणच वायट.

खुटी च्या तेरेझीनमांयन ग्लासांत रकवन घेतली. तिणे एक दोन डबे हालोवन पळयले. आज चेडचान, केन्नाकेन्नाय व्हडले सुनेन जेवणाक आपयला म्हुण धाकले सुनेक सांगचे पडिल्ल्यान, तेरेझीनमांयक घरांत च्या, साकर, बिस्किटो हाडून दवरच्यो पडटाल्यो. तिका बिस्किटो मेळ्ळ्यो. बिस्कीट च्यांत बुडवन तिणे जिबेर दवल्ली.

खातां खातां तिजी नदर घरभर फिल्ली. तिगेल्या दोगूंय चेडचांनी–आंतोनीन आनी दुमगान – काजार जातरेच रोकडींच आपली वेगळीं घरां बांदिल्लीं. व्हडल्या चेड्यालें काजार जावन सात – आठ वर्सां जाल्लीं. धाकल्या चेड्यालें जावन तीन वर्सां. व्हडल्या चेडयालें घर लागींच आशिल्लें. धाकल्यालें मात्शें पैस. अुलो माल्यार हयन्हयसो आयकवचो अितले पैस. तिगेल्या घोवान दोगूंय चेडचांक घरांतल्यो वस्तू वांटून दिल्ल्यो. घराचेय वांटे जाल्ले. पुणून आपुण आसामेरेन आपलें घर आपल्या-कडेनच अुरतलें हें तिणें चेडचांक स्पश्ट सांगिल्लें.

– कितेंय करूं हें एक बरें केलें.

च्या पिवन कांय वेळ ती थंयच बसली. मागीर घराक चावी घालून भायर सल्ली.

व्हडलो चेडो आनी सून भायरच बशिल्लीं. तेरेझीनमांयन पेटयिल्ली बॅटरी पालयली. लिपयली.

– हांव येवन गेल्लें म्हुण आनी कित्याक कळचें.

तेरेझीनमांय वचून सोप्यार तेकली.

"बरें आशिल्लें गो पिक्चर ?"

तेरेझीनमांयक अुलोवप सुरू करपासारको दुसरो विशयच दिसलो ना.

"हय"

सुनेलें एकच अुतर.

"तूं येता म्हुरे आंतोन जेयच्याक ?"

सून अुठून जेवणाचे तयारेक भीतर गेली.

"यो गे मांय, तूंय चार गोटे खा आमचे बराबर."

तेरेझीनमांयले आदर्श काल्पनिक सुनेन तेरेझीनमांयक कोलायलें.

दाव्या धिपराचेर खाडकी तेकयन तेरेझीनमांय वग्गी बसून आशिल्ली.

"मांय जेयली गे ?"

आंतोन जेवपाक अुठिल्लो.

"हय रे पुता."

"जेय गे थोडे हांगा."

"ना रे पुता. खरेंच जेयलें. चल तूं जेय."

तेरेझीनमांयल्या आयच्या दिसाचें भांगर जाल्लें.

तिका आपणें पुंजायन दवरिल्ल्या काजुबियांची याद जाली.

– फाल्यां पुताक माजून दिवच्यो पडल्यो.

□

तेरेझीनमांय दार आड करून धाकले सुनेगेर वचूंक भायर सल्ली तेन्ना दारांतल्या कोणाकच जाग आयली नाशिल्ली. मायर सुदंग अुजवाडिल्लें.

धाकली सूनय आजून अुठली नाशिल्ली. दार अुगडेंच आशिल्लें. तेरेझीन-मांयलो घोव अुठून भायर आयिल्लो.

कामाबगर तेरेझीनमांयलो घोव बायलेकडेन केन्ना अुलयलोच ना. आतांच कित्याक अुलयतलो !

कालचो अुपास च्याक तानेल्लो. पुणून घरांत वचून च्या करपाचें धैर्य तेरेझीनमांयन केलें ना.

ती दुदणी आळचाकडेन गेली. आळचांत एक दोन शिरीं लायलीं. कुशीचें पाटें घेवन शेजा-याले गायरींत गेली. शेण घेवन आयली. आळचांत शेणमाती पडली.

सुनेन तिका च्या पिवंक आफयता मेरेन तिगेली सान्न आंगणाक फिरिल्ली. सुनेन भायर हाडून दवरिल्ल्या आयदनांचेर हात फिरायन जाल्लो.

"येतां गो हांव."

आकाडचाचो आडांबो पैस करतां–करतां तेरेझीनमांयन सुनेक कळीत केलें.

❀ ❀ ❀

□ २ □

ख्यास्त

□ □ □

" तुवें कितलोय हट्ट धल्लो तरी तें जावचें ना ! "

आज्यान नातीक परतें एक फावट समजायलें.

आज्यान परतें परतें सांगलें तरी नात श्रुती आयकूंक तयार नासलें.

श्रुतीले हायर सेकंडरीत अेकोणीस डिसेंबराक श्रुतील्या आज्याक मुखेल सोयरो म्हुण आफत्रपाचें थारिल्लें. तीच खबर श्रुतीन पयल्यापयलीं येवन आज्याल्या कानार घातिल्ली अुमेदीन आनी आजो तें कानामनार घेवंक तयार नासलो.

" कित्याक पुणून तरी ? "

" केन्नाय हांव माचेर चडिल्लों तुवें पळयलां ? सुटकेझुजांतले अणभव कोणाकय रूचीन सांगिल्ले आयकलां ? मागीर तुमच्याच कॉलेजींत कसो येंव हांव ? "

" काल घडलें ना म्हुण आज घडपाक नजो, हो कसलो न्याय आज्या ? "

" तुजो ग्र.शियर सर होंवळीक दिवंक येतलो म्हण्टा तूं. ताका पयलींच सांग तूं... हांव तुमचे कॉलजींत येवंक शकना हें मात्तर सामके खरें. कित्याखातीर, कितें कात तें आनी केन्नाय सांगन तुका. "

" आनी केन्नाय नाका. आजच सांगात, आतांच "

श्रुती खटून बशिल्लें.

" तूं वगीच बेजार करूं नाका."

आजो बेजारलो.

"मागीर कांयच कारण नासतना 'तशेंच कारण' आसा कित्याक म्हण्टात ?"

"तूं आयकतलें ?"

"हय !"

श्रुती हट्टाकच पेटिल्लें.

आजो कांय वेळ तसोच ओलतेरांत तेकून बसून रावलो. तकलेफाटल्यान हात घेवन बंद दोळयांनी विचार करीत बशिल्लेकडेन पांय हालयीत.

'बरें' कितें तरी थारावन अुठिल्ल्यावरी आजो ओलतेरांतल्यान अुठलो. कुडींत वचून एक डायरी घेवन आयलो. एकदोन मिण्टां आपणेच तातुंतली कांय पानां चाळून पळयलीं. मागीर तीं काडून ताणे श्रुतील्या हातांत दिलीं. वचून ओलतेरांत बसलो. पयलिच्याव रीच. आनी बंद दोळयांनीच ताणे अुलवंक आरंब केलो.

"श्रुती, म्हजी एक डायरी हांवे तुका दिल्या. बावीस–तेवीस वर्सांपयलिची ही डायरी. केन्नातरी ती तुका दिवपाचीच आसली. आज योग आयलो... तातूंन कांय मुखेल घडणुकांच्यो नोंदी आसात. दिसानदीस केल्ल्यो नोंदी न्हय त्यो. जेन्ना कितेंय बरयनशें दिसलें तेन्ना बरवन दवल्लें. वेळ मेळत तशी तूं ती डायरी मुळासान पुराय वाच. आतां हांव तुका कांय पानांर कुरो करून दितां तितलींच पानां तुवें वाचल्यार पुरो."

आज्यान ओलतेरांतलें तेकण सोडलें. दोळे अुगडले. श्रुती अुमळशिकेन डायरेंतलीं पानां चाळत आसलें.

"हाड कुरो दितां."

आज्यान डायरेखातीर हात फुडें केलो.

□

ह्या दिसांनी कांय जाण खुबळिल्यावरी जाल्यात. खरें तर हेरांक खुबळावपा-खातीर हांणी खुबळिल्ल्याचें सोंग घेतलां.

मोनी विरोधी पार्टी सरांटून अुलवंक लागल्या. तातूंन शाणूय आयलो. ह्या वाठाराचो विरोधी पार्टेचो हो आमदार. रातदीस रानांत 'वावुरपी' हो मनीस आता गांवांत पावला. विश्व कंठश्च 'वनवास' लेगीत ताणे कांय दीस बंद दवल्ला.

मसणटेची वाट चलपी कांय पार्टी निसणीर अुठून बसल्यात.

गांवकाराल्या 'गोमंतप्रभा' दिसाळयाक भार मल्ला.

ह्या सगळयाक कारण एकूच. सरकारी पक्षान कोंकणी राजभास करचें थारायलां.

□

देव धर्म हांचेर कुडो विस्वास आशिल्ल्या लोकांक हाताकडेन धरूनच लढाय जिकूं येता हें राजकर्ण्यांचे तत्व जाल्ल्यान भाशेच्या ह्या साध्यासुध्या प्रस्नांत लेगीत धर्म भरशिवन राजकारण खेळप सुरू जालां. आनी तांतुतल्यान घाणयाऱ्या प्रचाराक आरंब जाला.

'मायमाऊली' मराठीचेर संकश्ट आयलां. हें संकश्ट फक्कत मराठी भाशेचेरच न्हय तर गोंयचे संस्कृतिचेर आसा, हिन्दुधर्माचेर आसा. गोंयच्या अल्पसंख्यांकांनी सरकारी पक्षाक हाताकडेन धरून गोंयातली हिंदुसंस्कृती ना करपाचो कट रचला. भजनां, कीर्तना, अभंग, नाटकां सगळें आमचें हिंदूचें मराठीत. आमी वाचतात, बरयतात मराठींत. कोंकणी राजभास जाली जाल्यार तुमी भजना खंयचीं म्हण्टले? अभंग खंयचे गायतले? तुमच्या देवाकुडींतलें देवस्पण ना जातलें. किरिस्तांव तुमच्या हड्डयार खुरीस घालून तुमचेर राज्य करतले. हें तुमकां जाय? मराठमावळया या क्षणी चुकलास तर मायमाऊलीला मुकशील!

'गोमंतप्रभा'त येतात ती कार्टून्स लेगीत अशींच. धर्माच्या नांवान लोकांक अचांबळ करपी.

मराठीरूपी द्रौपदीचें कोंकणीमोगीरूपी कौरव वस्त्रहरण करूंक फुडें सल्ल्यात.

'मायमाऊली मराठी' क कोंकणीमोगींनी खुरसार माल्ल्या. खिळचांनी रक्तबंबाळ जाल्या ती.

एक न्हय दोन.

जणएकल्याक आज एक संद मेळ्ळया.

शाणू विरोधी पार्तेतलो. सरकाराआड बोबो हुयेली मारूंक येदी व्हडली चलत आयिल्ली संद तो कसो सोडत.

'गोमंतप्रभा' चो पात्रांव गांवकार. फाटले वेंचणुकेत परब ताज्या आड रावन वेंचून आयलो. परब हो आयचे कोंकणी चळवळीचें धान्न. 'गोमंतप्रभा' तलें राजकारण हो एक राजकीय सूड.

सरकारी पक्षाच्या दोन–तीन आमदारांनीय आपले मेंदू कुसवन घेतल्यात. तांचे राजकारण वेगळें. फाटले वेंचणुकेंत विरोधी पार्तेचो जोर आशिल्ल्या वाटारांत रडत मरत वेंचून आयिल्ले आमदार हे. तांचो दोळो फुडले वेंचणुकेर.

आयच्या राजकारणांत सगल्यो व्याख्याच बदलल्यात.

धर्माच्या नावांन अुज्यांत तेल रकवपी राष्ट्रीय आनी मायभाशेखातीर झुंजपी अराष्ट्री आनी बाटके.

□

पणजेंत मराठीचो मेळावो जायतसान आमच्याय घरांत मराठीचें वारें व्हांवृ

लागलां.

मराठी मेळाव्यासान परततना हांगसून गेल्ले पिकअपचेर कांय गुंडानी फातर शेंवटिले (अशें घडूं नाका आसलें.) अरुणाली तकली फुटली.

दुसरे दीस 'गोमंतप्रभा' त अरुणालो फोटो आयलो. तोंडावेल्यान, कपला-वेल्यान, रक्ताची धार व्हांवता असो. फोटोसकयल बरयिल्लें, मराठीसाठी यांनी रक्त सांडले !

अरूण त्या दिसासान हिरो जाला.

मराठीक न्याय मेळोवन दिल्यार आपणेंच अशा नेटान तो वावुरता.

शाणुले कारींतल्यान तो आतां भोंवता. ताजेखातीर शाणूली कार आमच्या घरामुकार थारता.

'मराठी राज्यभाषा झालीच पाहिजे' 'मराठीचा गजर सोडू नये' ची पोस्टर्स जंय थंय चिकटावपाक तो हांगा धांव– थंय धांव करता.

मराठी समितिच्या सभांनी लोकांक पुंजावपाचो वावर तो करता.

शाणूल्या खांदयाक खांदो लावन मराठीवाद्यांच्या सभांनी तो अुलयता.

शाणूलो तो आधार कसो जाला.

'कोंकणी गुंडानी' मरठीवाद्यांचे पिकअपचेर फातर शेवटिले म्हुण दुसरेदीस आमच्या गांवचो बाजार बळयां बंद दवरपाक फुडारपण करतल्यांमदीं बँडेज बांदिल्ल्या कपलान तोय भोंवतालो.

बारावेक फेल जायतसान, आज दोन वर्सां ताकां कांय अुद्येग नासलो, बेकार भोंवतालो.

आज हें सगळें ताका 'थ्रिल' कशें दिसता जांवये.

लोक म्हाका विचारतात, चल्यान कितें येवजिलां ? कितेंय समजावन सांग मरे ताका.

हांवें कितेंय समजावन सांगल्यार ताका पटना. कित्याक म्हुण देव जाणा.

बारावेक फेल जातरेच हांवें ताका परत कॉलेजींत वच म्हळें. आयकूंकच तयार ना. समजावन पळयलें. तरीय ना. केन्नाय हांव तापलो जाल्यार, हांवच आपलो दुस्मान जाल्ल्यावरी वागता.

कालय तशेंच जालें. ताका समजावंक गेल्यार ताणेंच म्हाका बाटको थारायलो.

"जे मराठी शिकून कोंकणीवाटेन नाचतात, ते बाटके. तांका बाटक्यांली संस्कृती हांगा हाडूंक जाय."

सभांनी अुलयिल्लें आयकल्लें. आपल्या बापायकडेनय तेंच ?

कितें अुलवूं ? कितें समजावूं ?

हमें मिटा दो की हम जिंदगीसे हारे हैं !

हमें भूला दो की हम टुटे हुये तारे

चलो जातरेच आमी नाचत अुडत गांवभर पेडे वाट्टात. चली जाल्यार तकलेर हात घेवन बसतात.

विचार केल्यार आज हासूं येता.

□

काल 'गोवा बंद' आसलो. कारण तेंच. कोंकणी मेळाव्यादीस जाल्ल्या हिंसाचाराचो निशेद.

हिंसाचाराचो निशेद जांवकच जाय. बऱ्या मनान, बऱ्या हेतून.

चार दीस पैलीं पणजेंत कोंकणी मेळावो जालो. बरो जालो. अैंशीं – णव्वद हजार लोकांनी हाजीर रावन कोंकणीवेलो आपलो मोग अुक्तावन दाखयलो.

पुणून त्या दिसा कायकडेन कोंकणी मोग्यांनी लजेन मान सकयल घालपा-सारक्यो घडणुको घडल्यो.

गुंडानी पणजेची कांय दुकानां फोडलीं. हेरकडेन एकदोन बशी फोडल्यो. एके बशीक अुजो घातलो.

कोंकणी एकवटान आनी मराठी समितीन ह्या हिंसाचाराखातीर एकमेकांचेर आरोप केले.

हिंसाचाराफाटल्यान खरे कोण आसले देव जाणा ! पुणून कोंकणी मेळाव्या-दीस ह्यो घडणुको घडिल्यान सगळे मराठीवादी सगळया कोंकणी भक्तांक अराष्ट्रीय, अतिरेकी भेसडावपी म्हणूक मेकळे जाले.

निशेदसभा जाल्यो. मराठी समितीन गोंय बंदचो अुलो माल्लो.

'हिंसाचार निशेद बंद' हिंसाचारानच सोबलो.

स बशींक अुजो घातलो. अुदकाची पायप लायन फोडली.

एक पूल मोडून अुडयलो. कांय शाळांक अुजो घातलो.

हें सगलें मराठी प्रेमाखातीर जालें.

□

हिंसाचाराक भिवन सरकारान कोंकणीचें बील हाडलां. ह्या सरकाराकडेन न्याय मागपाचें हेंच जर साधन आसत जाल्यार आमीय कित्याक फाटीं रावतले. आरंब तुमी केला. आतां परीणामय तुमीच भोगूंक जाय. आमी किरिस्तांवांक आनी बाटक्यांक बुद्द शिकयतलेच !

–अशें लोकांनी वेंचून दिल्ले प्रतिनिधी अुलयतात.

– अशें गोंयमुक्तीसंग्रामात वावुरिल्ले सत्याग्रही अुलयतात.

हे भूंयेचे फायचे खांब अुबारपी मास्तर, प्रोफेसर्स अुलयतात.

मागीर प्रस्न पडटा –

खलिस्तानवाद्यांक हाणी कित्याक दोश दिवचो ?

श्रीलंकेतल्या तामिळींचो कित्याक अुद्धार करचो ?

बेळगांवखातीर लोकांक खुबळावपी संदसोदी म्हाराष्ट्रीय राजकर्त्यांक कित्याक नांवां दवरचीं ?

आमी सगळे एकेच माळेच मणी.

धर्माचें वारें कानावेल्यान गेल्यारूच पुरो, मनशान आपली बुद्द घाणाक दवरूंकच जाय.

☐

आज आमचे अुध्वस्त तुळशीचो फोटो 'गोमंतप्रभा' त आयला.

सकयल दोन कॉलम रुंदेची बातमी आयल्या. 'अरूण रायकर ह्या निष्ठावान मराठीप्रेमीच्या घरचे अुध्वस्त तुळशीवृंदावन. हे तुळशीवृंदावन हेतूपुरस्सर अुध्वस्त करण्यात आल्याचे छायाचित्रातही स्पष्ट दिसत आहे... असे प्रकार गोव्यांत सर्रास घडू लागले आहेत ही दुःखाची बाब आहे.'

घडप कितें आनी ताका रूप मेळप कितें ?

तुळस म्हज्या घरची. हांव घराचो मुखेल पूणून नांव अरुणाचें. शिमिटाच्या बसकेर बसयिल्ली मातेची तयार तुळस. मस्त्या बैलान शिगानी ती बसकेवेली अुस्कटायन अुडयली. ती सकयल पडली, फुटली. त्याच तूळशीचे आज भांडवल जातना दिसता. 'हिंदूच्या धार्मिक भावना दुखविण्याचे हेतुपुरस्सर प्रयत्न' हें ताका मेळिल्लें रुप.

आनी अशें घडटा–मेरेन म्हाका कांय एक कळना.

आनी आज खरी वस्तुथिती सांगूक गेल्यार हांवय अभिमानहीण जातां 'तो कोंकणीवादी. तो तशें म्हण्टलोच्च. सगळेंच सोडल्यार तो धर्म तरी कित्याक मानतलो' हें अशें म्हज्या असवडी म्हाका आयकूंक येता.

म्हज्याच घरांत आज 'मुगले आझम' घडूंक लागला.

आज म्हज्यान सोंसू जाले ना. मनातली घुसमट, जाल्लो अपमान अरुणाचेर ओंकलों. तासभर रागान खेपत रावलो ताका. तेन्ना अरूण म्हाका सांगता 'मेलो म्हुण समज आनी वासपूस सोड.'

– नशिबांतलें चुकय अशें न्हय रे म्हजें मागणें.

पयर वाचिल्ल्या– 'गोमंतप्रभा' त एके खबरेची म्हाका याद जाता.

'शिरोळे येथील देवळात चोरी. मूर्तीची विटंबना.' आनी कुशीकच हात, नाक तुटिल्ले मुर्तिचो वेंतभर फोटो.

ही खबर अितली प्रोजेक्ट करपाफाटलो हेत सुदंग दिसता.

'कोणा हिंदुलें हें काम न्हय !

मागीर कोणालें ?

प्रश्नचिन्हांतलो अर्थ सामको अुक्तो !

ते कित्याक अशें करतात ?

तांका हिंदुचेर राज्य करूंक जाय.

ते खंयचे भाशेक मानतात ?

कोंकणीक.

कोंकणी आमकां कित्याक नाका ?

आभचे तुळशीखबरेवरीच ही खबर आसूं येता !

आनी कितेंय खरेपण आसलेंच जाल्यार–भिंद्रनवाले हो एक शीख म्हुण सगळेच शीख भिंद्रनवाले ?

त्याच दिसाळयांत पंजाबचेर एक अग्रलेख दिला. राजकार्णी शिखांल्या धार्मिक भावनांक चिथायतात म्हुण तातुंत दुःख परगटायलां.

मनीस कितलो तेप स्वताकच फटयतलो काय ?

□

अरूण ह्या दिसांनी घरांत नासतालोच म्हणा. आतां तो रातचोय भायर रांवक लागला.

ताका आतां कितेंय सांगपाचें अुल्लें ना. घर सोडूंक लेगीत तो तयार. (शाणून ताका नोकरी मेळोवन दिता म्हळां.) म्हजें ताका नांव नाका. आवयक आयकना. रमेशाक–भावाक वालोर दिना.

काशिनाथ, दिगंबर हे म्हजेबरोबर अिस्पिकांनी खेळपी. म्हजे पिरायेचे. आज मराठी चळवळीक लागून अरूण तांचे वांगडा वावुरता. अरुणाक ताणी कितेंय बुद्द दिवची म्हुण तांका परिस्थिती समजावन सांगली. ताणी म्हाका वेगळेच सांगले. 'तुकाच सगळें कळटा अशें समज नाका. ताका आतां बुद्द आयल्या. तुवें ताका आतां समजावप न्हय. तो जें करता तें बऱ्याखातीर.'

हांव, काशी, दिगंबर एकमेकांक संसारातल्या सुखदुख्खाच्यो गजाली सांगून थंड्डाय अणभवताले. आज एकमेकांक समजून घेवंक तयार ना.

ह्या दिसांनी वाड्यावाड्यार पेट्रोमॅक्सच्या अुजवाडांत सभा जातात म्हुण आयकलें.

अरूण रातीचो घरांत नासपाचें तेंच कारण आसये.

कालचे सभेचो वास लागतरेच हांव मुद्दम सभेक हाजीर रावलो.

अरूणासयत खुबशे जाण तेंच तेंच अुलयले.

शाणू, काशी, दिगंबर हे म्हजे पिरायेचे स्वातंत्र्यसैनिक मात्र मात्शें वेगळें अुलयले.

‘आमी स्वातंत्र्याखातीर झुजले. पोर्तुगिजांली बंदखण भोगली. आतां परते एक फावट आमकां झुंजचें पडटा. हेंच तर खरें दुख्ख. आमी पोर्तुगिजांक भिले ना ते ह्या बाटक्यांक भितले ! हिन्दूधर्माखातीर आमी मरण लेगीत आपणावूत.’

—स्वातंत्र्यसैनिक आज खऱ्यानीच ‘भांडवल’ दार जाल्यात.

□

आज एक नवीनच खबर आयकतां.

पंदरा आगस्टाक मराठी समिती आनी कोंकणी एकवट हाणी एकाच वेळार पणजेंत आशीकुशीक मेळावे घेवचे थारायल्यात. पोलिसांनीय दोगांकूय मान्यताय दिल्या.

पणजेसारक्या येद्याशा शारांत भाशावाद सोडून धर्मकलह घेवन रस्त्यार आयिल्ले लोक एकमेकांमुखार येतले. कोंकणीचे पन्नास–साठ हजार मराठिचे एक चार–पांच हजार.

कितें घडत ?

कितेंय घडू येता !

सगळयालीच बोडां कित्याक फिरल्यांत ?

□

कितें तरी घडटलें !

कानार खबरो येतात त्यो पळयल्यार कितेंय तरी वायट घडपाची सुलूस लागता.

मराठी समर्थकांनी वर्कशॉपांत भाले–त्रिशूळ करूंक ऑर्डर दिल्या. तोण्यांक–कोंडयांक खिळे मारून ते ‘जय्यत तयारें’ त आसात.

कोंकणी भक्तानी कितें तयारी केल्या नकळो.

हें कसलें चिन्ह ?

धरून हाडिल्ल्यावरी अरुणाक जेवणावेळार सोडून हाडलो.

आवयन–कावेरीन ताजे पाय धल्ले. रडून–रडून कावेरीचे डोळे सुजल्यात. कावेरीकच अरूणाक समजावंक लायलें.

तो कसोच आयकूंक तयार ना.

निमाणे हांवे ताका थंडावपाचो यत्न करून पळयलो. ‘हो रक्तपात बरो

न्हय. हाणें कांय मेळचें ना. मराठीचो हट्ट धर. पुणून असल्या रणखेवांत पडनाका.'

तो अुरफाटें म्हाका विचारता, 'तुवें पोर्तुगीजांआड सशस्त्र अुठाव कित्याक केलो ? घरांतल्यांनी आडायलो तरी फाटीं कित्याक फिल्लो ना ? त्याच रक्ताचो हांव.'

त्या आनी ह्या झुंजातलो फरक ताका समजावनय कळना.

अरूण जेवणाताटावेल्यान अुठून गेलो.

कावेरीक दोतोर हाडचो पडलो.

आज कावेरीलेंच खरें दिसता. 'हे लाड तुमकां एक दीस भुजतले.' अणभव तर तसोच आयला.

हांव चुकलों काय म्हजे मानसशास्त्र चुकलें ?

कावेरी वतपावसांतल्यान जें शाणेपण शिकलें तेंच खरें.

अरूण मुळावे शाळेंत शिकतना ताका शाळेतल्यान घरा हाडूंक हांवेंच वचूंक जाय आशिल्लें. नाजाल्यार केदोयवेळ थंयच बसून रावतालो. त्यावेळार कावेरी शिटकायतालें. हेरांलीं भुरगीं येनात घरा ? ताकाच कित्याक हाडूं वचूं जाय ? भुरग्यांल्या मानसशास्त्राचो आधार घेवन हांव तेन्ना कावेरीक पिशांत काडटालों.

आज हांवच पिसो जालां.

□

अरूण संसाराक अंतरल्यार आज एक म्हयनो जालो. आज ताजें माशिक.

कावेरी आजूनय सावशीत जावंक ना. देवाकडेन एकूच मागतां, तें तकलेर कितेय परिणाम करून घेना जाल्यार पुरो.

अशें कित्याक घडलें ? विचार केल्यार तकली भेरेता.

काशी, शाणू सगले येवन गेले. आपलें कर्तव्य करून गेले.

मराठीवाद्यांनी, गोंय महाराष्ट्र आनी बेळगांवच्या एकान एक मराठी दिसाळयांनी अरूणाक हुतात्मो केला. ताजे फोटो छापून हाडल्यात. आर्गीं ओंपल्यात. हांगाच्या कांय दिसाळयांनी ताका गुंड म्हळा.

कोण कितें म्हण्टा ताजेर विचार करपाचे मनस्थितींत हांव ना. पुणून एकूच दिसता. अरूणाक अशें मरण येवंक नाका आसलें.

कोंकणी, मराठी आसा थंयच आसा. कोंकणी राजभास बील चिकित्सा-समितीकडेन पावलां. आतां गोंयचें वातावरण बरेचशें निवळळां.

राजकर्ण्यांनी फुडल्यो वेंचणुको झुंजपाक अरूण आनी ताज्या वांगडा पंदरा-सोळा जाणांक जिवानशीं सोंपवन, एक विशय जिवंत दवल्ला अितलीच ह्या वर्साच्या घडणुकांची निश्पत्ती

❑

अरूणाले निसणीक खांदो दिवंक शाणू आयिल्लो. आज स म्हयन्यांनी परतो तो आमगेर पावलो.

शाणूक परतें तिकीट मेळ्ळा. वेंचणुकेंत तो अुबो आसा.

कावेरीन ताचे प्रचार सभेंत चार अुतरां अुलवचीं असो आग्रो घेवन तो आयिल्लो.

कावेरीक बापडयाक केन्नाय माचेर अुब्रे रावनच खबर नासये. तें आनी कितें आनी कित्याक अुलयतलें !

कावेरी पुण्यांतलें. मूळ मराठीभाशी. मराठीखातीर सोंपिल्ल्याली आवय. तें आपले पार्टीन अुलयतले हें शाणूले गणित आसये.

तोंडारूच सांगतां आशिल्लों पुणून वगीच रावलों. विचारून पळयता म्हुण वगीच सांगलां.

❑

कावेरीन आज म्हाका कल्पनेभायलो धक्को दिलो.

शाणूले प्रचारसभेंत अुलवपाचो आपलो विचार ताणे म्हाका सांगलो. कितें आनी कितले अुलवपाचे हें लेगीत ताणे थारायिल्लें.

'आज हांव तुमचे मुकार आयलां तें फक्कत कावेरी म्हुण. जायरात केल्लेवरी हुतात्मा अरुणाची आवय म्हुण न्हय.

कांय लोकांनी अरुणाक हुतात्मो केला. तो हुतात्मो न्हय. ताणे बलिदान केलें ना. कोंकणी–मराठीच्या झुंजात आपल्याच लोकांली तकली फोडटना तो मेला. ताणे अविचारान आत्महत्त्या केल्या. आयच्या भश्ट राजकारणान ताका आत्महत्त्या करूंक लायली. ताज्या मर्णाचे दुख्ख सोंसतनाय हें सत्य हांव लिपवंक शकना.

अशे सोळा अरूण सोंपले. आनिकय सोंपतले. पुणून ज्याखातीर ते सोंपले ते प्रस्न सोंपचे ना. ते जिवे अुरतले.

ह्या प्रस्नांचें आनी अरुणासारक्या अविचारी तरणाट्यांचे आत्महत्येचे भांडवल करून स्वार्थी राजकार्णी परते वेंचून येतले.

ह्या भश्ट राजकारणांतल्या भश्ट प्रचाराक भुलनाकात.

भुलशात जाल्यार तुमचेपैकीव कोणातरी आवयक आपल्या चल्याल्या मर्णाचे काळजाक रोंबिल्ले दुख्ख घेवन फुडले वेंचणुकेंत माचयेर येवचें पडटलें. आपल्याच चल्याल्या खुन्यांचो प्रचार करचेखातीर.

स्वताकडेन प्रामाणिक रावात, चितून मतदान करात.'

वाचून हांव आबूज जालो. कावेरीचेर तापलों.

राग न्हिवतरेच कावरीक हांवे समजायलें.

राजकर्ण्यांकडेन खेळप आमकां झेपचें ना. हळशिकेंत फातर अुडवन तीं आंगार घालून घेवप हें शाणेपण न्हय हें म्हजें मत ताका सांगलें.

कावेरीन सगळें मोन्यांनी आयकून घेतलें तें एका अुतरान अुलयलें ना.

अुदक घालून विंगळो पालवचो तशें ते निर्शेलें. ताजें निर्शेवप ताज्या चेऱ्यार मूर्त जाल्लें.

आज्यान कुरो केल्ली पानां श्रुतीन वाचून सोपयलीं. डायरी धांपून ताणे मान वयर केली. श्रुतीन कितेंय अुलोवचे पयलींच आज्यान तोंड अुगडलें.

"आतां फुडें आयक- "

दुसरे दीस शो–केसींत म्हजें ताम्रपत्र पळवन हांव अजापलों.

ताम्रपत्र–गोंय सुटकेझुजांतल्या म्हज्या योगदानाचें यादपत्र. अितले दीस देवाकुडींत ताजी पुजा जाताली. कावेरीन, तुजे आजेन ताका देवत्व दिल्लें. तें ताम्रपत्र त्या दिसाअुपरांत शो-केशीत पावलें.

हांवे कावेरीक ताजेविशीं विचाल्लें, 'आतां शो–केशीतच तें चड सोबून दिसतलें.' कावेरीन त्या दिसा म्हाका दिल्ली ही जाप. अितलेंच तें अुलयलें आनी आपल्या कामाक गेलें.

त्या दिसासान कावेरीन म्हजेकडेन अुलोवपच सोडलें. अुलयतालें पुणून वावराडेन धनयाकडेन अुलवचें, तशें.

ताणे म्हजे वांगडा सिनेमाक, नाटकाक, जात्रेक, खंयचेय कार्यावळीक वचपाचें सोंडलें. तो वेळमेरेन खंयचेय कार्यावळीक आमी एकमेकासांगताबगर गेलीं नासलीं.

निमाणे दोळे धांपतनालेगीत तें आपल्या मनातलें म्हजेकडेन कांय अुलयलेंच ना. मोन्यांनी दुकां गळयीत ताणे दोळे धांपले.

अुलयतां अुलयतां आजो हुंडकेलो. अुतरां गलबल्लीं, थरथरलीं. दोळयांतलीं दुकां लिपवपाचो आज्यान यत्न केलो पुणून तीं लिपलीं ना.

श्रुती सुन्न जावन बशिल्लें.

कांय वेळ दोगांमदीं एक असह्य शांतताय थरथरत अुल्ली.

* ३ *

□ ३ □

घुसमटिल्लो धुकट

□ □ □

शान्तूक जाग आयिल्ली तेन्ना भायर सामकें अुजवाडिल्लें. भायलो भणभणीत अुजवाड भीतर सरिल्लो.

"ये शान्तू. अुठ म्हगो. शान्तू ऽ"

शान्तूली आवय हातरुणाचे कुशीक बसून फातरेर पान धाडायताली. तिची ही सदांचीच संवय. सकाळीं अुठून पान चाबळावप· शान्तून आवयली जाप आयकलीना आयकलीशी केली. शान्तूली कांयच हालचाल जाल्ली दिसली ना.

"हाळ पोडूं हेजी न्हीद. शान्तू ऽ"

तरीय शान्तू न्हिदिल्लेंच.

शान्तूले आवयलें दाडवण पयलींच्याकय नेटान वयरसकल जावंक लागलें. रगडचार घातिल्या वाटपासारकें पान ह्या दाडवणांतल्यान त्या दाडवणांत चिड्डत रावलें. ती पचच करून थुकली. पान धाडावपाची फातरी कुशीक धुकलून जमनीक नेट लावन कडकडत अुठली. तशीच बडबडत दार काडून भायर आयली.

"राजागेर जावंक जाय आशिल्लें हें. असल्या वागण्यांनीच म्हज्या हड्डचार बसलां. आवयक बांये कालचो अुपास. दक्क जातली ती. रोकडेंच अुटून कितेंय करून दिवयां. कळूं नाका हेंका ..."

ती भायर वचून आयली. परत हातरुणार येवन अुवस काडीत बसली.

"ये शान्तू ऽ"

शान्तूक अुठपाक जिवार आयिल्लें. काल दीसभर शेतांत धिपळे फोडिल्ल्यान आंगपांग रशी भरिल्ल्या फोडावरी सणसणटालें. आंगय धगमगशें लागतालें. आपणाकच कोणेय आयती च्या ताळयार घातल्यार पुरो अशें ताका जाल्लें. पुणून आत्रयली गाडी मूळ पदार येतरेच ताका अुठचेंच पडलें.

"आवय गे ऽ"

शान्तू परवलें. आंगांतली सगळी दूक मुखामळार हाडून तें अुठलें. अुशाकडची चिमणी आनी फस्क घेवन भीतर गेलें. आवयचेर नदर लेगीत घालना आसतना. रात्रींत कालचो गोबोर तस्सो आशिल्लो. अुश्टीं आयदनांय तश्शीं आशिल्लीं. काल सामकेंच पुरो जाल्ल्यान जेविल्लेकडेन शेणा–हात लेगीत फिरयनासतता शान्तू आड पडिल्लें. हें सगळें पळवन ताचे तकलेक तोणो मारिल्ल्यासारखो जालो. तीन–चार मिनटां तकलेर हात घेवन तें तशेंच बसून रावलें आनी मागीर रात्रीतलो गोबोर काडून ताणें अुजो साणकण घातलो. अुश्टीं आयदना अुकलून घेवन तें भायर आयलें. अजून तागेले दोगीय चेडे हातरूणारच आशिल्ले.

"अुठा रे . . "

शान्तू च्याचे पुरतीं आयदना घासून घेवन आयलें तेन्ना तागेलो व्हडलो चेडो दारांतूच दोळे चोळीत बशिल्लो.

"चल रे, तोंड धुयन दुदाक वचून यो."

"खावूं कितें करतली ?"

"चार आण्यांची बटरांय येतना घेवन यो. चल. शाणो तो."

"सदीं सदीं बटारांच ? थालपीठ कर न्ही गे आजे."

"आज न्हजो रे म्हज्यान. फाल्या करयां. शाणो तो."

शान्तूली चेडयावेली नदर, चेडयान आपली नदर आजेचेर फिरायली तरी हाल्ली ना.

"सदीं अशेंच सांगता तूं. हांव वचना दुदाक."

"चल वच रे. सकाळींफुडेच करकर करिनाका."

शान्तू आयदना घेवन थंयसान हाल्लें.

"तूं थालपीठ कर तर –"

"कित्याक करंदाय घालता गो तांची."

शान्तूली आवय जमनीक हात तेकयत करटान अुठली. कमरार हात मोडून बावगून अुबी रावली. अुबस काडीत माडाआळयांक वचून बसली, तोंड धुंवक.

"शान्तू अिल्लेशें पीठ चिड्डीन घाल गो दोन थालपिठां. कालसान लागला म्हगो तो. आनी म्हाकाय कालचो अुपास. सामकें अुबयन काडिल्ल्यासारकें जाला पळय."

"अेका पैशाचें काम जायना. गिळूंक मात जाय आयतें बशिल्लेकडेन.

आवयकच खावन अुडयात आतां. आवयच्यान जाता न्हजो कांय कळना मडगेल्ल्यांक."

आवयल्या कानार पडसारकेंच शान्तू उलयलें.

"म्हजेंच खाता म्हुण बरें"

आवयन घोटाक घेतिल्ल्या अुदकांत शान्तूल्या अुतरांनी वयर सरिल्ली तिडक कालयन, थूऽ करून तें भायर माल्लें.

"हेंच्या दारांत वचून पडचें पडल्यार कितें करता आशिल्ली देव जाणां. हेणीं म्हजें खातीर कांय करचेंच नाका आनी अुलवचेंय नाका. चार पैशे दिल्यार कोणय घालतलो तोडांत अुदक. कोणाल्याच पायार हुडी घेव. तुमी मड्यार लेगीत नदर घालूं नाकां म्हज्या. असल्या करण्यांनीच भांगरासारख्या घोवाक सोडून म्हज्या हड्ड्यार येवन बसलां."

शान्तूली आवय धापेली.

शान्तूक हेंच रोंबतालें. परत परत तेंच तेंच — घोवाक सोडून आयलां.

— कित्याक वयर काडूंक जाय ? आनी सगळें खबर आसूनय.

आनी म्हणूनच शान्तूक आवयचो राग येतालो. शान्तू घोवाक सोडून आयिल्ल्या दोन – तीन म्हयन्यामीतरच, फातरावरी सणसणीत आशिल्ली आवय हातरूणाक लागिल्ली. कसलें तरी फाटी कण्याचें दुयेंस आशिल्लें. शान्तून घोवाक सोडिल्ल्यानच आपणांक हें अशें जालें असो अेक तिणे समज करून घेतिल्लो. म्हणूनच ती शान्तूक खेंपत रावताली.

आवयले हे कटकटीक लागून शान्तूक खूब फावटी आवयलें घर सोडून वच्चें दिशिल्लें. पुणून आवयक हातरूणार अुडवन गेल्यार आनी परत लोक फाटीक लागता आशिल्ले. दुशणां दिता आशिल्ले. घोवाक सोडून आयिल्लें म्हण दुशणां दितालेच. आता तातूंत भर पडटा आशिल्ली. ताजी सामकी घुसमट जाल्ली. मनांतल्या मनांत तें आवयक खेंपतालें, आपले करणेचें समर्थन करतालें.

— भांगर कसो घोव खंय ! मेल्लेन म्हाका दोळे धापूंन तेज्या गळ्याक बांदलें. सोरोबेबदो म्हण खबर आशिल्लेंच. हांवे सांगिल्लें लेगीत त्यावेळार. पुणून दादल्यांक आनी व्यसनां आसनात ? म्हुण म्हाकाच पिशांत काडलें.

— लग्न जाल्ले पांच - स म्हयने येतालो मेल्लो सारको घरा. मागीर ना. आयल्यार आयलो नाजाल्यार गादेरच न्हिदलो. किरिस्तांवागेर. तेंगेरच जेवप, तेंगेरच न्हिदप. सोन्याखातीर तेंगेलें कसलेंय काम करप. काय बरेलो पागपी. दर्यांत वचपी. कितेंय जोडिल्लें त्या किरिस्तावणीच्या हड्ड्यार व्हरून घाल्लें मेल्लयान. भुरग्यांली चौकशी ना. बायलेली वासपूस ना. हें सगलें सोशिल्लें म्हणा हांवे, तूं ते किरिस्तावणील्या चेडवा काजराक म्हाजी काकणां मोडटा ? ते किरिस्तांवणीन अेक लज सोडल्या. जोडूं गेल्यात तरी तेंगेले घोव. तुका कित्याक

पोडू जाय आशिल्लें तिजे म्हन्यांत. तुगेली बायल नाशिल्ली घरा...

शान्तूक सामके जाळ पडटाले.

– हें सगळें खबर आसूनय आवय म्हाका कित्याक खेपता ?

पातळ केल्लया पिठांत माजरांन तोंड घातलें. शान्तूली तिडक मस्तकाक पावली. अेक सणसणीत कायलातो ताणे मांजराचे फाटीर घातलो. मांजर कळवळ्ळें. वळवळत धांवलें. शान्तूय कळवळें. ताणें भायर येवन मांजर खंय गेलां, कशें आसा हाजो अदमास घेतलो. शान्तू दिसतरेच मांजर बशिल्लेकडसून अुठून आनीकय पयस धावलें.

"वसवशें वागखाल्लें."

आपल्लेमदींच अुलयत शान्तू थालपीठ थापूं लागलें.

"घोवाक सोडून कुळारा येवन पडिल्ल्यो बायलो आमी पळयल्यो ना देवा. आमी काडले ना तरास. आमी खालो ना मार... "

आवय पानाबरोबर शान्तूकय चाबळायत आशिल्ली.

शान्तून आपलो राग लाकडां बडयांर काडिल्लो. रात्रींत आनीकय धुंवर जालो. लाकडां बडयन बडयन तें थकलें.

"वाग खाल्लीं लाकडां लेगीत सतायतात."

तें अुठलें. आंग परत सणकलें.

"कित्याक दवल्ला रे देवान म्हाका."

नाका फुडले नदरेन तें आंगणात आयलें.

सट सट करून कांय सकरे वयींचे पेलतडीन पडले. शान्तूली कुकडां कोंकेत वयेंत घुसलीं.

पलतडची घरकान्न सकल बावगून कणगांबांदे नियाळटाली.

"ह्या कुकडांचेर कसलो मोर आयला देव जाणा. काय बरे कणगांबादे अुस्तिवन अुडयले."

कुकडांनी तिगेले कणगांबांदे उस्तिवन उडयिल्ले दिसताले.

अजूनय कुकडां मानो वयर करून कोंकेत आशिल्ली. शान्तूनय कुकुडांचेर सकरे शेवटीले.

"त्या बागांत कित्याक वचून मरतात. येदें व्हडलें हें कुळागर ना! हांगाच खांवन मरात. काय बरी तीन तलगां हड्डयार पडली लोकांच्या. आता हीं अितलींच अुरल्यात. तींय घालून घेंव दी हड्डयार –"

शा तूलें तोंड सुटिल्लें.

"आमच्या फाटल्यान लागिल्ल्याचो निस्पात जांवरे देवा! बेगीनच खंयच्या गांवसान अुवाळून उडयिल्लीं हांगा येवन पडलां आमकां खांवक? घट्टण जांव रे देवाऽ निसतांन जांव रे देवाऽ. बेगीनच व्हर रे आमकां सतायतल्यांक. आवोचो

एक मुड्डो करून घातलोच. आतां आमी अुल्यांत न्ही. आमचें आनी कितें करचें दवल्लां ? करपाचें तें करून घेतलें. घरांत सदींच झगडीं – झुजां. तरी हांव सांगता आमगेल्या त्या हडब्यांक. मडे गेल्ल्यांदो, त्या बांगातल्या शियाळयांक–बींडयांक हात लायनाकात म्हूण. कितें घाडीपणां करतात देव जागां. निसतांन जांव रे देवा. बेगीनच व्हर रे देवा, हात धुवन आमचे फाटल्यान लागिल्ल्यांक –"

सभवतणची फर्लांगभर सुवात आपल्या आवाजान हालयन अुडयीत शान्तू भीतर गेलें. लाकडांबडयो व्हरपाचें विसरिल्ल्यान परत भायर आयलें.

शान्तूले वयीं पेलतडचे शेजान्नीक आपणें कुकडांचेर खंयचे सकरे माल्ले कांय जालें. पुणून तिका रोकडेंच दिसलें, आनी कोणेंय माकडांक आंबुडले तरी तें अशेंच फणफणटा आशिल्लें.

चारचार दिसांनी कोणाचेर ना कोणाचेर असो भार काडपाक शान्तूलें घडलां कितें काय ? हाजेर विचार करीत शान्तूले शेजान्नीन बांदचांर शिरी वडलीं.

***

□ ४ □

मूर्त

□ □ □

बस मादाळें थारता. फुडल्यान शिटांचे पांचवे वळींत तो बशिल्लो· तिगांच्या शिटार दोगामदीं. ताचे दावे कुशिचो पेसेंजर अुठून फुडल्या दाराकडेन वता. फुडल्या दारांत आनीकय दोग–तीग जाण देंवपाचे तयारेंत आसतात. फाटल्या दारान चार–पांच जाणच देंवपाचे आसून लेगीत थंय गर्दी जाल्ल्यावरी जाता. फाटल्या दारान देंवतले गाबतिणीक वेंगेंत घेतल्ल्यावरी धरून कंडक्टर तिका म्हण्टा,

"देंवना गो शेंवत्या, बेगीबेगी."

दर एकट्या कंडक्टराक ही संवय कशी ? ताका प्रस्न पडटा. लोक देंवनात कशे ? तो अुठून सकयल नदर मारता. लोक देंवतनाच, वयींतल्यान गोरवांनी भीतर घुसचें तशें काय जाण बशींत भीतर घुसपाचो यत्न करतना ताका दिसतात. कांय चलयोय आसतात आनी अचकीत तातूंक ताका तें दिसता.

तेंच तें.

तें म्हळयार ताका ताजें नांव खबर ना. गांव खबर ना. कोण कितें कांयच खबर ना. पुणून तरीय तें ताचे यादींत घट्ट बशिल्लें आसा. सवाशिणिल्या कुकमावरी. ताका लागूनच ताका मादाळच्या मांडी जात्रेचीय पर्थून पर्थून याद येता. सकयल देंवपी सोंपतले आनी आपूण वयर चडटलें हे तयारेंत तें आसता. एकेकटो भीतर सरपाक लागिल्लो आसता. तो मदलें शीट रितें सोडून कडेक बसता.

दोगांमदीं बसपाक कोणय रोकडो तयार जायना हें तो जाणा आसता.

"बस रे तूं!"

फाटल्या दारान चडिल्लया दोग जाणातलो पयलो, आपल्याक मेळिल्लो जागो सोदीत फुडें येता. फुडें काय शिटां रितीं आसतात. तो वगीच फाटल्यान पळयीत रावता, शीट सोदपी मनशाक आपल्याक हटकीवचे परस फुडल्या खंयच्याय रित्या शिटार वचून बसचें पसंत करचें म्हुण.

त्या शीट सोदतल्याक फुडें शीट मेळटा.

तें हांगा येवन बसल्यार पुरो. तो आशेता.

तो दारांतल्यान भीतर पळयीत रावता.

एकटें चडलें ... हें अिनलें फाटी कशें?

"मात्सो पांय कुशीक करना."

एकटो लांबरुंद देखणो मनीस ताका मोवाळ अुतरांत सांगता.

ताजे पाय आपशीच कुशींक वतात. मदलें शीट भरता. हो फुडल्या दारान भीतर आयलो दिसता.

"ह्यो प्रायव्हेट बशी म्हळ्यार अश्योच. खंयच्याय दारान भीतर घेतात. खंयच्याय दारांतल्यान देंवक दितात?"

तो आपले दावे कुशिच्या शिटार बशिल्ल्या पेसेंजराक सांगता. दावे कुशिचो तें अुलोवप व्हडलेंशें मनार घेना. पुणून ताका एक समाधान मेळडा. राग काडिल्ल्याचें.

तें आतां बशींत चडिल्लें. ताका शीट मेळना. तें खाब्याक तेकून अुबें आसता. आयज तें ताका चडच सोबीत दिसता. ताका आपणे वाचिल्ले एके कथेची आपशींच याद जाता. 'याद आसा ...' ताकाय 'याद आसा' चे भाशेंत ताजेकडेन अुलोवचें दिसता.

याद आसा ...

याद आसा, तूं ते दीस मादाळच्या भांडी जात्रेंत म्हाका दिशिल्लें. तुवेंय म्हाका पळयिल्लें आसये. तू 'कोल्ड्रिंक हावसा' च्या माटवांत बशिल्लें, अिश्टिणीवांगडा. तूं पांचवी साडी न्हेशिल्लें आनी तसल्याच रंगाचो ब्लावज तुज्या आंगार आशिल्लो. तुमी तुमचेमदीं कितें अुलयतालीं तें हांव नकळो पुणून मदींच हांसलीं. तेन्नाच हांवे तुजेकडेन पळयिल्लें आनी ... आनी ... म्हाका केदी धादुसकाय भोगली जाणा ...? म्हाका कळ्ळेंच ना, तूं हांसताना लजता काय लजताना हांसता म्हुण. म्हाका दिसलें, तुवें तशेंच हांसत रावचें. हांवे वगीच तुज्या हांशाक अुपमा दिवपाचो यत्न केलो. अुजवातीचो परमळ, मोगरे फुलांचें फुलप. पुणून तुजें हाशें तांचे परस चड धादुसकाय दिवपी आशिल्लें. हांवे मागीर तें अुतरांत धरपाचो यत्नच सोडून दिलो.

मामा, मामी आनी तांची धाकटी भुरगीं हांचे वांगडा हांव बशिल्लों, थंड

कितेंय पिवंक म्हुण. तुज्या सामको मुकार नाशिल्लों तरी बशिल्लेकडसान म्हाका तूं स्पश्ट दिसतालें. म्हजी आनी तुजी एक फावट नदरानदर जाल्ली. याद आसा ? म्हाका खूब बरें दिशिल्लें. पुणून तुजेकडेन पळयीत रावल्यार तुजें हाशें पालवत म्हुण हांवे मागीर तुजी नदर चुकयली. ताजे पयलींच तुवें म्हजी नदर चुकयिल्ली आसये. हांव मागीर माटवांतली कॅलेंडरां पळवपाचें निमित्त्य करून, मामाल्या भुरग्यांक तुज्या सामकारच्या दुकानांतलें कितेंय दाखवपाचें निमित्त्य घेवन पर्थून पर्थून तुका पळयन घेतालों. तुजें रूप दोळयांनी पितालों.

मागीर तुमी बशिल्ल्या मेजाचे कुशीक कोण तरी दोन देखणे तन्नाटे येवन बसले. ते तुमचेकडेन अुलोवंक लागले. तुज्यो अिश्टिणीय तांचेकडेन अुलयताल्यो, हांसताल्यो. तूं मात्र ओग्गी बशिल्लें. तांचेकडेन पळयलें लेगीत ना तुवे. खाडकेक हाताच्या तळव्याचो आदार दिवन तूं मेजावेल्या ग्लासांकडेन पळयीत आशिल्लें. कितलोसोच वेळ तुजी नदर थंयच आशिल्ली. ती वयर आयलीच ना. कांय वेळा ती माटवाभायर मात्र गेल्ली.

मादाळे तेन्ना म्हजो कोणय फ्रेंड आसल्यार हांव ताका तुजें नांव विचारता आशिल्लों. मामाक कितें विचारतलों ? जाल्ना सोंपतरेच लेगीत दोन दीस हांव मामागेरच राविल्लों. पुणून मागीर तूं म्हाका दिसलेंच ना.

नांव कितें गो तुजें ? तुजेवरीच तुजें नांवय सोबीत आसये. चुकलोंच हांव ... तुका खंयचेंय नांव सोबीत दिसतलें.

स्टॉप येता. ताच्या दाव्या हाताचे वळींतल्या ताजे फाटल्या शिटावेलो एकटो देंवता. ताका शीट मेळटा. तें बसता.

ताजी नदर पर्थून पर्थून फाटल्यान वताच.

ताजे तकलेंतलों 'याद आसा' वचना.

तुका मात्सो लागिचोच शीट मेळ्ळयार बरें जाल्लें. तुजेकडेन हें पळय कसलेंतरी मासिक आसा. तूं काय आतां वाचीना. म्हुण हांव तें तुजेकडेन मागता आशिल्लों. दिसता तें वाचपाची संवय आसा म्हुण न्हय, तर मागून घेतना तुजेकडेन एक दोन अुतरां अुलोवंक मेळटलीं म्हुण. तूं तें म्हाका दिता आशिल्लेंच. हांव 'थँक्यू' म्हण्टा आशिल्लों. तूं एकाद्रें तेन्नाच्यावरीच हांसत आशिल्लें. तुजें तेन्नाचें हाशें हांव विसरूंक शकना. तूं अुलयता अशें दिसल्यार हांव तुका म्हण्टा आशिल्लों ...हांवे तुका भांडी जावेक पळयिल्लें. याद आसा ? तुमचें घर मादाळींत ? आतां खंय वता ?

हांव तुका तुजें नांव विचारनाशिल्लों. खरें काय खोटें नकळो ; पुण म्हाका दिसता. तुका नदरेंतलो आनी स्पर्शांतलो अर्थ रोकडोच कळटा. म्हाका जरी तुजें नांव खबर करून घेवपाची अित्सा आसली तरी हावें मदींच तशें विचारिल्लें एकाद्रें तुका आवडचें नाशिल्लें. कित्याक तर ती पद्धतच न्हय. जांव पुणून हांव

मात्र तुज्या मासिकाचेर तुजें नांव सोदता आशिल्लों. नांव कोणय्लेंय आसना. ताचेवेल्यान हांव कोणाकडसूनय तुजें नांव खबर करुन घेता आशिल्लों. हय ... आतां मादाळचे एक दोन, गडावेले एक दोन म्हजे फ्रेंड जाल्यात. हांवे करुन घेतल्यात. ना ... आजून हांवे तांकां तुजेबद्दल कांयच विचाल्लें ना. तूं खंयचें तेंच हांव नकळो न्हय !

दोन तीन स्टॉप वतात. कंडक्टर मादाळें पावल्याअुपरांत फाटल्यान आयिलोच आसना. ताका दिसता, कंडक्टरान फाटल्यान येवन मादाळें चडिल्ल्या दर एकल्याक तिकीट दिवंक जाय आशिल्ली.

तूं तिकीट काडटना हांव तुका पळयीत रावतां आशिल्लों. तुवें दिल्ल्या पैश्यांवेल्यान आनी म्हजेकडच्या तिकीटांवेल्यान, तूं खंय देंवतले हाजो अदमास म्हाका मेळटा आशिल्लो. म्हाका गडार पेडाकडेन देवंक जाय पुणून तूं देंवता थंय हांव देंवतलों. मायनहोळाकडेन, गडार मोण्णार, जांव मदीं खय. तुका सामकों नर्व्हस जाल्ल्यावरी दाखयन विचारतलों, श्रीकान्त नायकालें घर खंय ? मादाळसावन गडारमेरेन कितलेशेच नायक आसात हें हांव आयकून जाणां. तूं कितें तरी सांगतलें. थंय तो आसा जांव ना म्हण. मागीर हांव तुका विचारतलों, तूं हांगचेंच ? मागीर खंयचें ? खंय वेता. ना. पुणून तुजें नांव विचारचों ना, तुजे घर खंय म्हणून कळटरेच म्हाका तुजें नांव सोदून काडपाक वेळ लागचो ना. कशें ? पळय ... तूं त्या दीस पांचवी-पोपटी साडी न्हेशिल्लें. आजय तुवें पोपटी सलवार कुरतो घाला. तुका पांचवो रंग आवडटा आसये. तुजे दोळे मारशे निळे-काळे आसात. सोबीत दिसतात ते. अशे दोळे आशिल्लीं मनशां खूब कमी पळवंक मेळटात. तुजे केंसय कमरेमेरेन लांब आसात. तुजें वर्णन केल्यार कोणय तुजें नांव सांगतलो.

बस दर एका स्टॉपार थांबत आसता. ताजी नदर मदीमदींच फाटल्यान घुंवत रावता. तें अुट्टा काय कितें हें तो पळयीत आसता. तें देंवता थंयच आपणेंय देंवपाचे हे ताणे थारायिल्लें आसता. पुणून तें बशिल्लेंच आसता. सुपरवायजराली नदर चुकोवन कॉपी मारची तसो तो ताका पळयीत रावता. दोगांलीय चुकून नदरानदर जाल्यार सुपरवायजरान कॉपी करतना धरिल्ल्यादरी ताजी स्थिती जाता. ताका आतां तर पर्थून पर्थून ' याद आसा ' ची याद येता. ताका दिसता, दोतोर आदोगाद अिंजीनीअर सगले फुकट. आपुण आतां अणभवता ते नाजूक खीण जिवंत करतलो जाल्यार लेखक, जांव कवीच जाय. लेखक जांव कलाकारच खरे. ते मनशांच्या सुखदुख्खांचो एकेक खीण-एकेक कण सोदून दितात. ते पळयन मनशाक आपल्या सुखाची घेराय-अुंचाय कळटा. दुख्खाची सोबीतकाय दिसता. आपुण कस्टम ऑफिसर आसां हाजो ताका व्हडलो झेत आशिल्लो. पुणून आतां ताका दिसता, आपूण लेखक आसूं जाय आशिल्लों म्हुण.

बस गडार पेडाकडेन पावता. थारता. तें बशिल्लेंच. तो पळयता. देवचें काय तशेंच फुडें वचचें म्हुण ताका कळना. फुडें म्हुण खंय मेरेन वतलों. तो अुठपाक करता. अितल्यांक बस सुट्टा. आनी तेन्नाच ताजे तकलेंत एक विचार येता. खऱ्यांनच आपली 'ट्यूबलाईट' पेटली अशें ताका दिसता. अितलो वेळ हें आपलें तकलेंत कशें आयलें ना हाजें ताका अजाप दिसता.

तो फाटल्यान पळयता.

तुका हेवटेन तेवटेन नदर अुकलून पळोवपाची संवयच ना काय कितें ? म्हुकून लेगीत आमची नदरानदर जाल्यार तुजी नदर रोकडीच सकयल वता. (म्हजीय वता.) पुणून एक सांगू ... तूं अशें अनवाळें म्हुणच म्हजे तकलेंत अितलो तेंप अुल्लें ... चार म्हयने तरी जाले आसये न्हय ?

तूं कारवार वेता ? हांवय येता. म्हजें कारवार कांयच काम ना. पुणून एक आस आसा. तूं फेरीबोटींत खंयतरी आसतलें. हांव तुका विचारतलों, हांगसून कारवार कितलें पैस ? वचपाक कितें वाहन आसा ? म्हाका सगलें खबर आसा. पुणून तरीय हांव तुका विचारतलों. मागीर हांव तुका म्हण्टलों. हांवें तुकाच हें कित्याक विचाल्लें जाणा ? हांवें तुका पयलीं खंयतरी पळयलां. तूं केन्नाय म्हापशां वी पाविल्लें. एक फावट हांव मादाळें जात्रेक आयिल्लो. भांडीजात्रेक. एकाद्रे थंयच आसये . . .

पुणून म्हाका दिसना, हांवें अशें तरेन अुलयल्यार तूं म्हजेकडेन चड वेळ अुलयीत अशें . . . ना हांव तसो अुलोवचों ना.

हांव जाणां, 'कारवार कितलें पैस आसा ? ' ह्या प्रस्नाची जाप तूं दितलेंच. मागीर, पावस पडटरेन्न जितले सहज तण कोंबेवचें तितले सहज तांतूंतल्यान एकेक जाप हांव मेळयीत रावतलों. तूं कारवार वता ? थंयचे तर तू ? मागीर खंयचे ? तेंच कळ्ळचार पुरो.

बस गडार धक्यार पावता. दोनीय दारांतल्यान लोक देंवतात. तें फाटल्या दारान देंवक वता. तोय त्याच दारान देंवचे अशें येवजिता. पुणून ते खेटाखेटींत लेगीत आपलें आंग ताका लागचें ना हाजी जापसालदारकी तो घेता.

फेरीबोटींतच कित्याक विचारपाक जाय. हांगा लेगीत विचारपाक येता. फेरीबोट आजून मदींच आसा. तें ताकतिकेन काय फेरीबोटीकडेन धांवचें ना. ना . . . तशे न्हय ... ताणे म्हज्या प्रस्नाक जितल्याक तितलीच जाप दिली आनी तें फुडें चलत रावल्यार फुडले प्रस्न विचारपाक मेळचे ना. आनी परत ताका हटकीवप बरोबर जावचे ना. तशें नाकाच तें. फेरीबोटींकच अुलोवचें.

तें देंवता. तो देंवत आसता.

तिकीट काडले नाशिल्यांक विचून कंडक्टर पैशे घेता.

तें कंडक्टराक पैशे दिवपाक म्हुण पर्स अुगडटा. पैशे काडटा. कंडक्टराचे

मुकार धरता. कंडक्टर ताज्या खांद्यार थापटिल्ल्यावरी करता.

"चल गो तू."

कुर्येनच कंडक्टर ताका पैशे पर्सीत दवर म्हण्टा.

"थँक्यू" तें कंडक्टराक पळयतीत हांसता. पैशे पर्सींत दवरता.

तो तें पळयता. ताका तें हाशें बुरशें दिसता, थिल्लरपणाचेशें.

आनी ...

इलेक्ट्रीक शॉक लागिल्ल्यावरी तो शिरशिरता. झिणझिणटा.

लागीसर खंयतरी फुल्न कुशिल्ल्या लती फुलाचो घाण येता. ताज्यान ती सोसूंक जायना.

तें धक्यावटेन तोंड करून चलत आसता.

आनी तो शेणिल्ले वाटेन पिशावरी चलूंक लागता. धक्याकडेन फाट करून.

●●●

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

□ ५ □

जोर–जुल्मके टक्करपे संघर्ष हमारा नारा है !

□ □ □

नितळ उदकांत काळचा रंगोत बुडयिल्लें पिशोल धुतरेच अुदक काळेवचें तशी तिळसांज काळेवूं लागिल्ली. त्या काळखांत धाकलें देऊळ तोंड लिपवन बशिल्ल्यासारखें दिसतालें. भोंवतणचे मेकळे सुवातेंतलें घुमटी कशें देऊळ तें. पुण आतां दिवो – वातीबिगर ताजेकडेन कोण लक्षच दिना. जी गत देवळाची तीच गत देवळासावन पन्नास हातांचेर आशिल्ल्या धाकल्या आंगडीची.

धाकल्या आंगडींकय आतां काजळी धरूं लागली. सगळ्या सुवातीकव मसणटीची अवकळा आयिल्ली. मदल्या भुसारी दुकानातली बत्ती तितली सोंसोंत आशिल्ली. म्हाल्यान तर आपलें दुकान केन्नाच बंद केल्लें. च्याच्या दुकानांक फळीं लागूं लागिल्लीं. ह्या आंगडींतली ही गॅसार दवरिल्ल्यासारखीं चलपी तीनच दुकानां.

पुण सगळ्या गांवची मात्र नुस्तें मेळपाची हीच सुवात. म्हण ह्या मसणटीक सकाळचे धा ते बारा आनी सांजेच्या पांच ते सात मेरेन मातशें जितेपण येता. देवळाफाटल्या आंब्यापोंदा आज खूब दिसांनी चूल पेटिल्ली. रात्नीतल्या अुज्याच्या तांबडयाहळदुव्या अुजवाडांत डोंबारणिलें रापेल्लें तोंड अुज्यांत तापवन काडिल्ल्या तामणासारखें दिसतालें. घुमटाबशेन फुडें सरिल्ल्या तिज्या पोटाक दोनीय मांडयांनी धिगी लायिल्ली. डोंबारीण भाकरी पातळायत बशिल्ली. तोंडय चालू. फाटल्यान डोंबारी कसल्या तरी चिंतनांत बोड खरपीत, पान चाबळायत.

"पन हाय तरी काय म्हन्ते मी."

"रस्यावरचं नाटक की काय हाय म्हनं."

डोंबारी पच्च करून थुकता.

"अवोऽपन नाटक रातच्या वक्ताला न्हव का ?"

"तसं नाय म्हन. सांच्या वक्तालाच हाय म्हनं उद्या."

"मग हो कसं ?"

"तेचाच अिच्चार करतो ना मी."

तो एक दोन खीण रावता.

"सकाळच्याला खेळ करायचा म्हटलं तर जायरात कधीं करनार "

"आन पोरं तरी कुठं असतात हो सकाळच्याला ? सगळी साळेल्या जात्यात."

"म्हनूनच घोळ नाय का ह्यो ?"

"त्यांना बी अुद्याच कसं फावलं का म्हन्ते मी ?"

"आता असां करता अील बघ –"

डोंबाऱ्याली अुमेद तागेल्या तोंडावेल्यान ओंठांर पातळ्ळी. ताका वाट सांपडिल्ली.

"आतां दीस लअी अुसरां संपतो. एकतर त्या पोरांच्या नाटकाच्या अगुदर आपण खेळ करायचा नायतर नंतर. कसां ?"

डोंबारणिले भाकरी पातलावपी हात थांबले. मान फाटल्यान घुंवली.

"ते खरं वो, पन ते कोनच्या वक्ताला करनार ते नको का कळया ?"

"त्योच वांदा हाय. चौकशी करावयास पायजे."

तो अुठलो. कपडे फाफुडले.

"मी समोरच्या बाजारात जाअूनशान येतो. बगतो कसां हुतं ते."

तो व्हडलें आंगडींत चलूं लागलो. ताज्या फाटल्यान ताजी दोन काच्चींवच्चीं लागलीं. ताणें तांका धेंगसायलें. पानाची लांब पिचकारी सोडली आनी तो आपल्याच विचारांत चलूंक लागलो.

व्हडली आंगड हांगासावन पांच स मिनिटांच्या अन्तरार. धाकले आंगडींतल्यान ती दिसता. गांवचो मुखल बाजार तोच. मुखेल देऊळय थंयच.

त्या दिसा देवळाकडेन कळयांची पुजा आशिल्ल्यान लोक एकठांय जाल्ले. देवळांत बायलांचो पोंजो. भायर कुडक्याकुडक्यांनी दादल्ल्यांले पंगड. तन्नाटचा चले–चलयांले 'ग्रुपस' थोडे भायर, थोडे भीतर. पुण भौतेकांले अुलोवप एकाच विशयाचेर. दुसऱ्या दिसाक गांवात जावपाचें 'रस्ता नाटक–स्ट्रीट प्ले' रस्ता–नाटक म्हळ्यार कितें हें ताजेर अुलवपी बऱ्याच जाणांक खबरच नाशिल्लें. पुण तें ज्या कारणान जावपाचें आशिल्लें तें कारण मात्र सगळयांक खबर आशिल्लें. मूळ गजालीक बरेंच तिखटमीठ लागिल्ल्यान ती गजाल आतां बरीच रुचीक जाल्ली. नेमाळयानींय ते गजालीक बरीच प्रसिद्धी दिल्ली. तशें पळवपाक गेल्यार प्रसिद्धी मेळपासारखीच ती गजाल आशिल्लीय बी. पुण तरीय त्या गांवच्या तीन चार

तन्नाटचा कॉलेज शिकपी भुरग्यांलो गजालीकडेन संबंध नाशिल्लो जाल्यार ते गजालीक त्या गावांक तरी व्हडलें–व्हडलें कित्याक, म्हत्वच येना आशिल्लें.

□

नाटकाचो दीस. दनपारचीं तीन वरां जावन गेल्यांत. खोटाकडेन काटकोनांक मोडून घेतिल्ल्या दाव्या हातार अुजवो हात अर्दवर्तुळाकार फिरयत तोंडान गुऽऽर्‌ गुऽऽर्‌ आवाज करीत भुरग्यांल्यो मोटारी व्हडल्या देवळाभोंवतणे फिरपाक लागिल्ल्यो. देवळाफुडल्या पिपळापोंदा बेरकी आय्‌सफ्रूटवालो. तागेलें बोल्स धा–धा पैशांनी फुगत आशिल्लें. देवळाक अुजवें घालून दाव्या दारान भीतर सरिल्ल्यो बायलो, देवळाच्या बाळण्यार आनी पांवड्यार बशिल्ल्यो बायलो, शिगरां तोपत वतालीं. खबरांच्यो पन्नावळी वाडत चलिल्ल्यो. तांतूत पिरोडेंचे गजालींत घुसपल्ल्यांल्यो आवयोय बऱ्योचशो काचाबूल. आपल्या भुरग्यांक 'देड शाणे' म्हणपी. 'आमचें रक्तच झुजाऱ्यांचे–क्रांतिकारकांचे' अशा अुतरांनी आपल्या भुरग्यांल्या कर्तुबाची तोकणाय करतना आपलीय व्हडविक गावपी एखाद–दुसरी.

विडये धुंवरांतल्यान 'नाटक्यां' ली वाट पळवपी जाण्टेले. 'एकवटाचेर' अशें–तशें अुलवपी तन्नाटे. 'पळवयां मरे कितें तें तरी,' असल्या विचारांचे काय तटस्थ अुत्सुक. कांय जाण च्याच्या दुकानांत. कांय हांगा थंय.

एकूण, हेर दिसांपरस वेगळें वातावरण. नवाडयाक लेगीत नदरेंत भरपासारखें.

चार जावपाक कांय मिनिटां आसतनाच पैसल्यान बोवाळ आयकूंक येवपाक लागलो. लोकांनी कान लांबयले.

'नाटकी' बरेच वक्तशीर दिसताले.

– बुलंद आवाज झिंदाबाद, मुखेलमंत्री केणी मुर्दाबाद !

– जोर जुल्मके टक्करपे संघर्ष हमारा नारा है !

– लढेंगे, और भी लढेंगे, केणीको खींचकेही रहेंगे !

बोवाळ स्पष्ट आयकूंक येंवक लागलो. काय खिणांकच घोशणांनी ओतू आयिलो टॅम्पो देवळाकुशीक येवन थांबलो. घोशणाफलकांनी टॅम्पो धापून अुडयिल्लो. फुडेंच 'बुलंद आवाज एकवट' चो कापडी फलक. फलकार मदींच दुधारी तरवारीसारखो दिसपी पेनदांडो घेतिल्लो आनी वयर अुकलून धरिल्लो हात चितारिल्लो. ती त्या एकवटाची खूण आसये.

भोंवतणच्यो नदरो टॅम्पोंत रिगूंक पळयता आसतनाच टॅम्पोचें दार अुगडून भितल्लो एकेकटो वांगडी भायर सरूं लागलो. सगळेच तेवीस–चोवीस जाण आसले ते. म्हेळशी जीन पेंट, ताजेर भडक कुरते, फाफसल्ले अस्ताव्यस्त केस,

घामेल्लीं तोंडा असो तांचो अवतार. चलयोय तश्योच. बारीकसाणेन पळयलेबगर त्यो त्या एकवटाच्यो स्त्रीलिंगी वांगडी म्हण कळनाशिल्लें.

लोकांनी टॅम्पोभोंवतणें कोनाळें केलें. एकवटाचीं छापी पत्रकां तांच्या हातांत पडलीं.

देवळाकुशीचो शिमिटान बांदून काडिल्लो कळीचो जागो एकवटाच्या काय वांगड्याचे नदरेंत भल्लो. माची कशी आसा. बाकिच्यांकय तें खरें दिसलें. वेळ गेलो ना. रोकडोच एकटो 'माचे' र चडलो. खाकारलो. भाशणाक आरंभ जालो.

"आज आमी हांगा नमस्कार – त्रिमस्कार करून राजकारण्यांसारखे मतां जांव आनी कितेंय मागपाक आयले नात. आनी खरें तर हे नमस्कार – बिमस्कार म्हळ्यार आपलो स्वार्थ सादपाचें एक साधन. आमकां तें नाका. आज आमी, आमच्या राज्यांत आमचेर कसो अन्याय जाता, तें अुकतें करपाक हांगा आयल्यात. त्या अन्यायाआड झुजपाखातीर .."

"कोण रे तो थंय ? ती कळ म्हण कळना रे ?"

लोकांलें कोनाळें फोडीत देवळाचो एक म्हाजन फुडें सल्लो.

"तुमकां खेळ करपाचो आसा, खुशाल करात. शाबुद्द दवरून करात. तूं त्या शाणू नायकालो मरे ? गांवचो ! तरीय तुका हें कळीचें थळ म्हण कळ्ळें ना ? कळूं जाय आशिल्लें."

"पुरो रे, बेष्टोच कित्याक ताणशेता ? कळ्ळें म्हाका."

एकवटाचो वयर चडिल्लो वांगडी पाय आपटीत सकल देंवलो.

'स्ट्रेंज व्हिलेजर्स !' 'बॅकवर्ड !' 'अिडियट !' 'देवळां म्हळ्यार हांच्याच बापायली मिरास कशी...'

"xxx देवळाच्या म्हाजनांक शिकयली तशी बुद्ध शिकवपाक जाय चोरांक."

एकवटांतले ओठ पिटपिट्टाले. भोंवयो वाकडयो – तिकडयो जाल्यो. हड्डी आसुडिल्ल्यासारखीं लपलप हालूंक लागलीं.

कांय म्हाजनांक तीं अुतरां आयकून विंगळयांर फूक मारिल्ल्यासारखें जालें.

मुरगे ते ! कांय जाणांनी पोक्त विचार केलो. विंगळें रसरसून आयले नात.

तो तन्नाटो देंविल्लो तसोच पांय आपटीत टेंपोच्या टपार चडलो. ओठ चाबून ताणे आपल्या पॅन्टीच्या बॉलसांत भरल्ले हात चिड्डिले, बोल्सां तुटमेरेन आनी आपलें आरंभाकच तुटिल्लें भाशण ताणे फुडें आंबुडलें.

तो मंत्र्याल्या करप्शनाचेर खूब वेळ अुलयलो.

लोकांक करप्शन म्हळ्यार कितें तें कळ्ळेंच ना. पुण ब्लॅक करपी लोकांक शेकड्यांनी पोती शिमीट मेळटा. गरजवन्ताक मेळना. दीसाअुजवाडो खून जातात. आनी खुनी मनशांकच मंत्र्यांली राखण मेळटा. ह्यो अणभविल्ल्यो गजाली मात्र तांका कळळ्यो. दुसरो अुठलो. वयर चडलो.

"हो केणी मुखेलमंत्री, शिक्षणमंत्री न्ही. हो तुमचे आमचे गोमटेर बशिल्लो देंवचार..."

तो मुखेलमंत्र्याचेरच अुलयलो.

मुखेलमंत्री होच शिक्षणमंत्री. ताणे आपल्या चल्याक मेडिकलाक घालपाखातीर खूप यत्न केले. करचे न्ही तसले. परीक्षे पयलींच चल्याक प्रश्न पत्रिको मेळवन दिवपाचो यत्न केलो. चल्याक चडांतचड मार्क मेळपाखातीर हायर सेकंडरी बोर्डाकच आंपले चाकरेक लायलें पुण मागीर हें बेंड फुटलें.

लोकांक हें सगळें मात्शें – मात्शें आयकून खबर आशिल्लें.

तो शिरो ताणशीत देंवलो. दुसरो शिरो ताणपाखातीर वयर चडलो. हाताक प्लास्टर. हात गळ्यांकच. कपलाक कोंक.

तागेली अुलवपाची पद्धत आनी नेट तोकणाय करपासारखो.

"शिक्षणमंत्री आज कितें करता ? हें ... हें करता ! "

ताणे आपलो गळ्यांतलो हात लोकांमुकार नाचयलो.

"ज्या पिरोडेच्या लोकांनी ताका वेंचून दिल्लो त्याच लोकांक तागेलें बुरशें घाणकुटें रूप दाखवपाचें आमी थारायलें. आमचो स्ट्रीट प्लेचो टँपो होच तो –"

टँपोचो एकय आरसो जाग्यार नाशिल्लो. फुटून गेल्ले. जंय थंय चेपिल्लो टॅम्पो.

"–पिरोडेंची वाट चलपाक लागलो. रस्त्यार फातरांची रास. आमी थांबले. देंवले. अचकित आमचेर गुंडानी घुरी घातली. केणयान भाडयान हाडिल्ल्या गुंडानी आमचेर घुरी घातली. आमची ही अशी अवस्था केली. पळयात म्हाका. पळयात ताका."

ताजो हात बेंडेजांक गुटलायिल्ल्या वांगड्यांवटेन फिल्लो.

"आवयस ... च च ... च."

भोंवतण सुसकाल्ली, चुचकाल्ली.

आनी मागीर भाशणां सोंपलीं.

घुमटांर डफांर हात पडले. ढोलकीं वाजलीं. त्या तालार एकवटाचे तन्नाटे वांगडी मळणेच्या बैलांसारखे गोल गोल फिल्ले. फिरताफिरतां वाटकुळें कोनाळें करून बसले. स्ट्रीट प्लेक – रस्ता – नाटकाक आरंभ जालो.

शिक्षणमंत्र्यान आपल्या चल्याक मेडिकलाक कसो घुसयलो, 'बुलंद आवाज' कसो चिड्डिवपाचो यत्न केलो हें दाखवपाचो तांचो यत्न. सगळें सांकेतिक प्रायोगीक म्हण्टात तसले, तीनिवाटांनी लायिल्ल्या पडुद्याखाचींतल्यान तोंड घालून पळवपी लोकांचे साक्षीन चक्क रंगयिल्लीं मंवगा आशिल्लीं नाटकां. प्रोम्टिंग पयलीं आनी मागीर भाशण, आयकून सवय जाल्ले थंयचे लोक. तो स्ट्रीटप्ले तांचे तकलेवेल्यान वचूंक लागलो.

"रंग नाका, पुण तोंडा तरी नितळ आसूं जाय आशिल्लीं."

"धामेल्लीं रूपडीं, चिकलांत लोळयिल्ले कपडे, केसांक ना वास तेलाचो, सवगां एकेक."

"तातुंतले चले खंचे आनी चलयो खंयच्यो तें कळपाक मार्ग ना !"

"ते तसले घालचे परस, अुगडयोच कित्याक आयल्यो ना ह्यो चलयो ! लज म्हण कितेंय आसूं जाय ?"

"तें कितें म्हण कांयच कळना !"

प्रतिक्रियांचो खदळ वाडत गेलो.

आयसफ्रूटवाल्याकडेन परत गर्दी जाली.

हांडीवेल्या भुरग्यालें वजन बांयलांच्यानी स.सूं नज जाल्लें. रात्तीर दवरपाच्या आदनांची कांय जाणांक याद जाली.

हॉटेलांतली च्याचीं कपां हाल्लीं. विडयो धुंवरेल्यो.

"कितें रे, फिलोसो ?"

"मडें !"

फस्स करुन फस्काची काडी पेटली. विडयेचें पोंत जिगजिगलें. नाकाच्या धुराडयांतल्यान धुंवर भायर.

कुशिचो डोंबारी हें सगळें नियाळटालो. लोक तर घरा परतूंक लागले. आपल्या खेळाखातीर म्हण कोणय मुद्दाम रावतशे दिसना. आता कशें करप. ताणें आपल्या धाकट्ल्याक खांद्यार माल्लें. ताजी पावलां धाकल्या देवळावटेन पडूं लागलीं. फाटल्यान ताजी व्हडली चली. धा-बारा वर्सांची.

भोंवतणे फाफसल्या भुरग्यांली नदर त्या डोंबाऱ्याचेरच आशिल्ली आसये. तरंगाफाटल्यान भक्तांनी धावचें तशे ते डोंबाऱ्याफाटल्यान. डोंबारी आपल्याच चिंतनांक. एकवटाचो खेळ सोंपचें पयलें आपल्या खेळाक आरंभ कसो करप ? तांचो खेळ सोंपमेरेन रावप हें शाणेपण काय पिशेपण ?

एक विचाराक दुसरो विचार घुसरतालो. घुसपागोंदळ. तांतूंतल्यान एक विचार वयर आयलो. कोचपांतल्यान बिब्रोळी वयर सरची तसो आपले तयारेक आपणें लागचें. लोकांक थारावन दवरचें.

तो डोंबारी आपले तयारेक लागलो.

तांबडचा हळडुव्या आयसफ्रूटांची रूच चाखत नाकांतले सैंत भुऽर्रं करीत, कुल्यावेल्यान देंविल्लीं कालसारां वयर ओडीत अवतण भोंवतणचे भुरगे गर्रऽ करुन डोंबाऱ्या भोंवतणीं जमले.

डोंबाऱ्याली तयारी जायत आयिली. ताणें व्हडल्या आंगडींत नदर माल्ली. दोळचार हाताचो कोंदळो दवरून. बारीकसाण घेतली. रस्तो रिकामो. रस्त्यावेले नाटक सोंपलें तर ! ताका अुमेद आयली.

लोकांलो निरुत्साह. एकवटाक आपलें नाटक रोकडेंच सोपवचें पडिल्लें.

"रस्त्यावरचें नाटक सपलं का वो."

व्हडल्या आंगडितल्यान आयिल्ल्या एकल्याक डोंबाऱ्यालो प्रश्न.

"हय."

डोंबारी खूश. ताणें आपले घरकान्नीक खुणायलें. आपल्या दोनी धिपरांर हात तेकयत ती जडशी अुठली. ढोलकें घेवन आयली आनी परत तट्टटील्लें पोट सांबाळत धुसमटत बसली.

ढोलके वाजलें. डोंबाऱ्याल्या पोरान आडव्यो–तिडव्यो तकली सकल पांय वयर करून अुडयो माल्ल्यो. डोंबाऱ्यान आचकळ पाचकळ 'ज्योक' केले. भोंवतणची भुरगीं खूश. खो ऽ खो ऽ खी ऽ खी ऽ हांसो. नुस्त्याचो वाटो अुकलपाक आयिल्ले लोक थाल्ले. सहज.

–तेरा नाम क्या छोकरी ?

–हेमामालिनी !

–तो अब हमारा हेमामालिनी दोरीपे नाचेगी !

डोंबाऱ्याले पोर फुडें सल्लें. तिकटचावेल्यान सरसरीत वयर चडलें. हांसत हांसत. तागेल्या हातांत फक्त लांबशी बडी. पायांमुळांक जडशी तार.

–दुनियामें रहना है तो काम कर प्यारे

–देखो देखो देखो दिल्लीका कुतुबमीनार देखो !

एक हांगची, एक थंयचीं ओळ, हांसत मोडत चलप नुस्त्याची वासपूस सोडून बायलो पळेताल्यो. विडयेपोतेरावेल्या गोबरानळेकडेन दुर्लक्ष करून जाग्टले पळयताले. भुरग्यांलीं तोंडा अुगडींच आशिल्लीं.

अितल्यांत डोंबारणिल्या ढोलक्याक खोंट बसली. ढोलकें तडमडत पैस वचून पडलें. डोंबाऱ्याल्या शर्टाक पडिल्ले एकवटाच्या वांगडयांले हात डोंबाऱ्याक फाटीफुडें हालवंक लागले.

"आमचो स्ट्रीट प्ले चलतना खेळ करता घाटया ? "

जाप येवचे पैलेंच डोंबाऱ्यालें मुस्कट रंगलें. डोंबारी कळवळ्ळो.

तारेवेलें पोर थरथरलें. पडलें ! पडलें !! पडलें !!! लोकांलो कलकल. डोंबारणिली किळांटी. एकवटाच्या तन्नाटयांले हात निवले आसप्रे. ते फाफसले. टॅम्पो सुरू जालो.

डोंबाऱ्यालें पोर शाबुद्देर येयमेरेन पैस वचत चलिल्ल्या टॅंपोतली अुतरां. कानार पडत आशिल्लीं.

–'जोर जुल्मके टक्करपे संघर्ष, हमारा नारा है ! '

* * *

□ ६ □

आमकां जाय........

□ □ □

फाटल्या पंचवीस वर्सांमदी गोंयकार पयलेच फावट हें अणभवतालो. घरांतलो एक मनीस वास्को आडखळून पडिल्लो तर दुसरो सांग्यार तळमळटालो. घरचे मनीस हुसक्यान हुकमळटाले.

दिसान दीस एकेक नवी गजाल कानार पडटाली आनी गोंय काचाबूल जाल्लेबरी जातालें.

आज स दीस गोंय थंड पडिल्लें. येरादारी पूर्ण तुटल्ल्यान मडगांवची खबर कुसमणां पावना आशिल्ली आनी कुसमणची काणकोणा.

घोगळांत फायरींग जालें. एकटो मेलो.

डोंगरी लग्नाचे दिबण आडायिल्ल्यान कापाकापी जाली. दिबाणातले लोक बंदुको, सुरे घेवनच आयिल्ले स जाणांक कापले.

बाळ्ळीत एक जोडपें रस्त्यार उबें आशिल्लें. गुंडानी घोवाक येतीश्ट पेटलो आनी ते बायलेक घेवन नाऽच जाले.

काणकोणात दोन अडेच हजार लोक बाळ्ळीसान आयल्यात. किरिस्तावांक काबार करूंक.

आनी मागीर ह्या खबरांवेल्या प्रतिक्रियांक हुंवार येतालो. जण एकट्याली प्रतिक्रिया एकेक तरेची.

'अशेंच जांवक जाय आशिलें. त्याबगर सरकाराक खंय जाग येता' म्हुण

कांय जाणांक स्फुरण चडिल्लें.

अशें घडिल्ल्यान एक विशिश्ट समाज आनी ही चळवळ अुबारपी बदनाम जातले म्हुण कांय जाणांक एक सुप्त धादुसकाय मेळिल्ली.

कोंकणी चळवळीक तेंको दिवपी पुणून असो विध्वंस बरो न्ही म्हणपी मनातल्यान खंती जाले.

मदलंड लोक काचाबूल जाल्लो.

पुणून एक खरें, गांवभर आनी गोंयभर एक भिरांतेचे वातावरण निर्माण जाल्लें.

कोंकणी भाशेक न्याय मेळवन दिवपाच्या नांवान सुरू जाल्ली ही चळवळ आतां खंयचे खंय पाविल्ली. देसाय अुसळटात म्हुण रेंदेर पेटिल्ले आनी बामण देसायांय पालव दिनात म्हुण नायक खुमखुमताले.

मालशें गांव तशें माणकुलें. थंयच्या देवळाकडचो वाठार हें त्या गांवचें केंद्र. थंयच बाजार. बसस्टॉप. तीच लोकांली चकाटचो मारपाची बेसबरी सुवात.

वेळ सांजेचीच आसली. जंय थंय चोम्याचोम्यानी लोक एकठांय जावन अुलयताले. विशय एकूच. गोयांतल्यो घडणुको. पुणून त्या विशयाकडेन पळवपाच्यो नदरो मात्र विगड विगड.

गंगाधर पैन सायकल देवळाकुशीत अुबी केली. आनी ताणे नदर भोंवतणे भोंवडायली. आपणें हाडिल्ली खबर ताका कोणातरी जबाबदार मनशाल्या कानार घालूंक जाय आशिल्ली. प्रभाकर कामत दिश्टी पट्टरेच ताका सू जालें. गांवच्या राजकारणांमदीं वांटो घेवप्यामदीं प्रभाकरय येतालो.

"केपेंचें दत्तमंदिर जिलेटीन घालून फोडलें म्हुण कळ्ळां !"

गंगाधराली अुतरां आयकनाफुडें चोम्यांतल्या सगळयांतले स्वास अडकल्ल्यावरी जाले.

"आमकां कळनाफुडें दर एक देवळांत ही खबर पाववयां म्हुण आमी भायर सल्ले. दत्तमंदिराकडसान आरंब जाला. शेवट खंयय जांव येता. तुमी मात्शे शादूर रावात."

"आता खंय वता तर तूं ?" गंगाधराली ताकतिक पळवन एकल्यान विचाल्लें.

"फुडें पालयेंच्या देवळात कळयतां." गंगाधर पै आयिल्लो तसोच सायकलीचेर दांग अुडवन ताकतिकेन धांवलो.

खिणाभीतर ही खबर बाजारात पावली.

'केपेंचे दत्तमंदीर जिलेटीन घालून फोडले खंय. एक चिरो जाग्यार ना खंय.'

सांजवेळार देवळाकडेन आयिल्ल्या लोकांक एक नवो विशय मेळ्ळो.

– हांव जाणाच आशिल्लों, अशें कितेंय घडटलेंच म्हुण.

–हो तर आरंब जाला. अितल्यान काय जालें ना.

–आमगेलें थोडे कोंकणी म्हुण नाचताले न्ही. तांगेले दोळे अुगडूंक बरे.

–हांगा कोंकणी जाय म्हण्टा तूं ? हांका जाय पोर्तुगीजांक हाडूक. तांका भारतात रांवक नाका.

–पोर्तुगीजानी केल्लें तेच हे पोर्तुगीज धार्जिणे किरिस्तांव करतात. अराष्ट्रीय.

–ही अरेरावी खूब जाली. आतां आमी हिंदूनीच संघटीत जावन हांका बुद्द शिकवपाचो वेळ आयला.

जण एकटो आपलें अुतर ब्रम्हअुतर जाल्लेबशेन अुलयतालो. तातुंत गांवच्या आनी गोंयच्या राजकारणात राटिल्ले श्रीधर, प्रकाश आनी प्रभाकर हे आसले.

–आत्तां स-पांचांची न्यूज आयकून आयलां हांव तातुंत काय, कांय सांगले ना.

–असल्यो खबरो रेडियोचेर दितात ?

–गोंय अितले तेप थंड आसलें. नसतो खदळ करून घातलो हो.

–ह्या दिसांनी सांसव म्हणल्यार कासव जाता. परची गजाल–घोवाक बडवन बायलेक बळयां घेवन गेल्ली गजाल–खोटी खंय. हेय तसलें न्ही मरे.

–गंगाधर पडलो R. S. S वालो. हातुंतलें खरेपण कितलें म्हुण सांगप कुस्ताराचें.

–हूँ ! खरे–खोटें सारकें कळ्ळेबगर अुलवपी मनीस न्हय तो.

–अरे, पुणून केपे घडलें म्हुण हांगा घडलेंच कित्यावेल्यान ! आमकां अशें केन्ना जावन खबरच ना.

–घडटा ते घडचे वेळारच घडटा. तें सांगून जायना. आनी समजा आयचे राती तशेंच कितेंय घडलें जाल्यार ?

–घडना कित्याक म्हण्टा तू ? मॉब सायकोलॉजी नकळो तूं. 'फुलय तूं' म्हणपी एकटोच अुल्यार पुरो.

–घडू, घडनाका. आमकां शादूर रावंक कितें हरकत आसा ?

□

–हे आमगेले मनीस धडाचे न्हय. किरिस्तांवांलो आज ख्रिसमस. तांका मिसाक पलतडीन वचपाक मेळचे न्ही म्हुण तारयाक होडी बंद दवरूंक लायलां खंय थोडयांनी.

–हे सारके न्ही. तांगेली परब अिबाडून आमकां कितें फायदो ? आज आमगेल्या पसरकरांनी दुकानांय बंद दवल्ल्यांत. लायटय ना. तांगेली बुद्द धोपरांत म्हण्टाले आमी. तांच्याकय पाश्ट जाले.

–तारयाक होडें घालनाका म्हुण कोणे सांगलें खंय ?

–तो नांवां सांगना.

–तशें जाल्यार आज कांय सांगू जायना. कितेंय घडत. हे आता कोंकणी – मराठी झुज न्ही. हिन्दु – किरिस्तांवांलेंच झुज जालां.

□

– केपें देऊळ फोडलें म्हुण हे हांगा बोवाळटात. आमगेली होडी बंद केल्ली कोण चोयना. लायट अुडयिल्ली कोण चोयना. शापांय बंद दवल्ल्यांत. हे एक नेणार म्हुण आमीय नेणार म्हुण समजतात काय कितें हे कोंकणे ? आमी हेंगेले देऊळ फोडटात ? अितले तेप कित्याक फोडलें ना तोर ?

– आज देवळांत येवन न्हिदतले दिसता ते देऊळ राकूंक.

– आमचो अिन्सल्ट मरे हो. आनी देऊळ राकूंक आयल्यार खरेंच फोडचें हां.

– कितेंय अुलयनाका रे. आमकां रावूं जाय मरे गावांत ? तूं चार दीस रावतलो आनी वतलो कुयटाक.

– आमचेर बोगंलाट मात्र हाडत. मागीर चोय आमी...

□

बाजारांत जमिल्ल्या बुंदवंतांमदी आनी जाण्टयांमदी बरो वेळ खल जालो. काय जाणांनी देवळाच्या कोमिसांवांच्या अध्यक्ष, अुपाध्यक्षांकय आपवन हाडले. फुडें कितें करचें हो प्रस्न सगल्यामुकारच आशिल्लो. सगळयांनी मेळून निमणे एक थारायलें, गांवकाऱ्यांनी घाळ रावचें न्हय. देऊळ राखचे पासत प्रत्येक वाडयावेल्या धा बारा जाणांनी देवळांत येवन रात जागवची.

□

त्या दीस देवळाकडल्यान घरा परततना प्रकाश आनी प्रभाकरावांगडा वाडयावेले हेर खूब जाण आसले. देवळाच्या राखणेचोच विशय जण एकल्याल्या तोंडांत आसलो.

"राखणेक वचूंक कांयच हरकत ना. पुणून दुसरे दीस मात्र तुमी म्हाजन देवळाचे ? तुमी कित्याक येंवक जाय आशिल्ले ? अशें जाल्यार बेजार" प्रभाकर.

"तुका याद आसा तर तीं. देवळाचे गांवपणात देवाल्या वस्तींच्या प्रस्नार खडाजंगी जाली आनी मदीं अुलयतरेच, तुमकां कांय अुलवपाचो अधिकार ना.

आमी देवळाचे म्हाजन आमचे आमी पळवन घेत म्हुण आमची तोंडा बंद केल्ली. देऊळ जर फक्त वारकांले आनी गांवकांरांले जाल्यार आमकां मदीं मेतेर जांवक कित्याक जाय ?"–प्रकाश.

"न्ही, देवळाची राखण जावंक जायच. समजा आमी राखणेक गेले समजा अशें तशें कितें जालें...आमी वायटच पयली चिंतूंक जाय. मागीर ताणी म्हुणु नाका, ह्या देसायां लागून अशें जालें म्हुण. त्यावेळा आमी कामत लेगीत बामण हें ते विसरले... पयलीं अशें जाला म्हुण सागतां" प्रभाकरान आपलो विचार सादेपणान अुलवन दाखयिल्ल्यासारको अुक्तायलो.

देवळाकडसून प्रभाकराल्या घरा लागी येता मेरेन ही चर्चा चलत रावली. घरालागी पावतेरच काय वेळ ते थंयच अुबे रावन अुलयीत रावले.

"म्हजेंय मत तेंच. जांकां वचपाचें आसा ,ते वचूं. अमक्यान सांगिल्ल्यान आपुण गेलों अशें नाका. म्हजे बाबतींत सांगतलो जाल्यार हांव वच्चो ना. तांगेलें ते पळवन घेत" प्रकाश.

भौतेकांक प्रकाश, प्रभाकरान सांगिल्लें पटलें ना. थोडेशें पटिल्लेंय बी. पुणून हय–न्हयहय–न्हय च्या गोंदळांतच भौतेक वाडेकार फाफसले.

□

वाजंत्र्यांवाड्यावेले धा–बारा जाण्टेले दिना वाजंत्र्यागेर आंगणांक एकठांय जाल्ले. दिना तांगेलो बुदवंत. आतांचे तरणाटे ताका बुदवंत म्हुण लेखना जाले तरी आपलो नेट तो राकून आशिल्लो.

"आज या मरे देवळाकडेन, देऊळ राखूंक." न्हंयच्या आलतडच्या देगेर आशिल्ल्यान पलतडच्या देगेवेल्याकडेन अुलवच्चें तसो दिना अुलयलो. आड्डूनसो. ताची संवयच ती. अुलवपच तशें.

"हय, वच्चें पडलें ना. लोकांचेर कसलो संवार आयला हो !"

"केन्नाय पळयलें नाशिलें तसलें पळवचें पडलें."

"तुमी कोंकणी–मराठी करून मरा आसले. देवळां कित्याक तुमकां ?"

"ते मारू रे. देवळांत वजपाचें अुलयात."

दिना घेंगसो घातिल्ल्यावरी अुलयलो. सगळे थंड.

"कितल्यांक सुमार या ?"

"आता आमी वचून कितें करतले थंय. मुरग्यांक धाडल्यार जालें."

"मुरगीं आयकता आतां आमगेलें ?".

"तुमी तरी कितें सांगतले तांका ?"

अत्ताच केसांर, पातळ धवसाण चडूं लागिल्ल्या श्रीधरान तोंड घातलें.

" ज्या देवळांतल्या चौकार बसपाक आमका–आमच्या बायलांक मेकळीक ना, तें देवूळ राकपाक वचा म्हुण ?"

सगल्यांमुकारच प्रस्नचिन्हां अुबीं रावलीं. कांय वेळ कोणच कांय अुलयलो ना.

श्रीधरच फुडे अुलयलो. आवाजांतली अुतरांतली तिडक दिश्टी पडटाली.

" अितलो तेप ज्या देवळाचे वाजत्री म्हुण तुमी घोळ्ळे, फाटल्या पिळग्यांनी ह्या देवाची वाजंत्री म्हण सेवा केली. पुणून देवान आमकां कितें दिलां ? वेंतभर शेताकुडको. आनी कितें दिलां ? ह्या देवाचे सेवक आमी आनी आमकां चौकार बसपाचो हक्क ना. देवूळ आसत बामणालें. आमी चौकार बसल्यार हांगेलो देव बाट्टा ?"

श्रीधर कांयवेळ जाण्टेल्यांच्या प्रतिक्रीयेची वाट पळयत रावलो. कोणूच कांय अुलयलो ना.

" आता हांका आमी जाय देऊळ राकूंक. हरशी मात आमी कोण न्ही."

श्रीधराली नदर दिनाचेर थीर जाली.

" न्हीं आनीक. आमी आतां धरून घेवन बसनात म्हुण सांग तूं."

" चाकरेक आमी. स्रेय तांकां."

" राखूंक वतले आमी आनी म्हण्टले मात देऊळ आपणे राखलें म्हुण."

श्रीधराक वातावरणाचो अदमास मेळ्ळो.

"आमच्या भुरग्यांक आमी कितें म्हुण सांगतले ?"

तागेलो आवाज आता देंविल्लो. समजावणे सुरांत तो अुलयतालो.

" तुमकां पटता जाल्यार पळयात. आमी हांतूत मदीं पडचें नाकां. कोण वचपाचे आशिल्ले चे वचूं. आमी कोणाक वचा म्हुण फोर्स करचो नाका. कोणाक वच म्हळे कोणाक वच नाका म्हळें तें आनी आमकां नाका. जण एकटो आपल्याक जाय तें करूं."

□

गांवांत णव वाडे आसूनय त्या राती देवळांत मेजून पंधरा जाण आयिल्ले. देवळाच्या राखणेक. तांतुंतले कांय जाण म्हाजनाले भुरगे दोन–तीन वाजंत्र्यांवाडचावेले तरनाटे. दोग जाण कामती वाड्यावेले आनी अुरिल्ले ते हेर वाडचावेले.

□

दुसरे दीस च्या पिवचेपयलींच देवळाचे खबरेक आयिल्ल्या चार·पांच

जाणामदीं श्रीधर, प्रकाश, प्रभाकरबाब हेय आसले.

देऊळ पयल्या दिसावरीच थंड अुबें आसलें.

त्या चारपांच जाणांनी देवळाच्या चारीवाटांनी भोंवन देवळाच्या नळयाचो कपचो तरी गेला काय कितें हाजो शोध घेतलो. पुणून तसलें कांयच नासलें. तांचे दोळे ' मॅग्नीफायिंग ग्लास ' जावन शोध घेत रावले. तांच्या तोंडावेली अुर्बा देंवत गेली. भांडवल बुडिल्ल्याचें दुख्ख तांच्या चेऱ्यार पातळपाक लागलें.

●●●

□ ७ □

वळख

□ □ □

"पांच – पांच रुपय कॉंट्रिब्यूशन म्हळ्यार चड जालें ना ?"

"प्रिन्सिपॉलाखातीर म्हुण दिवपाचे ! आनी कोणाखातीरय जाल्यार कोण दिता आशिल्लो ?"

"पुण तरीय चडच ते !"

"प्रेझेंट एकट्या प्रिन्सिपॉलाकच खंय !"

"तुका कितें दिसले ? सगळ्यांक दित्तचीं ? खुटो !"

"तशें न्ही रे. पुण ताका कितें दिसतलें ?"

"ती कितें देवळांतली पंचखाद्य रे ?"

"पुण ही पद्धत न्ही !"

"तूं सांग म्हरे, जी. एसाक.'

"झक मारनात ! म्हाका कित्या पडलां ?"

"मागीर अुलयता कित्या ?"

कॉलेज कँटिनातलें एक मेज. बाकिच्या मेजांसारकेंच. च्याचीं कपां केन्नाच रिकामी जाल्लीं आसतात. आतां तांचो अुपेग ॲश–ट्रे बशेन जाता. धुंवराची नळी सोडलेबगर कोणालेंच अुतर भायर पडना. आनी जांचे पड्टा तांका थंय कोण खायना.

□

"कितें सांगता गो तूं ? तो सामको लोफरसो दिसता ! "

"तेंच सांगतां न्हिगो हांव ! प्रिन्सिपॉल पाटील म्हळचार देवमनीस ! पुण चलो पळय. पिसो म्हळचार पिसो न्ही, शाणो म्हळचार शाणो न्ही. बापुय आनी चलो अुलपनात खंय एकमेकांकडेन. सगल्या व्यसनान संपन्न खंय हो. चलीय तशीच खंय. कोणाबरोबरय फिरप, कितेंय करय. "

शिगरां तोपत वतात. पत्रावळ वाडत वता. तो खंय आसता, हांगा आत्रयक मेळपाक येवून लेगीत बापायचे कडेन पटना म्हण हॉटेलांत कसो रावता, ही ताजी खबर आपल्याक कशी कळ्ळी, हे सगलें ल्हवू आवाजांत एकलेल्या ओठांतल्यान तीन–चार चलयांच्या कानांत पावता. नागडचा–अुगडचा चित्राकडेन पळयिल्ल्यासारकें, मानो फिरयनासतना नदर घुंवडवप चल्लां.

"काकुळट गो त्या देवमनशाची. बरें केलें म्हण बरें मेळ्टा ? "

"बऱ्या बऱ्या मनशांच्या बाबतींत अशें कित्याक घडटा, देव जाणां ! "

"पाटलालीं भुरगीं आनी बायल कितलीं सुखी आसतलीं काय, अशें दिसतालें म्हाका ! "

कॉलेजींतल्यो चलयो, जांव नुस्तें विकपी गाबतिण्यो, अुलोवपाची तरा एकसारखीच कशी ?

बायलो त्यो बायलोच !

□

"नॉर्थ –साध्थ पोल एककडेन आयले म्हरे ! खंय पळयता ? लायब्रीकडेन."

"तें सुचेता ताज्याफाटल्यान कित्याक पडलां म्हण कळना तें तर मंगळसूत्र–होल्डर."

"लग्न जाल्ले चलयेन कोणाक भुलचें न्ही म्हण आसा ? तांकांच चड खाज ! "

"तशें न्ही रे. पुण सरदेसाय म्हळचार सामको नांवाजिल्लो प्राणी. तागेलें तें वर्सासनाचेंच. गेल्या वर्साक तें, ह्या वर्साक हें, फुडलें वर्स आनी कोणय. सगलें खबर आसूनय – "

"व्हाइस प्रिन्सिपॉल ! तांतुंक युनिव्हर्सिटीक मॉडरेटर. पाचांचे पंचवीस केल्यार पुरो. हात लायलो म्हण कुडको थोडोच काडलो ! "

एक व्हडलो हांसो, चडगेर बंद पडिल्ले मोटारसायकल सारको एकदम बंद पडटा. भितर सरत्या नागप्पासराचेर तांची नदर पडटा. दोन बोटांतली शिगारां अुरिल्ल्या तीन बोटां फाटल्यान लिपतात. 'हात लायलो म्हुण कुडको

थोडोच काडटलो ' चे चित्र दोळयामुकार येवन हांसो भितल्ल्याभितर खतखत्ता. फोडणीफातर अुडवन वेल्यान मांड धापिल्ल्या, हुमणःबशेन.

□

"प्रिन्सपॉलच रेक्टर जाल्ल्यान बरी मजा माल्ली तुमी. नशीब तुमचें !"

"मजा माल्ली अशें न्ही. पुण हॉस्टेल म्हळ्यार घर कशें दिसलें. आमकां ताप आयल्यार प्रिन्सिपॉलाच्या चुलीर पेज शिजताली. तागेर विनायकी आसल्यार लाडू आनी पंचखाद्य आमच्या टेबलार."

"मजा माल्ली ना म्हणू नाका रे तूं. तूं वचनासिल्लो आसये, पुण थेटरांक सदांच निमण्या खेळाक एक दोन हॉस्टेलातले भुरगे आसतालेच."

"आमी कितें ताका फटोवन वताले तर ? ताका सांगूनच वेताले. केन्ना केन्ना गर्लस हॉस्टेलांतल्यो चलयो लेगीत वेताल्यो. ताकाच सांगून."

"तेंच रे, तुमकां घरा वचूंक लेगीत जीवार येतालें खंय."

'नशीब तुमचें' म्हण्टल्यालेंय नशीबच. ताणें काडिल्ल्या दुसऱ्या तिकिटार बसपी 'तें' य हॉस्टेलांतलेंच. काळखांत थेटरांत भितर दबकतना कांय फावट आपटल्ले पांय हॉस्टेलांतल्या भुरग्यांले आशिल्ल्यान, ताका 'घरा वचूंकय तांच्या जीवार येतालें' चो शोध लागलो आसये.

□

"पयल्या सेमिस्टरक कसो पास जालो तर हांव ?"

"पुण सुपरवायझराक कॉपी दाखवन ताका कॉपी करूं काय म्हण विचारप म्हळ्यार ?"

"मनीस पळवन विचारूंक जाय. तूं त्या सरदेसायाक विचारशीत ?"

तो दुसऱ्याची फकाणा करता. दुसऱ्याक, भरिल्ल्या पोटार हात फिरायत अुठल्लिया मनशाक पळवन धेकर दिल्ल्यासारकें दिसता. पुण ताका दिसता: तो लेगीत आपल्या जाग्यार आसल्यार ताजी तीच गत जाता आशिल्ली.

"तशें विचाल्ले म्हण कोणच हयकार दिनात. पुण कांय जाणांच्या न्हयकारांकय 'आपल्याक त्रासांत घालनासतना कितेंय करता जाल्यार कर' अशें आसता. हांवे सरळ प्रिन्सिपॉलाक विचाल्लें. तो कांयच अुलयलो ना. म्हजे बाजून फाट करून रावलो. आनी कितें जाय ? तूं फुकटचो त्रासांत पडलो."

"कॉपी केल्यार तरी धल्ल्यार हरकत नाशिल्ली, खिशांतच आशिल्ली. भायर लेगीत काडली नाशिल्ली."

" पुण तशे धरूंक जायना ! "

" तेंच सांगलें हांवे प्रिन्सिपॉलाक, पेपर पळय म्हळें. तो आयकूंकच तयार ना जालो."

चीफ कंडक्टरानच घट्ट धरल्यार तो कितें करतलो ? "

" म्हजो प्रश्न तो न्ही, ताणें म्हाका अितलें मायर अुडयिल्यासारकें करूं नजो आशिल्लें, निदान म्हजें आयकून तरी घेवपाचें. "

" जाल्लें तें सोड, हे परीक्षेक तरी शाट्टूर राव. आनी दुसरें म्हळचार, ताजो तुजेर अितलो राग आसल्यार तो तुका रस्टिकेट करूं शकतालो फक्त पयल्या सेमिस्टराच्या तीन पेपरांर सुटलो हें व्हडलें समज. "

पुण हो अुपदेश आयक्तल्याक पटना. आपलें आयकून घेना आसतना आपल्याक ख्यास्त दिवप हो खंचो न्याय ? आनी ह्या प्रश्नाक दुसऱ्याकडेन अुतर ना पुण तरीय पयल्यान प्रिन्सिपॉलासारक्या मनशाक दूशण दिवप हें ताका पिशेपण दिसता.

❑

" तो कांयच आयकूंक तयार ना. "

" दोळ्यांत दुकां हाडून सांगू जाय आशिल्लें. "

" आतां खरींच दोळ्यांत दुकां येवपाची पाळी आयली. ह्या वर्साक हांव B. ED. जायना जाल्यार म्हजी नोकरी वता. "

" म्हण्टा तरी कितें ? "

" हांव शाळा शिकवन B. ED. करतां हें आपणाक पयलें खबरच नाशिल्लें म्हण्टा. "

" पुण तशें करपी न्ही म्हरे तो. तुवें ताका पयलीं सांगपाचें. "

आरे, ॲडमिशन घेतनाच हांवे ताका म्हजी अडचण सांगिल्ली. तेन्ना तोच अुरफाटें म्हाका म्हणू लागलो, शक्य जाल्यार तशें शिकचेंत्र म्हण. आनी आता कानार हात घेता. "

" तूं सरदेसायाक किल्या मेळना ? ताणे मनार घेतल्यार एखादे जायत तुगेलें काम. त्या मुडगेकराली गजाल जाणां म्हरे तूं ? तो अनाथ आसूनय ताका फ्री-शिप मेळ्ळी ना. ताणें तें प्रिन्सिपॉलाल्या कानार घातलें खंय. पुण नोटिस-बोर्डार पडिल्लीं नांवां बदलावपाक प्रिन्सिपॉलान आपली असमर्थताय परगटायली आनी नावां वाडवप शक्य नाशिल्लें. पुण प्रिन्सिपॉल ताका स्वता आपुण फ्री-शिपी अितले पैशे दिवपाक तयार जाल्लो खंय. पुण ताणे ते घेतले ना. आनी जेन्ना हें सरदेसायाक कळ्ळें तेन्ना ताणे ते प्रकरण सोसायटीकडेन व्हरून एक नांव वाडवन

हाडलें. तूं मेळ रे सरदेसायाक. "

" ताका मेळ्ळों रे हांव. पुण तो प्रत्यक्ष कांयच करूं शकना. ताज्या हातांत कितेंय आसल्यार हांव कित्याक भिता आशिल्लों ? " – तो बरोच भियेला. वदोळसान तो हांगा बसला. शिगारांचो गोबर करीत. पुण त्या गोबरांतल्यान जांव धुंवरांतल्यान ताका आपली वाट दिसना. अुरफाटी तिडक मात्र येता. म्हण परत धुंवर परत गोबर. 'काकुळट बापड्याची' अशें म्हणपी कांय नदरो ताका घोमशितात. त्यो ताका दिसतात तो हातांतले शिगाराचें पोंतेर पायांमुळांक चिड्डिता. आपल्या हातांच्या तिकटचार खाडकी तेकवन बसता, भोंवयो वयर करून 'किते करचें' हे नजरेन फुडल्याक पळयित.

□

" दुभाषी आनि थॉमस म्हगो ? जाणां ते हांव ! "

" पुण निमाणें दिसा तरी, प्रिन्सिपॉल तांका फॉर्म भरपाक दितलोशें दिशिल्लें."

" हांव तेंच म्हण्टा ! "

" शाळा शिकयतनाच B. ED. करपी कॉलेजींक कोण आसात, अशें विचारपी पत्रक युनिव्हर्सिटीकडसून आयलां खंय. मागीर तो बाबडो प्रिन्सिपॉल तरी कितें करतलो ? "

" कोणच ना म्हण कळवचें ! तांका कितें खबर ! "

" त्याबगर वगीच पत्रक येता ? कोंणेंतरी युनिव्हर्सिटीक कम्प्लेन केलां जावये."

" प्रिन्सिपॉल पाटील लेगीत तशेंच म्हण्टां खंय. अितल्या वर्सांच्या आपल्या कॅरिअरीचेर एक लेगीत वायट रिमार्क नासतना आतात्र आपणें तसो तो कित्या घेवचो ? "

" चड बुदवंत हे. "

खरें तर तांका (दुभाषी आनी थॉमस हांका) बुदवंत म्हणपी चलयेक लेगीत तांकां परिक्षेक बसपाक मेळचें अशें दिसता. निदान दुभाषीक तरी, दुभाषीबद्दल आपल्याक अितलें कित्याक ? तें तिकाच कळना. पुण तिका दिसता, प्रिन्सिपॉला-सारको मनीस जाका मौतेकांनी टेवमनीस अशी पदवी दिल्या–तो जंय तांगेले बाजून ना थंय तेच बुदवंत आसपाक फावो. पुण तरी तिच्या मनांक, माथ्यांतल्या क्षुयेसारखो, दुभाषी अुळअुळत रावता.

□

घांट वाजता. आज पयलेंच लेक्चर प्रिन्सिपॉलालें आसता. 'ढुम्म' जातरेच

शेवण्यांनी आपलो जागो सोडचो, तशें कँटिनातल्या तन्नाटे चले-चलयो आपले जागे सोडटात. कँटिन रिकामें जाता. पाना झडून गेल्ल्या झाडाचेर लेगीत एक-दोन पानां दिसचीं तशें हांगाय दोन तन्नाटे आपलो जागो सोडनास्तना बसून आसतात. एक दुभाषी आनी दुसरो प्रिन्सिपॉलाचो चलो.

□

"तो अशें कितें अुलयित अशें कोणाकूच दिसूं नाशिल्लें."

"तो अुलवपाक अुबो रावतरेच म्हाका दिसलें, हो परीक्षेक बसपाक मेळचेखातीर दोळचांक दुकां हाडून पाटलाल्या काळजाक हात घालतलो. पुण सगळें वेगळेंच !"

"जीएसान तरी ताका वेळारच आडावचो न्हीं ?"

"तो दुभाषालें भाशण आयकतलो काय कॉलेजक्वीन मेरीच्या दोळचांकडेन खेळतलो ?"

"ह्या फडक्याक तर, अितलो हो झडमडो कसो आयलो ? दुभाषी कितें अुलयलो ? कांयच खबर ना. कोणाकडेन पळयित बशिल्लो देव जाणा !"

"ना रे, दुमाषाल्या नंबरार म्हजे भाशण आशिल्लें. मदीं हो गेलो. मेळिल्ल्या त्या वेळांत एक फावट परत भाषण वाचचें म्हण वाचतालो. दोन दीस लागून तयार केल्लें. वाट लायली त्या दुमाषान."

"कितें जांव, दुभाषी धाडशी रे बाबा ?"

"मडें धाडशी ! असो तसो जीव वतालोच, घेतली अुज्यांत अुडी."

"दुभाषाली 'अुज्यांतली अुडी' बऱ्याच जाणांक 'तशीच' दिसता. 'सारकें अुलयलो !' 'रायट !' 'न्ही आनिक' 'तर काय !' 'सम्म अुलयलो' जण एकान सर्टिफाय केल्ल्यो, एकाच सर्टिफिकेटाच्यो चार-पांच ट्रू कॉपीज.

□

"तूं तुजें कितें आशिल्लें सांग आशिल्लो, म्हजें नांव कित्याक रे मदीं ?"

"हांव तैंच म्हण्टा. म्हाका फ्री-शिप मेळूं. तें हाका कोणे अुलय म्हणिल्लें ?"

"आतां प्रिन्सिपॉलाक कितें दिसतलें ? म्हाका कॉपी करपाक दिल्ली गजाल, भात वाऱ्याक लायिल्ल्यासारखी हांवें सगळ्यांक सांगली म्हण. दुसरे फावट तो म्हाका तशी संध दिता ?"

"पुण तुवें ताजो वचपो तरी काडलो. म्हाका मार्क मेळ्ळो ना तो. फाटल्यान अुल्लों हांव !"

"एकच मूठ दिली नाकाबराबर ! तो सरदेसाय मदीं पडलो, ना जाल्यार कुंडो काडटा आशिल्लों."

"त्या होस्टेलायटांनी बरो प्रसाद दिलो ताका !"

–दुभाषाक मारूंक मेळू नाशिल्ल्यान, दसऱ्याचे तरंग माथ्यार (नाभिकार) घेवपाक चुकिल्ल्यासारखें दिसपी बरेच जाण थंय आसतात तांतुतले काय जाग विद्यार्थी संघटनेचे तशेंच सत्ताधारी पक्षाच्या युवक फाटयाचे आसतात. तांका तशें सांगपाक लज दिसता.

□

"कितें मारप म्हण ! नाकांतल्यान झरांव फुटिल्ल्यासारकें रक्त भसभसालें '

"काकुळट गो दुभाषाची !"

"काकुळट कसली ? अुलयतना कळ्ळें ना ?" (काय बऱ्या साडयेर रक्ताचे डाग पडले. लाँड्रीक दिल्यार तरी वचत काय ?)

"तुमी सगळयांनी म्हाका देवमनीस केलो. दुभाषान म्हाका हांव मनीसच हाजी जाणविकाय दिली आनी कोणी अितले लायट्ली घेत आशिल्लो ? खरेंच, असलो मनीस सोदून सापडचो ना."

"दुभाषी प्रिन्सिपॉलाच्या आड अितलें अुलयलो, पुण प्रिन्सिपॉल ताजे आड एक अुतर अुलयला जाल्यार पळय."

"दुभाषाक कळल्यार तोंडार मारिल्ल्यासारखें जांवक बरें."

–कांय अुतरां व्हांवतात. कांय निसरून पडटात. कांय भावनावश. कांय अुतरां खरें कितें खोटें कितें ह्याच विचारांत मोनी जाल्यात.

□

प्रिन्सिपॉलाक 'मोगाळ भेट' दिवपाचो दबाजो 'कसोतरी' जाला. सभाघराच्या भायर–कॉलेजी भोंवतणे, ल्हान–व्हड पंगड दिसतात. पंगडांचे रूप वेगवेगळें आसलें तरी प्रत्येक पंगडांत अुलवप एकच विशयाचेर चल्लां. दुभाषालें भाशण.

□

" मिस्टेक केली तुवे. म्हाका सांगोचे तोरी."

"तरीय तू मिस्टेक केली म्हण्टा, थॉमस ?"

" वोय, आरे आजून युनिव्हर्सिटींक फॉर्म खंय धाडल्या ? घडये आज फाल्यांमेरेन फॉर्म दियेत आशिलो तो आमकां. तूं पडलो तो पडलोच. दुभाषी म्हाकाय अुडयलो तुवे तरासांक."

–दोरयेक बांदून नेटान गोलगोल घुवंडयिल्यासारकें ताका जाता. थॉमस तरी आपलेवटेन भासतलो अशें ताका दिसतालें. सरदेसायना 'ड्रॅग हिम आव्ट' म्हणिल्लें अजुनय ताज्या तकलेंतकच आसा. तोच एक मनीस. ताकाय तें रूचलें ना?

चपलांची माळ ! हांवे म्हणू न्हजो आशिल्लें ? पुण ताणे म्हाका दोतोरागेर व्हेलोच ! ताचे विचार मल्लखांबाचेर पयलेच फावट चडपी भुरग्यासारके वयर चडटा चडटांच सकल देंवतात.

"पुण जालें तरी कितें ?"

"ना रे, हांव खंय आयिल्लों काल ?"

"पांच–स जाणांली भाषणां जातरेच मदींच दुभाषी अुठून प्लॅटफॉर्मीर गेलो. ताणे तशें अुलवपाखातीर नावबिव कांय दिलें नाशिल्लें खंय. पयलीं थंडसाणेन, बाकीचे अुलयिल्ले तशेंच अुलयलो आनी त्याच थंड आवाजांत तो, प्रिन्सिपॉलाचेर एकेक आरोप करीत गेलो.

आपणें, प्रिन्सिपॉलाक, आपुण शाळा शिकवन B. Ed. करतलों हाजी जाणविकाय पयलींच दिल्ली आनी ताणीं त्या वेळार आपल्याक, तशें करपाक कांय एक आडमेळे येवचे ना अशे अुतर दिल्लें. आज ते आपलें अुतर कित्याक पाळनात ? असो सरळ प्रश्न ताणे केलो.

"गावसाक कॉपी करपाक मदत केल्ल्या प्रिन्सिपॉलांक म्हजो सरळ सवाल आसा, शंकरप्पान कॉपी केली ना हें खबर आसुनय ते त्यावेळा शंकरप्पाच्या फाटल्यान कित्याक रावले ना ? हो खंचो न्याय ?"

ह्या शब्दांत ताणे दुमरो आरोप केलो.

हें अितलेंच करून थांबल्यार एक वेगळी गजाल आशिल्ली. म्हणू लागलो,

"हाजें प्रिन्सिपॉलान स्पष्टीकरण करचे ना जाल्यार म्हज्या चपलांचे माळेचो स्वीकार करचो."

सरदेसाय सामको रागान तांबडो जालो. ताणे ताका प्लॅटफोर्मावेलो धुकल्लो.

"ड्रॅग हिम आव्ट."

सरदेसायांचीं अुतरां लेगीत थरथरतालीं. आनी कशें कोण जाणां, अितले थंड आशिल्ले भुरगे दुभाषाच्या आंगार धांवले. बरो मार पडलो ताका. पुण रोकडोच सरदेसायानच सोडयलो ताका. ताणे डॉक्टराकडेन लेगीत व्हरून हाडला खंय ताका. विचित्रच न्ही सरदेसाय ?

शिगरावेलो गोबोर रिकाम्या कपांनी पडटा. शिगारां ओठांक जिगजिगतात. तोंडा धुंवरलेली. भात्याक फूक घालतना फुगिल्ल्यासारक्या गालांतल्यान पेंवपाक अुडी मारिल्ल्यासारको धुंवर भायर पडटा. नव्यानव सगलो गजाल कळिल्ले आपले मत मांडचे पयलीं भोंवयो वयर करून खीणभर विचार करतात.

□

"मुद्दाम तुका मेळपाक आयला हांव."

"सगळे म्हजे कडसान पैस वतात आनी तूं म्हाका मेळपाक आयला ?"

" खरें तर हांव म्हजेकडसानच पैस वचपाक म्हण तुजेकडेन आयलां. म्हाका आज म्हजीच लज दिसली. तुजेबद्दल मत्सर जालो. जें हांवें करपाचे तें केले. भिजूडाक भिजूड म्हणपाक म्हाका धीर जालो ना. आनी आज म्हणूनच म्हजे मन म्हाका भिजूड म्हणटा. ते राती हांव प्रिन्सिपॉलाकडेन गेल्लों. तो म्हाका म्हणू लागलो, तुजें सगळें खरें, पुण तशें केल्यार हांवे कॉपी करपाक प्रोत्साहन दिल्ल्यासारखे जातलें. थूऽऽ भिजूड.'

दुभाषाल्या आडव्यातिडव्या निसरड्या विचारांक, शंकरय्याल्या अुतरांनी एक दिशा. लोहचुंबकाम्हऱ्यांतल्या लोखंडाच्या कीसासारखी. रुंवाभायल्यान खरपितरेच मेळिल्ल्या समाधानासारकें समाधान. रुंवाची जाणविकाय आसाच. जीवंत.

" हांगा यो."

" किते ?"

" तुजेकडेन म्हाका अुलवचें आसा. तूं म्हाका वळखलो ?"

" ना."

" पुण हांव तुका वळखतां. एखादे तूं वसाड मारतना दर्यांक व्हडें घालपी खापो झुजारी आसत. पुण लोक तुका पिसो म्हणटात. म्हजेबशेन तुजी बंदखण कालसानच सुरू जाल्या. आनी बंदखणेत रावनय बंदखण दिसची न्हय म्हण तूं हांगा आयला."

" हांव तुका वळखलो."

" तूं एक काणी जाणा आसतलो. बापूय नाशिल्ल्या–आवय आशिल्ल्या पोराची. पोराक सुळार दिवचे वेळार पोरान आवयच्या कानाचो कुडको काडलो. लोक आवयची काकुळट करू लागले. पोरान सांगलें, आवय म्हजी आवयच आसली, शिपाय नासली. लोकानी पोराक देंवयलो, आवयक चडयली. त्याच पोराचो पुनर्जल्म जाला. म्हज्या जीणेच्या काणेक. म्हज्या काणेक पोराक मेळ्ळया जल्माची बंदखण. बंदखणीचे फातर हाडले पोरान, घडले शिपायपण नाशिल्ल्या शिपायान. पुण लोक म्हण्टा, शिपाय बंदखण घडयना, बंदखण मोड्टा. शिपाया कडसून घडिल्ली बंदखण आपल्या कडसान मोडना, म्हण पोरान म्हळें घुस्मट्टा लेगीत बांदजी बंदखण. तो ती अजुनय बांदता. लोक ताका हांसतात. पिसो म्हण्टात. तूं म्हाका वळखलो ?"

" ना "

" बरोबर आसा, स्वताक वळख पटलेबगर खरी वळख जायना."

– 'सन्मान' बार एकटो दुसऱ्याक खुणायता, 'तो, कालचो दुभाषी आनी तो दुसरो, पाटलालो–प्रिन्सिपॉल पाटलालो चलो.

* * *

□ ८ □

माती

□ □ □

हांव मूर्तिकार, नशिबान जाल्लों. म्हजे जिणेंत मोण्ण आयलें. त्या मोण्णार हांव मोन्यान अुबो रावलों. निर्शेवन, निर्शेल्ल्या मनाक खेळवंक म्हुण हांवें मातयेंत हात घातलो. मातयेच्यो मूर्ती जाल्यो. हांव मूर्तिकार जालों.

फॉरेनाक वचप, खूप पैशे जोडप, हें म्हजें जुवानपणांतलें सपन. म्हजें फॉरेन सीमित आशिल्लें. फॉरेनात म्हळयार आखाती देशांत. आशिल्ल्यो वस्ती घाण दवरून हांगसून–थंयसून पैशे अुबे केले. पुणून हांव फॉरेनात पावलोंच ना. पैशेय बुडले, हांवय बुडलों, घुस्मटलों. बापायन आपल्या वांगडा मातयेंत हात घालूंक लायलो. सावशित जावंक नाशिल्लों. स्वताच्या मतान वागपाची शक्तच आतां मेल्ली. मातयेंत हात घातिल्लोच. आतां मनूय घातलें. हांव कलाकार जालों. फामाद मूर्तिकार जालों. म्हज्यो मूर्ती तुमी पगजे टुरिस्ट होस्टेलाकडेन पळयल्या आसतल्योच.

म्हजे जिणेतलें हें एक मोण्ण, केन्नाच विसरचें न्हय अशें फाटल्यान घुंवन पळयल्यार शीतळसाण दिवपी अशें.

हांव म्हजे मूर्तींचेरच जगतां. सगल्या अर्थान, आर्थिक आनी मानसिकूय. ह्यो मूर्ती म्हज्या सपनांत येतात, म्हजेकडेन अुलयतात, हांसतात. हांवे केल्ली मूर्त म्हज्या सपनांत आयली ना अशें केन्ना घडलेंच ना. तीं सपनां हीच म्हजी शीतळसाण, तीच म्हजी स्फूर्त.

□

आज हांवें ‘ अर्धसत्य ’ पळयलें.

‘ अर्धसत्य ’ पळवन भायर येतरेच कितलोसोच वेळ हांव तातूंकच आुल्लों. एक कसली तरी अनामीक धादुसकाय मेळिल्ली. आज कितें तरी बरें पळयिल्लें.

जांव, असो अन्यायाआड झुंजपी कोणीतरी आसा.

अनंत वेलणकर अन्यायाआड तायट आुबो रावपी, वेळार मोडून पडपी म्हूण बावगवपी न्हय असो.

वेलणकर. एक सस्पेंड जाल्लो पोलीस सबअिन्स्पेक्टर.

समाजकंटक आसूनय Next to CM आशिल्लो. रामाशेट्टी ताका परती नोकरी मेळवन दिवपाचें आुतर दिता. पुणून त्या बदलाक वेलणकराचें स्वत्व मागता.

वेलणकराच्या स्वत्वाचो आुद्रेक जाता. रामाशेट्टीचो गळो आवळून तो खून करता.

रामाशेट्टी मुकार ओमपुरीन मूर्त केल्लो अनंत वेलणकर नांवाचो धगधगतो ज्वालामुखी म्हज्या दोळयांमुकार आजुनय तस्सो आसा.

ताकाच हांवे वेंगेंत घेवपाचो यत्न केल्यार ? हय. हीच मूर्त करची.

तो राग, ती धगसाण, ज्वालामुखीचो आुद्रेक, तातूंतल्यान व्यक्त जालो ना जाल्यार हांव फेल.

हें आव्हान हांव स्वीकारतां.

□

म्हजी मूर्त तयार जाली.

हांव खंयच आुणो पडूं नाशिल्लो. म्हजेरच हांव खुश आशिल्लों.

म्हज्या सपनांत वेलणकर आयलो.

हांव सुर्वेक वळखलोंच ना ताका.

एक ज्वालामुखीचो लासून आुडवपी तो आुद्रेक खंय आनी रामाशेट्टी मुकार मांजर जावन बशिल्लो हो वेलणकर खंय.

हांवें ताका बारीकसाणेन नियाळळो.

तो अनंत वेलणकरच आशिल्लो.

“ पुलीस में तुम्हें हमारा आदमी बनकर रहना होगा. ”

“ हय देवा. ”

वेलणकराल्या आुतराचो अर्थ तोष जातालो. अितल्यानय सोंपलें ना.

वेलणकराची मोगी जोत्स्ना गोखले, रामाशेट्टीक आपली पर्सनल सेक्रेटरी

म्हुण जाव आशिल्ली.

ताकाय वेलणकारालो "हय देवा."

वेलणकराक जाय तें मेळिल्लें. रामा शेट्टीक जाय तें मेळिल्लें.

पोलीस सबअिन्स्पेक्टर वेलणकर समाजकंटक रामाशेट्टील्या पांयार तकली दवरता. ताका नमस्कार करता.

हांव सपनांतूच रडलों. हुंडक्यांनी रडलों 'तुमी अशें करूं फावना आशिल्ले. वेलणकर, तुमी ताजो गळो अंदून खून करूंक जाय आशिल्लो. तुमी करात.'

पुणून ताणे तशें केलें ना.

तो मोटर सायकल घेवन खोशेन जोत्स्ना गोखलेक मेळपाक गेलो.

हांव कांचवेलों.

म्हजे खंयचेच मुर्तीन म्हज्या विचारांचेर असो बलत्कार करूंक नाशिल्लो.

कितें चुकलें म्हजें?

कांय नजो, दुसरी मूर्त करची.

□

दुसरी मूर्त करतलों म्हुण हांवें थारायिल्लें खरें पुणून तशें घडलें ना. आजूनमेरेन.

घुरी घालपाक काळखांत लिपून राविल्लें भंय खंय तरी काळजांत आशिल्लें. मातयेंत हात घालपाक मन तयारच नाशिल्लें.

पुणून आज 'शेणिल्लो गांव' नाटक पळयलें आनी परत एक फावट दिसलें, मूर्त करची. साजूमामाची.

साजूमाम एका गांवचो मुखेली. शाणेपणाची चार अुतरां गांवच्या लोकांक सांगपी. बऱ्यावायटाचो विचार करून निर्णय घेवपी. द्रष्टो.

आपलो गांव शेणचो न्हय म्हुण रक्त आटवपी साजूमाम, म्हाका खूब मानवलो.

मातयेंतल्यान मूर्त अुबी करप. ताच्या गुणदोशांसयत अुबी करप. निर्जीव तरीय ती सजीव आसप हातूंतच मुर्तिकारालें खरें कसब.

□

मूर्त जाली. बारशें जालें. साजूमाम नांव दवरलें.

सपनांत साजूमाम आयलो. साजूमाम सांगता–

"तुमी देवळांत कीर्तन घडवन हाडलें. खूब तेपान लोकांकय कीर्तन आयकूंक

मेळ्ळें. आनी तेंय काका कवळेकारासारकेल्या मोठ्या कीर्तनकारालें. म्हाका भौव खोस जाली. देवळाच्या कार्यकारी मण्डळान अशे तरेच्यो लोकांक संतोश दिवपी कार्यावळी परत परत करूंक जाय. पुणून तुमचें एक चुकले, कळ्ळें मरे ! ''

अितलो वेळ मोटे अुमेदीन आनी अभिमानान साजुमामाक आयकत आशिल्ले आमी अचकीत गोंदळ्ळे आमी खंय चुकले ?

''कवळेकार काल तुमचो पावणो. तुमचेपैकीं कोणेय जेवपाक ताका घरा व्हरपाचें न्हय ? तुमी ताका अग्रशाळेंत न्हिदूं लायतात ! अशें जाऊं जायना, कळ्ळें मरे. नैतिकदृष्टया चुकलें तुमचें. काल हांव घरा नाशिल्लों. आसल्यार असो प्रसंगच येना आशिल्लो.''

खऱ्यांनीच आमच्या देवळांत पयले दीस कीर्तन जाल्लें. कीर्तनकाराली रावपाची आनी जेवपाची सगळी व्यवस्था आमी अग्रशाळेंत केल्ली. आनी अितले ताजे गजालीचेर साजूमाम सपनांत येवन आमकां आमची नैतीक बाजू समजावन दिता हाजो म्हाका वेगळोच आनंद जालो.

सकाळीं अुठतसान म्हजे तकलेंत साजूमामच आशिल्लो. खरेंच आमी चुकले काय कितें ? नैतीक बाजून चुकले ? खरें तर साजूमाम म्हण्टा तशें घडिल्लेंय. जेवण दिल्लें खरें पुणून आमी कार्यकारी मण्डळाचे वांगडीय तांचे वांगडा आशिल्ले. तें 'सहभोजन' आशिल्लें. मृद्म रांदप्याक आफवन जेवण केल्लें. तांच्या वांगडा रातचेय आमी थंयच न्हिदिल्लेय बी. हांसत खेळत. आनी कीर्तनकाराकय हे अशें मेकळचा वातावरणातले 'सहभोजन' खूब आवडिल्लें. साजूमामाक हें सगलें समजावन दिवचे तयारेन हांव दुसऱ्या दिसा न्हिदलों.

दुसऱ्या दिसाचें सपन.

सपनात अशेंच एक देऊळ. पुणून पयले रातचें न्हय.

देवळांत कार्यकारी मण्डळ एकठांय जाल्लें आसता. तांच्यामुकार दोन प्रस्न आसतात.

एक–देवळाचो जीर्णोद्धार करूंक जाय आनी त्या खातीर पैसो कसो पुंजावप.

दोन –देवाचे वार्षिक जात्रेक कांय जाणांनी एकठांय येवन रिंगाचो खेळ आनी गडगडो चलवपाक मण्डळाकडेन जागो मागिल्लो आसता. अशे जुगाराचे प्रकार चलवंक जागो दिवप काय कितें ?

ह्या दोनीय प्रस्नाचेर साजुमामाले विचार आयकूंक म्हुण मण्डळान साजूमामाक आमंत्रण दिल्लें आसता.

जात्रा लागीं पाविल्यान दुसऱ्या प्रस्नाचेर पयलीं चर्चा जावची अशें थारता.

चडशा मण्डळाच्या वांगड्यांलें मत आसता, रिंगांचो खेळ जांव गडगडो चलवंक जागो दिवचो न्हय. तो एक जुगार. तातूंत भुरग्यांक वायट संवयों लागतात. कांय जात्रांनी जरी हे प्रकार अुक्तेपणान चलता आसले तरी बाकीच्यांनी केल्ली

पिशेपणां आमीय आपणावचीं अशें ना.

ताजेर ते साजूमामालें मत घेतात.

साजूमाम अुलयता —

" हें पळयात, तुमी म्हण्टात तें सामकें खरें, जें कितें वायट आसा तें आमकां नाकाच.

दुसरें, जायत्या जात्रांनी हें सगळें अुक्तेपणान चलता आनी ताजेर जोडय बरीच जाता अशेंय हांव आयकतां, पैर एके जात्रेंत तर अशे चार स्टॉल आशिल्ले. चारी स्टॉलांचेर मेळून पंधरा हजार रुपया नक्कद सुटले. कळ्ळें म्हरे !

आतां हांव कितें म्हण्टा तें आयकतले ?

समजा ह्या कांय जाणांक आमी आडायले. तांका जागो दिलो ना. ते खुबळटले, देवळाकडेन तांची वायटपणा जातलीं. आमी वायटपणां कित्याक वाडवचीं ? सगल्यांलो एकवट आसल्यारच गांव तिगतलो, देवूळ तिगतलें, देवळांतल्या देवालें देवपण तिगतलें, कितें रे ?

म्हुण अशें केल्यार ?

आमी तांका खेळ चलवपाक जागो दिवचो. पुणून मान्यताय दितना तांका एक सांगचे. तुमकां जो कितें फायदो जातलो तातूंतलो अर्दो देवाक दिवचो पडटलो. देवळाचो जीर्णोद्धार करचो आसा म्हुण. तुमकां फायदो जालो ना, तुमी कांय दिनाकात. तातूंतल्यान दोन गजाली जातल्यो. एक, ते दुखचे ना. दुसरें, देवाकय एक–दोन हजार रुपया मेळटले.

आमी जांव ते, जो पैसो पुंजायतात तो कोणा एकल्याच्या सुवार्थाखातीर न्हय. ते तांच्या मण्डळाखातीर आमी आमच्या देवळाखातीर. एकूण मेळून गांवचे अुदरगतिखातीर. कितें रे ? म्हाका कांय हातूंत कांय वायट दिसना.

हांव कांचवेलों. सपनातल्यान जागो जालों. दुसरे फावटी म्हजे मूर्तीन म्हज्याच घराचे वाशे मोडील्ले.

म्हाका साजूमामाची तिडक माल्ली.

आरे साजूमाम, तुजेपरस हांवे त्या स्मगलर x x x x x x ची मूर्त केल्ली बरी आशिल्ली. थू : !

□

म्हजे हात म्हाका स्वस्थ बसूं दिनात. 'किते तरी कर ? कितें तरी कर' ते म्हज्या फाटल्यान लागल्यात.

कितें करूं ?

सीता ? नाका. ती नाका. कांय तेप ती रावणाच्या राज्यांत आशिल्ली.

तिज्या विचारांचेर रावणाल्या विचारांचो परीणाम जावंक येता.

द्रौपदी ? नाका. तिकाय केन्नातरी कर्ण आपलो घोव आसचो अशें दिशिल्लें.

सिंधू ? गडकऱ्याली सिंधू ? नाका, तेंय नाटकांतलेच. स्वतंत्र, वास्तव न्हय. नाटक्यांनी आनी सिनेमातल्या सवंगांनी म्हज्या सपनात अुजवाड घातला. तोच पुरो आनी नाका.

बायलांचेर केन्नाय विस्वास दवरचो न्हय म्हण्टात मागीर आतां तरी हांवे कित्याक दवरचो ?

बायलमनशेची मूर्त नाका.

भोंगू तें, कांयच नाका.

❑

ह्या दिसांनी एका तन्नाटयाचें नांव पेपरांनी खूप आयकूंक मेळटा. मोहन तडफळकार ताजें नांव. हाल्लींच कॅपिटेशन फीच्या आड जाल्ल्या विद्यार्थी आंदोलनात ताजे नांव आयकूंक येतालें. कॉलेजींतल्या चलयांचेर कारणाबगर लाठीमार जाल्लो ताज्या आड ताणे आवाज काडिल्लो. निशेदात्मक एका दिसाचे अुपोषण केल्लें.

पुणुन ताजे पयलींसानय तो म्हजे तकलेंत आशिल्लो. एक फावटी सांवड्या हावें ताजें भाषण आयकल्लें. वा! कितें वक्तृत्व! ताज्यां प्रत्येक अुतरांत एक ताकत आशिल्ली, शक्त आशिल्ली.

आज हे चोर रानांनी घुरी घालतात. फाल्या तुमच्या घरांर घुरी घालतले. तुमच्या आवय–भयणांक ओडून व्हरतले. कोणेय आडयल्यार ताका मरसर मारतले हें पळयत तुमी मोन्यांनी बसतले ? ना. केन्नाच ना ! मागीर अुठात. ह्या भ्रष्ट सरकाराक आमची शक्त दाखवयां.

गांवच न्हय आख्खें गोंय फल्या पलाशीमुकार अुबें करयां. सरकाराल्या खोमसाक हात घालून हालवया. आमी त्या अर्जुनाचे वंशज. जयंद्रथाक अुदकांतल्यान भायर काडून ताका ख्यास्त भोगू लायलेबगर केन्नाच थंड बसचे नात.

सत्ताधारी पक्षाचो एक आमदार बेकायदेशीर रितीन रानां कापतालो, लाखांनी रुपयांचें लाकूड चोरयां विकतालो. खबर आसूनय सरकार दोळे धापून बशिल्लो. एका फॉरेस्ट रेंजरान ह्या आमदारालो लाकडाचो ट्रक आडायलो. आमदारान आपल्या मनशांवरवीं त्या रेंजराक मरसर बडयलो.

कांय दिसापयलीं घडिल्ली ही गजाल. ताजेरच तो तन्नाटो– मोहन तडफळकारचें नांव वाचलें आनी ताजी ती त्या दिसाची मूर्त दोळयांमुकार उबी रावली. अटलबिहारीजींचें भारदास्तपण आनी जॉर्ज फॅर्नांडिसालो आवेश ! सगलें ताजेमदीं आशिल्लें.

हे फांवटी म्हजी मूर्त म्हाका फटवची ना अशें म्हका वगीच मनांतल्या मनांत दिसूं लागले.

हो मोहन तडफळकार कल्पीत न्हय. वास्तवांतलो. हो म्हाका फटवचो नात. करची मूर्त. पळवयां.

मूर्त जाली. मनासारकी जाली.

पुणून परत म्हजे मुर्तीन म्हजो विस्वासघात केलो.

मोहन तडफळकार सपनांत आयलो.

दोन वर्सापयली कॉलेजीचे शिकप अदर्यार सोडून सामाजीक चळवळींत पडिल्लो हो मोहन तडफळकार. दोन वर्सा पयलींचे कॉलेजींतलें आयडेंटीटी कार्ड कंडक्टराक दाखवन अदर्या तिकिटाचेर 'कदंबा' तल्यान सकल देवतालो.

हांव हाथरूणार अुठून बसलों. कितलोसोच वेळ.

हें अशें कित्याक जाता ? म्हजें कितें चुकता ?

एकाद्री ही माती तसली आंसुये !

तकलेंत लक्क जाल्ल्यावरी जालें.

एकेच मातयेंच्यो ह्यो तीनूय मूर्ती. पयलींची माती वेगळी आनी ह्या तिनूंय मुर्तींची माती वेगळी. नवी,

मातीच तसली आंसुये. अवचिन्हाळी, विखारी.

विचार करतां करतां म्हाका तेंच पटलें.

हे मातयेची आनी परीक्षा पळवप ना.

आशि–नाशिल्ली माती आनी ह्यो तीनय मूर्ती न्हंयत व्हरून बुडवप, वासाक दवरप ना.

असोय विचार मनांत आयलो, तेन्नाच व्हरून बुडवच्यो पुणून बरीच रात जाल्ली. नाका म्हळें. फाल्यां जिळमिळटना हें काम करप. लोकांक कळूंक अुपकरना. फुकट पिशांत काडटले.

त्याच विचारांत हांव न्हिदलों.

माती आजूनय घरांतच अशिल्यान जांवये मातयेन म्हजी फाट सोडली ना. परतें सपन. एकेच राती दुसरे फावटी.

हांव मातयेचें पाटें बोडार घेवन बुडवंक भायर सरनां. अर्दवाटेर पाटें बोडावेल्यान निसरता, माती सकल पडटा. ते मातयेचेंच मायण जाता, त्या मायणांत हांव रोंबता. बोब मारून कोणाकय हटकितलों म्हण्टामेरेन नाकामेरेन पुरवतां घुसमट्टा. बोब मारूंकय जायना आनी पुराय पुरवनाय. विचित्र अवस्थेंत हांव स्वासोच्छवासापुरतें नाक अुकतें आनी तांचे वयर दोन बुबुंळां भायर आशिल्लेवरी, दुसऱ्याक भिरांकूळ करपी स्वतः ख्यास्त भोगपी. मरणाची आशेन वाट पळवपी.

आनी मोंवतणी ती माती.

मातयेक भांगराची दर आशिल्लेवरी, कितलेशेच जाण ती माती व्हरूं आयल्यात.

त्यो तीनूय मूर्ती त्या लोकांल्या बोडार पाटीं अुबारतात, मातयेन भरिल्लीं.

न्हिदेंतल्यान किळांच मारून हांव जागो जालों. सामकों हुमेल्लों. ताळो सुकिल्लो हाथरूण सांसपीत पळयलें. हांव हाथरूणाचेरच आशिल्लों. मातयेत रोंबलों नाशिल्लों. म्हकां सू ऽऽ जालें.

कितलोसोच वेळ हांव तसोच बसून रावलों.

***

□ ९ □

अेक आशिल्लो मारुती, अेक आशिल्लो सदानंद

□ □ □

हांव नव्या बिराडांत येवन चारच दीस जाल्ले. शेजाऱ्याली आजून वळखय जावची आशिल्ली. वळख वाडवन वेळ पासार करूंक मेळपासारके शेजारीय थोडेच दिसताले. तशीं शेजराक घरां आशिल्लीं. व्हड व्हड, सिमेंट कॉंक्रिटाचीं. पुणून तांतुतले दाल्ले मनीस गल्फांत. घरांत बायलो. म्हाका जाय तसो शेजारी एकटोच दिसतालो. सदानंद. आज जोडून आज खावपी. ताचें घर आनी म्हजें बिराड लागीं लागीं. पुणून आजून ताजीय वळखशी जावंक नाशिल्ली. नांवान वळखतालों तितलोंच.

सकाळची अकरा–साडे अकरांची वेळ आसये. हांव भायर तेण्यार बशिल्लों. रस्त्यार बोवाळसो आयकूंक आयलो. नदर थंय गेली.

एक नेण्टिशी बायल तणतणत येताली. हांव वळखलों. सदानंदाली बायल. पयले दिसासान तांचे घर बंद आसलें. खंय तरी गेल्ली ती तेन्नाच येताली.

हांडीर एक बाळशें. दुसऱ्या हाताक धरून धांवत चलत येवपी सादारण तीनेक वर्सांचो चलो. ताज्या फाटल्यान साडेचार–पांच वर्सांची चली. चलो बुशकोटाचे पोत तोंडांत घालून चाबत तर चली मोन्यानी फाटीफुडें पळयीत चलताली.

सदानंदाले बायलेल्या तोंडाचो पट्टो नेटान चालू आशिल्लो.

सदानंदाली ही फौज मुकावेल्या आकाडच्यांत पावली आनी थंयच थांबली.

आतां फाटी वळून पळवपाची पाळी आवयची आशिल्ली.

फाटल्यान आनी कोण ?

फाटल्यान मारूती येतालो. सदानंदालो व्हडलो चलो. धा-एक वर्सांचो. आत्तां रडटलो काय म्हणपासारको चेरो जाल्लो. दबकत दबकत येतालो. आवय रावली म्हण्टरेच आवयचें मदीं आनी आपले मदीं बरेंच अन्तर दवरून तोय रावलो.

आवय मारूतीकच सवताली.

ती आकाडयांतल्यान भीतर सल्ली. म्हज्या मुकाल्ल्यानच आपल्या घराकडेन गेली. पुणून तिणे नदर अुकलून पळयलें ना आनी आपलें तोंडय थांबयलें ना. ताळो तरी कसलो. सामकी जगांट.

दाराचें कुलूप काडटना लेगीत तिचें तोंड थांबलें ना. 'आज घरांकच येवून पळय तूं. रांडेन म्हाका पोसूंक दवल्ला. हातांत येदीऽएक बाटली दिल्यार फोडून घालता तूं ? आब्बा ! चडलें बाबालें. आज तुका वाडटा कोण तें पळयतां हांव.'

आतां मारूती आकाडयांत येवून अुबो राविल्लो. घराकडेन पळयीत. नाकटां खायत. मदीं मदीं म्हजेकडेन नदर मारतालो. हांव पळयतां अशें दिसल्यार मान सकल घालून नाकटां खायत रावतालो. ताजे केस अस्तावस्त वाडिल्ले. आंगावेल्या कपडयांक शिस्त नाशिल्ली. कुयदाद नाशिल्लो असो दिसतालो.

तो आकाडयांत दिसतरेच आवय परत फणफणत तणतणत घराभायर आयली.

"येता काय ना रे तो घरांत ? तुका सांगता तें आयकूंक येना रे ? तुका सोडचें ना हांव. फाटीच्यो काती लांबयतलें. तुगेलो दाद येऊ ना जाल्यार तीः आवय रांड येवूं."

ही मारूतीली कोण तर ? हांव घुसपलों.

मारूती आजूनीय आकाडयांत तसोच अुबो आशिल्लो. नाकटां खायत. रडकुन्या तोंडांन. पुणून एकूय दूक गळयनास्तना. घरांत येवपाक तो तयार नाशिल्लो.

हो अितलो नीबर कसो ?

अितल्यांक फाटल्यान सदानंद आयलो. चलो आजून आकाडयांकच कसो ? ताका प्रस्न पडलो आसये. चल्याल्या चेऱ्यावेल्यानच कितें तरी घडलां हें ताका कळ्ळें जावये. सदानंदान मारूतीक खाक्यांक घेतलो. कितें घडलें काय म्हुण विचाल्लें. मारूतीन मुसमुसत ताका कितेंतरी सांगलें. बापायन ताका फुसलायलो. दोगूय आकाडयांतल्यान भीतर सल्ले. मारूतीली नुरा आतां बरीच बदल्लिल्ली. तरीय बापाय फाटल्यान तो दबकत दबकतच चलतालो.

मारुतीली आवय तयारेंतच आशिल्ली जावये. तो पावळेंत आसतनाच तिणें मारुतीक बापायल्या हातांतल्यान ओडून घेतलो आनी हातांतल्या सान्नीमुंड्यांनच ताका बडवंक आरंभ केलो.

मारुतीलें ह्यां-चूं कांय ना.

बापूय मदीं पडलो. ताणे आवयल्या हातांतल्यान सान्न ओडून घेतली. चल्याक ओडून घेतलो. बायलेक तापलेशे केलें. चल्याक घेवन तो कुशीत गेलो.

आतां मारुती बापायक वेंग मारुन हुमसून हुमसून रडटालो.

मारुतीली आवय परत परत मारुतील्या आंगार येताली.

कितें घडलां तें म्हाका कळत आयिल्लें. मारुतीक सांबाळपाक म्हुण दिल्ली, तागेल्या धाकटया भावाली दुदाची बाटली मारुतीन रस्त्यार अुडवन फोडिल्ली. आनी मागीर हें सगळें आताचें नाटक घडिल्लें.

सदानंद बेजार जाल्लो. ताणे एक विडी पेटयली. सोप्यार खुर्ची घेवन दोळे धापून तो थंड बसलो. मारुती तागेले मांडेर तकली दवरून हुंडकेत आशिल्लो.

अितल्यान रस्त्यार 'पॅक पॅक' जालें. आय्स्फ्रूटवालो. सदानंदान दोळे अुगडले. मारुतीक थोपटिलें. ताका अुठायलो. ताजीं दुकां पुसलीं. बोल्सांतले चिल्लर पैशे ताणे ताच्या हातार दवल्ले. मारुतीन बुशकोटाच्या पोतान परतें एक फावट आपलीं दुकां पुसली आनी 'राव रे, राव रे' करीत तो रस्त्यार धांवलो. फाटल्यान सदानंदाली अुरिल्ली नागडी अुगडी फौज धांवली.

मारुतीन सगलेच तीन आय्सफ्रूट घेतले. आपल्या दोनूय भावडांक व्हडपणाच्या नेटान ताणे एकेक आय्सफ्रूट दिलो. अुरिल्लो आय्सफ्रूट घेवून तो बापयकडेन धांवलो. बापायक मात्सो वेळ आयस्फ्रूट चाखूंक दिवनच मागीर ताणे तो आपल्या तोंडात धल्लो.

आतां मारुतीलो मूड सामको बदल्लिल्लो. तो रंगात आयिल्लो 'मेरे आंगनेमें तुम्हारा क्या –' ताणे आय्सफ्रूट तोंडात घातलो चोखलो. 'काम है' ताणे पूर्ण केली. परतो तो आय्सफ्रूट चोखूं लागलो.

आय्सफ्रूट सोंपता मेरेन त्योच त्योच वळी ताणे कितलेशेच फावटी म्हणल्यो.

भीतर आजूनय मारुतीले आवयलो आवाज आयकूंक येतालो.

आतां ती दोगांकूय सवताली. घोवाक आनी मारुतीक.

"त्या रांडेल्या पोराक घेवन नाचूं जाय जाल्यार लग्न कित्याक जालो मेल्ल्या ?"

सदानंदान भीतर वचून ट्रान्झिस्टराची व्होल्यूम फुल्ल केलो.

☐

दुसऱ्या दिसाची गजाल.

सकाळीं अुठ्ठानाच, सदानंदालें घर कामाक लागिल्लें म्हाका दिसलें.

सदानंदाली बायल फाटलेवाटेन आयदना घासत बशिल्ली. लागींच न्हाणी आसली. रान्नींत अुजो पडिल्लो. न्हाणेच्या अुज्यामुकार शेकत सदानंद बशिल्लो. भाणार धरिल्ले काजळेन तो दांत घासतालो. मारुती व्हडली शिकार दोड घेवून भाज मरतालो.

तुवालो गुटलावन, कोळसो आनी ब्रशार पेस्ट घेवन हांव बांयचेर आयलों. ह्या दोनूय घरांक बांय एकूच. बांय म्हज्या बिराडाक तेकून. बांयचेर किते घडटा तें सदानंदाल्या घराकडल्यान दिसना. हांव बांयचेर पावलों तेन्ना मारुती बांयचे धडेक पायांचो नेट लावन, घसक्या घसक्यानी ती व्हडली दोड ओडटालो. पयलो घसको मारून दुसरो घसको मारसर, ताजो फोर्स अुणो पडिल्यान ती दोड परती सकयल देंवताली. म्हाका ताजी काकुळट दिसली. हांवेंच ताका ती दोड वयर काडून दिली. तो रुंद तोंड करून हांसलो. धांविल्यासारको चलत तो ती दोड घेवून गेलो.

रिकामी दोड घेवून तो परतो आयलो.

अितल्यांक फुडल्या आंब्याचे एक घोट पडलें. नुस्तें दिसतरेच किरकिन्यान झोपय मारची तशी ताणे घोंटार झोपय माल्ली. तें घोट ताणे फातराचे खाचींत लिपवन दवल्लें आनी दोड भरून घेवून गाबतिणीवरी धांवत चलत तो गेलो.

तो परत आयलो.

" मागेली दोड भरून दिता ? "

मारुतीच्या अुतरांत आनी चेऱ्यावेल्या भावांत एक जबरदस्त शक्त आशिल्ली. म्हाका ताजी काकुळट दिसली. हांव आपली दोड अुकलतां अशें दिसतरेच ताणे फातराच्या खाचींतले तें घोट भायर काडलें. हावन्यावरी एक मिण्टाकच ताणे तें घपाघप खावन अुडयलें. रूकामुळांतल्यान पोतऱ्यान ताणे आपलें तोंड आनी हात लिप्प पुसले. हांवे काडून दिल्ली दोड घेवून ताकतिकेन तो घरा गेलो.

हांवय बिराडांत आयलों.

आंब्यारूकार माकड आयिल्यान, मारुती जेन्ना परतो अुदक भरूंक आयलो तेन्ना ताका आनीक तीन चार घोटां मेळळीं. तीं ताणे वेवस्थित लिपवन खाल्लीं. रूकावेल्या माकडांचो वास मारुतीच्या भांवडांकय लागलो. तीं रूकामुळांत नाचूं लागलीं. आपलें काम सोंपवन मारुतीय थंय धांवलो. मारुतील्या भांवडांनी आंबे खावन तोंडां रंगवन घेतिल्लीं. मारुतीन मात्र एकूय खालें ना. मात पडिल्ली पुराय घोटां पुंजायन तो घराकडेन घेवन गेलो.

लिपवन दवरिल्ल्या आंब्याचो वास मात्र ताणे कोण्णाक लागूं दिलो ना.

एक नवोच नमुनो हांव पळयतालों.

म्हाका मारुती आनी ताजी घरचीं हांची चड चड वळख जायत आशिल्ली.

मारुती हो सदानंदाले पयले बायलेलो चलो. ती बायल सदानंदाक सोडून दुसऱ्याच कोणाबरोबर पळून गेली. सुंदर आशिल्ली खंय. मारुतीक खेंपत रावता ती सदानंदाली दुसरी बायल. मारुतीली सवती आवय तिका तीन भुरगीं. सदानंदाले हे बायलेक घोळटिकेचीं कामां जमनात. लोकांनी कोणेय तिका कामाक आपयल्यार तिका राग येता. ती तांका खेंपत रावता. सदानंदाली जोड कमी आसून लेगीत केन्नाच बायलेक कामांक वच म्हुण अधिकारान सांगना. तशें सांगल्यार 'बायलेक पोसूं जायना जाल्यार लग्न कित्याक जाल्लो. तें एकटें सोडून गेलें तें वगीच न्ही.' खरपिवन रक्तां काडून घेवचे परस खरजना तें सोसून रावप बरें म्हुण वगी रावता.

मारुती मदीं मदीं केन्नातरी फुटके पाटेचो वेतभर कुडको घेवून शाळेंत वतना दिसतालो. सकाळीं शाळेंत गेल्यार सांजचें ना आनी दीसभर गेल्यार फुडले चार/पांच दीस वचप ना असली शाळा.

ताका ताज्या फाटल्यान लागून शाळेंत धाडटनाय कोणूय दिसना आशिल्लो. अुरफाटें दीसभर भाण भर, हांगा वचून हें हाड थंय वचून तें हाड, धाकल्या भांवडांक हागूक व्हर. तांका धूय, पूस. आपलें ताट धूय, कपडे धूय असलीं कामां.

सदानंदाक हांवूच खूब फावटी हटकीतालों. मारुतीक शाळेंत धाडपाविशीं सांगतालों. ताका तें खरें दिसतालेंय जावये. अशा वेळार अुरफाटें तोच म्हाका सांगतालो – 'ताका शाळेंत धाडूंकच जाय. शिक्षण ना जाल्यार मनशाक कसलो वालोर ? हांव सातवी मेरेन शिकिल्यान म्हाका वेव्हारांत कितलोसोच अुपेग जाता.'

पुणून दुसरे दीस खंयचेकडेन कांय ना.

दुसरो दीस तसोच अुदेतालो. सदानंदाली बायल आयदना घासता. सदानंद बायलेकडेन गजाली करीत भाणावेले काजळेन दांत घासता. हेर भुरगीं शाळेंत वच्चेवेळार मारुती भाण भरीत आसा.

आनी अेक दीस दार अुगडटनाच मारुती दारांत अुभो. कालसांव–खोमीस घालून हातांत नवी–कोरी पाटी घेवून. सदांचो पाटेचो वेतभर कुडको त्या दिसा नाशिल्लो.

"आज खंय रे ?"

म्हज्या प्रस्नाची जाप दिवपाक ताका वेळ नाशिल्लो जावये.

"कितली वरां जालीं ?"

"कित्याक रे ?"

"सांग रे. शाळेंत वचों जाय म्हाका."

हांवें ताका वरां सांगलीं.

ताणे म्हाका आपली नवी–कोरी पाटी दाखयली. अभिमानान. खोशेन. ताच्या तोंडार एक तृप्ती आशिल्ली. मागीर अुडयो मारीत तो शाळेंत धांवलो.

आनी दनपरां पाटी फोडून घेवून तो घरा परतलो.

मारूती घराकडेन पावचे पयलींच ही बातमी शाळेतल्या तागेल्या वांगड्यांनी घराकडेन पावयिल्ली.

मारूतीली सवती आवय तागेली वाट पळयीत आशिल्ली.

पुणून तो बिलंदर. बापूय घराकडेन येतामेरेन वाट राखत रस्त्यारच रावलो. बापायच्या बरोबरच घरांत भीतर सल्लो. त्यावेळार ताजी सवती आवय रगडयार वांटत बशिल्ली. तिणे आनी वेळ केलो ना. बापायल्या हातांतल्यान मारूतीक घेतलो आनी रगडयावेलें आळेन ताज्या दोळ्यांत सप्प करून माल्लें.

मारूती किळांच मारून रडलो. व्हडव्हडान रडत रावलो.

" चल अूठ, कसलीं पिशेपणां करता गो. चल भीतर."

सदानंद मदीं पडलो. ताणे मारूतीक वडून कुशीक काडलो.

सदानंदान मारूतीले दोळे धुवन काडले. दोरेवेलो तुवालो ओडून ते पुसले.

सदानंद आनी ताजी बायल दोगांचोय म्हाका राग आयिल्लो. बायलेक निद्र करूंक जायना म्हुण सदानंदाचो तर मनीसपण नाशिल्ली बायल म्हुण बायलेचो.

भुरग्यांक ख्यास्त दिवपाकय कितें रीत जाय. हें कितें न्हय नसतें. पाटी फुटली, फुटूं. पाटी फोडपाचीच पिराय ताजी. हाणीच अशें तरेन मारफार केल्यार तो शाळेंत वचूं लेगीत भियेतलो. हांका तरी ताणे शाळेंत वचूं जाय म्हण खंय दिसता !

" ल्हान आसा रे तो सदानंद ! तो आतां पाटी फोडना जाल्यार केन्ना फोडटलो ? वगीच न्हय नसतें कितें करतात ? तो चुकलो, तुमी चुकलीं ना म्हरे आतां ? "

हांवे अुलोवपाचें न्हय. म्हाका कळटालें. पुणून सोसूं न्हजो जावन अुलयलों.

सदानंद अूठून भीतर गेलो. तो बायलेक थंडावपाचो यत्न करतालो आसूंये. अुतरां अस्पश्टशीं आयकूंक येतालीं. बायल मात्र खबळिल्ल्यावरी अुलयताली. हांवें मदीच तोंड घातिल्ल्यान आसूंये.

" बाबाक बोडार चडय. शाळेंत धाड. शिकयतले आसा न्ही तुकां खब जाण व्हडलो बॅरिस्टर जावन पोसतलो तो तुका. बाबालो अितलो मोग आशिल्लों जाल्यार त्या रांडेकच दवरून घेवचे आशिल्लें. तेगेले शिर्विशेक."

सदानंदाल्या घरांतल्या ट्रान्झिस्टराचो वोल्यूम एकदम खूब वाडलो. सदानंद भायर येवन बसलो. विडी फुकशीत. विचारांत गुल्ल. मारूती सदानंदाल्या मांडेर तकली दवरून हुंडकेंत आशिल्लो.

मारूतीलीं भावंडां काचाबूल जावन मारूतीक पळयीत आशिल्लीं.

❑

तेच रातची गजाल.

हांव जेवून हाथरुणार पडिल्लों. भायर ' धाडधाड ' जालें. जायत रावलें. कोण तरी बडयतालो. हांवे भायलो अदमास घेतलो. भायल्या लायटीच्या अुजवाडांत आपल्याच घराच्या दारार सदानंद नेटानेटान खोंटी मारतना दिसलो.

" दार अुगड मगो तें " आवाजाक वेगळोच वास येतालो. तातूंक घोवपण आशिल्लें. आजमेरेन केन्नाच आयकूंक मेळिल्लें नाशिल्लें अशें.

सदानंदाले बायलेन ताका कितें अुतर दिलें देव जाणा. पुणून तो खुबळिल्ल्यावरी जालो. ताणे परती दारार खोंट माल्ली.

बायलेन दार काडलें.

" खंय गेल्लो शेण खावंक अितलो वेळ ? "

" चेडये तूं म्हाका विचारता ? "

" ... ... "

" हांव जाय तेन्ना येतलों, तूं म्हाका विचारतलें कोण ? "

" ... ... "

" तो जमनीर न्हिदला तो कोण गो ? "

" ... ... "

" शेंदरी दी तेका."

" ... ... "

" दी म्हगो तें."

सदानंदालो आवाज तिरलो आयकूं येतालो. बायलेलो आवाज मोव पडिल्लो.

अचकीत बायलेली किळांच आयकूंक आयली.

"आवय गे ! मेलें रे देवा ऽ"

मागीर दोन-तीन थापटां मारिल्ल्याचो आवाज. परत किळांच.

" मेलें रे देवा ऽ मेलें ऽऽ. कोणीय धांवून येयात रे ऽ. हो म्हाका मारून वडयतलो. आवय गे ऽ ऽ "

म्हज्यान आयकूंक न्हजो जालें. अुठून सदानंदागेर धांवलों.

सदानंद केसांक धरधरून बायलेक वण्टीर आपटीतालो. पोटार मुठी घालतालो. ती कळवळटाली. वळवळटाली. भुरग्यांनी रडून कलकल केल्लो. मारुती धाकल्या बाळशाक हांडीर घेवून कोनशाक अुभो रावन पळयतालो. भिल्लो, पुणून रडनाशिल्लो.

सदानंदाक ओडून हांवे भायर हाडलो. ताका तापवन काडलो.

" मारून अुडयता आशिल्लो म्हरे तूं बायलेक."

ताज्या दोळयांत देंविल्लो राक्षस अजून तस्सो आशिल्लो.

" मारूनच अुडवंक जाय असल्या बायलांक. मागेल्या चेडयाक तूं जमनीर

न्हिदयता ? शाळेंत धाडचें सोडून तेज्या कडसान सगळीं कामां करून घेता ? तुगेल्या भुरग्याक तेणे लिमवूं जाय ? पाटी फोडली म्हुण तूं तेका अपाशी दवरता ? तूंच सांग, हे बायलेक जिती दवरपाची ? "

ताका हांवें समजायलो. तो वेळमेरेन शेजारीय जमिल्ले.

शेजाऱ्यांनीय ताका थंडायलो. तो जेवूंक भीतर गेलोसो करून हांव बिराडार परतलों.

शेजारची एक म्हातारी सांगताली, " असोच हो. पिल्यार सामको वायट. पुणून ही दुसरी बायल घरांत हाडतसान असलें कांय नाशिल्लें. बायलेकच भिवन रावतालो. एकटी सोडून गेली न्ही. लज जाल्या. हीय वचत म्हुण भियेता."

सदानंद केन्ना न्हिदलो देव जाणा. पुणून हांव न्हीदमेरेन ताणे परत बोवाळ केलो नाशिल्लो.

सकाळीं अुठनाफुडें आलार्म जाल्लेवरी पयले रातीची याद म्हजे तकलेंत किणकिणली.

जनेल अुगडून सदानंदालो अदमास घेतलो.

सदानंद सोफ्यारच विडी फुकशीत बशिल्लो. विचारांतसो दिसतालो. ताजी बायल भायर खंय दिसली ना. मारुतीय दिसलो ना.

अितल्यान मारूती घरांतल्यान दुडदुडत पाटी घेवून भायर आयलो. भाण्यातल्या अुदकान ताणे पाटीची एक बाजू निव्वळ करून धुयली. खोमसाच्या कोनश्यान ती सुक्की पुसली आनी तो परत दुडदुडत सदानंदाकडेन आयलो.

" दादो हांव शाळेत वतां हां."

आनी अचकीत सदानंदाले एक सणतणीत थापट मारूतीच्या पोल्यार पडलें. दुसरे पडलें. मारूतीली पाटी ताणे भिरकावन माल्ली.

" शाळेंत वता. शाळेंत वचून दिवे लायले ना काल. चल भीतर. कांय नाका शाळा–बिळा."

मारूती काळो निळो जालो. रडलो मात ना. मोन्यानी भितर गेलो. कोळसो घेवन आयलो. बांयची वाट चलूं लागलो.

सदानंदाक हें अनपेक्षित आशिल्लें. तो पळवूंकच पडलो. तागेल्या ओठांतली विडी ओठांनच पालवली. मारूतीले फाटीक दशिल्लेवरी नदरेन सदानंद मारूतीक पळयीत अुल्लो. मारूती नदरेभायर वतरेच लेगीत. केदो वेळमेरेन.

* * *

□ १० □

अपराजिता

□ □ □

ती दार उगडटा. तिगेले अपेक्षेप्रमाणे दारांत तोत्र आसता. सदिच्यावरीच हातांत कॅडबरी चॉकलेट खेळयीत.

" तनू, आज संध्या दिसना मुगो. खंय ? "

तो हेवटेन तेवटेन पळयता. गेल्ल्या दोन वर्सांसान चलत आयिल्लो नेम आज मोडिल्लो आसता.

" संध्या......"

संध्याक उलो मारपाखातीर उगडिल्लें तोंड उगड्टा मेरेन बंद जाता. आज आपणाकडसान अशी चूक कशी जाली ? ताका विचार करूनय कळना.

" तनू, संध्याक सायकल बी हाडून दिली काय कितें गो ? अजून कशें भायर येना तर तें ? "

" तूं भीतर यो बस तरी. "

पुशिल्ल्या पाटेवरी तिजो चेरो आसता. कांयच वाचपाक मेळना.

तो भीतर येवून ऐसपैस बसता. घरच्या मनशावरी. आजूनय ताज्या हातांत कॅडबरी तशीच आसता.

" तूंय अजापाचेंच म्हगो. आपय तरी ताका. "

" तें न्हिदला. "

" ह्यावेळार ? सहज म्हगो ? "

तीं ओगी.

“ सांग म्हगो ? कितें जालां ? ”

“ अितलो कळवळील्यावरी कित्याक जाता. ताका संडास आनी अुलटचो सुरू जाल्यात. तापय आसा. ”

“ केन्नासान ? ”

“ सकाळसान. ”

“ अगो हीं – ”

“ कॉलराची लक्षणां. जाणा हांव. ”

“ आनी जाणा जावनय हें तूं म्हाका आतां सांगता. अितल्या अुसरां अितल्या थंडपणान. तुवें म्हाका फोन तरी करपाचो. तेंय करूं जायना ? ”

ताका तिजो राग येता. तो आपली बॅग घेवन तडक्क करून अुठ्ठा. ती ताज्या हातांतली बॅग काडून सकयल टिपॉयचेर दवरता.

“ तूं कितें करता तें तुजे तुका तरी कळटा म्हगो ? सोड. ”

तो आपलो हात सोडवन घेता.

“ तुज्यापरस चड कळटा म्हुण तर अितलें थंड आसां. आनी तुकाय तकली थंड दवरपाक सांगतां. तूं बस पळवयां. हांव सांगता तें तरी आयक. ”

तिज्या अुतरांत अितली कसली ताकत आशिल्ली देव जाणा. पुणून तो बसता. तिज्या पिशेपणाचेर पिरंगत.

“ तुवें म्हाका फोन तरी करचो आसलो. ”

“ म्हाका तुका ही खबर सांगपाचीच नाशिल्ली. ”

ताका तिगेलीं ती समजावणेच्या सुरांत सांगिल्ल्या अुतरांची तिडक मारता. त्याचवेळार ताका तीं अुतरां काळजाक रोंबिल्ल्यावरी जातात.

तनूक अितली व्हडली गजाल म्हाका सांगचीशी दिसली ना. कित्याक ? हांव कोणूच न्हय ! म्हजेर येदोय विस्वास ना हाजो ? संध्याक म्हज्या हातांत दिवूंक हें भियेलें ? कित्याक ? आमच्या दोगांमदलो संध्या हो आडांबो असो हांव समजतां, अशें बी दिसलें ना म्हू तनूक ?

खीणभर विचारांचे गांदीलमूस ताका चाबतात. ताणें सोडिल्लो दीर्घ अुस्वास खूब कितें तरी सांगून वेता. ताजें दुख्ख आनी राग जमिनीक दशिल्ले ताचे नदरेंत एकवटतात. एक तोरट आंवडो ताळयांतल्यान देंवत वता.

“ तूं कित्याकितेंच अर्थ लायतलें अशें दिसूं नाशिल्लें म्हाका. ”

“ कसलो अर्थ ? ”

“ हांव एखादें संध्याक... ”

“ पिशासारको कितेंय अुलव नाका. तुकाच न्हय दुसऱ्या खंयच्याय दोतोराक ताका दाखवपाचो म्हजो विचार नाशिल्लो. ना. ”

"तूं कितें अुलयता तें तुजें तुका तरी कळटा म्हगो ? तकली फिल्ल्या बी काय कितें तुजी ?"

"तुका तशें दिसता जाल्यार म्हजो निरूपाय आसा. पुणून हांव जें कितें अुलयतां, तें पूर्ण विचारान, थंड तकलेन."

"तुजो विचार तरी कितें आसा ? पिशेपणा करूं नाका. बॅग दी."

तो बॅगेक हात घालता. ती ताका थोपयता.

"म्हजे विचार तुका कळचे ना. विनय."

एक थंड पुणून तितलीच भेदक जाप.

ताका दिसता, तें आपणाक मूह्मच पिकार करता. चोंचायता. 'तें तुका कळचें ना.' चूक जाली खरी. ताका चूक म्हणप लेगीत सारकें जावचें ना.

–तनूक सोयरिको पळवंक आरंभ जाल्लो. तनून त्यावेळार म्हाका ताजी स्पश्ट कल्पना दिवनय ... त्यावेळार हांवे तनुल्या बापायक मेळूंक जाय आसलें. तनून तशें सांगूनय, धीर दिवनय हांव फाटीं सल्लो.

तो परतो एक दीर्घ अुस्वास सोडटा.

... पुणून त्यावेळार हांव स्वतंत्र खंय आसलों ? मेडिकलचें दुसरेंच वर्स. खंयच्या आदारार लग्न जावप ? पुणून तनुल्या अुतरांतली तडफड आनी तळमळ म्हज्या काळजाक समजल्यार हांव म्हजें अर्दकुटें शिक्षण आनी तिगेली अुंचेली जात हाका भिवन फाटी सरना आसलो ...

"तूं म्हाका समजून घेना तनू !"

"तशें न्हय विनय. हांव ज्या दृश्टिकोनांतल्यान विचार करतां त्या दृश्टिकोनांतल्यान तुजे विचार वचतच अशें ना."

"पुरो ती तुगली प्रस्तावना. कितें सांगपाचें आसा तें सरळ सांगून अुडय."

"आयक.. संध्यालें जीवित हें अशें. आज तें तीन वर्सांचें. आजून ताका अुलवंक येना. आयकूंक येना. आनी फुडेंय कितेंय बरें घडत म्हुण आशा ना.... हें सगलें हांवें तुका सांगूक जाय अशें ना. म्हजेपरसय तें चड बरें जाणा."

तें वाडत वतलें. भोंवतणची रंगपंचम पळवपाची अित्सा नासतनाय हे रंग तिका भुलयतले. पुणून त्या रंगात तें रंगून वचूं शकचें ना. त्यावेळार ताजी अवस्था कितें जातली हाची तूंच कल्पना कर. खंयचीय भूक ही नैसर्गिक आसता. भूक भागली, बरें आसा. नाजाल्यार तो मनीस जीविताक अुबगता. खिणाखिणाक तो एकेक मरण जगता.

संध्याल्या जीवनात हाचे परस कितें वेगळें आसा ?

लग्न जावन वर्स जावचे पैलींच तांबडचा–पांचव्या रंगावांगडाच म्हजे जिणेतले बरेचशे रंग हुबून गेले. तेन्नाच फुडलें रेंवट स्पश्ट जाल्लें. एके जिद्दीन हांवें ह्या रेंवटात पांय दवल्लो. हें रेंवट हांव चलून वतलें फुडें खंयतरी हें सोंपतलें.

फुडें खंयतरी शेतवड आसतली. कांय न्हीं म्हळ्यार संध्याक तरी मेळटली. पुण तेंय एक सपनच अुल्लें. म्हज्याकय पाश्ट जीण संध्याल्या वांटचाक आयल्या. अितली तेप संध्याक कसलेंच दुयेंस जालें ना अशें न्हय. पुणून आज म्हाका दिसलें. एकादें हागेल्या नशिबांत फुडलो नरक आसत म्हुण हाका कॉलरा बी जालो ना म्ह-नशिबाचेरच सोडचें. पळवचें. आनी विचार करता करता म्हाका तेंच खरेंशें दिसलें. ह्या विचारांफाटल्यान अमूकच जांवक जाय असो म्हजो हट्ट ना. It is a gamble. आनी हेंय तितलेंच खरें की नशिबाचेर हवालो दवरपाची म्हजी ही पयलीच आनी निमणी खेप आसतली.

... जालें. म्हजें सांगून सोंपलें. आतां तुजेर म्हजी कसलीय सक्ती ना. तूं विचार करून कितें तें थारय."

ती बॅगेवेलो हात काडून घेता. बॅग घेवन अुबी दवरता. ती हुंडकेना. तिगेल्या दोळयांत दुकां ना. एक पाषाणी मूर्त कसो तिजो चेरो. तिजी नदर मात्र ताज्या दोळयांत. अग्गड.

तो कसल्याच विचारांक फुरसत दिना. बॅग अुकलून संध्याच्या रूमांत वता. कांय वेळान तो भायर येता. ती निर्जीव नदरेन एका म्हयन्याळ्याचीं पाना चाळत आसता. तो येतरेच ती म्हयनाळें काडून कुशीक दवरता. ताच्या चेऱ्यार अुबी आसता. तिच्याच चेऱ्यार एक अदृश्य धादुसकाय फुलत वता. तरीय ती पळयतल्याक तटस्थ दिसता. तो तिज्यामुकारच्याच ओलतेरांत बसता. सिगारेट पाकिटांतल्यान सिगार काडून ओठांत धरता. बलसां सासपिता. लायटर पेटयता. एक-दोन फावट छातीभरून धुंवर भीतर घेता. गोबर फाफुडपाचें निमित्त करून शिगाराच्या जळट्या तोकांर नदर थीर करता.

"तूं म्हणटा तें खरेंय आसत. तनू, पुणून ही जाली एक वाट."

तो कांयवेळ रावता. आपले विचार तिका कशे पटवन दिवचे हाजो विचार करता.

"तूं उरफाटें कित्याक चिंतना ?"

ताका खूब कितें तरी सांगपाचें आसता पुणून ती ताका मदींच तोडटा.

"हें तूं म्हाका सांगता ? हे विचार म्हज्या मनांत आयले नासत अशें दिसता तुका ? चुकता तूं. आरे हांवे खूब विचार केला ताजेर, तटस्थ रावन, म्हुणच ह्यावेळार हांव अितलें तटस्थ रांवक शकलें. हांवें फक्त एकेच वाटेन विचार केल्यार हांवच तिचें बरेंवायट करूं शकतालें. म्हाका जें कितें दिसलें तें हावें तुका सांगलें. आतां सगळें स्पश्ट जालां. हें आव्हान हांव आपणायतां. आतां हांव म्हळ्यार संध्या आनी संध्या म्हळ्यार हांव. फुडलो प्रवास हांव आत्मविस्वासान करतलें."

"हो प्रवास तुवें एकटयानच करूं जाय अशें ना तनू. हांवय कितेंय करूं शकतां.

हाजेपयलींच खूप खेपो हांवे तुका सुचयलां. आजूनय आमी दोगांय एकठांय येवक शकतात."

"तें आतां सारकें जावचें ना."

"तूं तुजो हट्ट सोड. कोणाच्याच फायदयाचें न्हय तें."

"तें आतां शक्य ना. कशेंच ना. तुजेबरोबर हांवे नव्यान संसार केल्यार तूं म्हजें केंद्र जातलो. फुडें एखाद्रें ही केंद्रां वाडत वतलीं. आपशींच संध्या केंद्राभायर पडटलें. आनी तेंच म्हाका नाका.... म्हजें तुजेकडेन एकूच मागणें तुवें आतां आनी लग्नाक कळाव करचो न्हय."

तो शिगाराचो धुंवर फुकत बशिल्लो आसता. कितलोसोच वेळ.

□

वीस वर्सां उपरान्न. सुवात तीच. मनशांय तींच.

"विनय, तपासलें तुवें संध्याक ?"

तो आयकलें-नाआयकलेंशे करता. आपल्याली बॅग उगडून तातूंत कितें तरी सोदत रावता. खरें तर ताका कांयच सोदपाचें आसना.

"तू गप्पसो विनय."

तागेलें आपलें काम चालूच आसा.

"संध्याक दीस गेल्यात हें सांगपाक तूं अितलो भियेलो ? तूं दोतोर म्हरे !" आंगार पाल पडिल्ल्यांवरी तो कांचवेता. तागेले बॅगेचें वेलें धापणें ताज्या हातांतल्यान निसरता. सप्प करून सकल देंवता. दोनूय धाकण्यांमदीं ताचीं बोटां चिडुतात.

"तुका कशें कळ्ळें" ?

ताचो आवूल बावूल प्रस्न.

"म्हजो दुबाव खरो जालो अितलेंच आनी ... आरे, पुणून तूं म्हजेपरस चड काकाबील जाला."

तो आपणाकूच सांबाळपाचो यत्न करता. चड करून आपले या चेऱ्यावेले भाव. ताका आपल्या घामेल्ल्या चेऱ्यावेल्यान लेंस फिरयनशें दिसता.

"आजूनय वेळ गेलो ना तनू."

"तुका कितें सुचवचें आसा, विनय ?"

"ह्या कानाचें त्या कानाक जावचें पैलें हातूंतल्यान मार्ग काडूं येता. मोकळें करूं येता."

"तशें जावचें ना. विनय."

"पिशेपणा करी नाका. लोक कितें म्हूण्टले ?"

"आज बावीस-तेवीस वर्सां जालीं तूं हांगा येता. एक संसारी दोतोर एके विधवा प्राध्यापिकेगेर येता. मित्रत्वान. तेन्ना लोकांनी कांय म्हणलेंच नासतलें अशें दिसता तुका ? म्हज्या स्वतंत्र जीवनाक हांवे लोकांची केन्ना पर्वा केलीच ना."

"तरीय तूं विचार कर."

"आरे, आतांच तर संध्याल्या जीविताक आंकरी फुटिल्ल्यावरी जातली. तें एक जीवाक जन्म दितलें. ताजेखातीर तरी आपलें अुरिल्ले रसहीण जीवीत ओंपतलें. हें जीवीत जगतना अप्रूप आनंद ताका मेळटलो. तागेलें दुख्ख कांय अंशी निखळून पडटलें."

"हे जाले तुजे विचार. त्याच विचारांतल्यान ते वागतलें कित्यावेल्यान. आनी जें कितें घडलां ताचें फळ म्हळ्यार आपलो भविष्यांतलो आनंद-खोस हें ताका खबर आसा कित्यावेल्यान ? तो एखाद्रो एक ऑक्सिडेंट, अपघात आसूंये. ताचोय तातूंक कांय दोश नासत. दुसऱ्याचोय नासत. सहज घडून गेलें आसत. मनीस चुकता केन्नाकेन्नाय म्हुण म्हण्टां, तुजी पिशेपणा सोडून दी. संध्याक चार समजणेंची अुतरां सांग. एखादे अशेंय जांव येता. ताका हो शृगांरातलो आनंद कितें हें कळून आयला. तोच आनंद तागेलो जीवीताचो आनंद जायत."

ताका आतां खूब बरें दिसता. मनावेलो ताण देंविल्ल्यावरी जाता. खूब दिसांसान जें ताका सांगचेंशें दिसतालें तें ताणे सांगून अुडयिल्लें आसता.

"तुकां कितें दिसता विनय ? तो अपघात आशिल्लो ? न्हय. संध्यान पूर्ण विचारन घातिल्लें तें एक निर्भीड पावल आशिल्लें. तें आसत मोनें, भेड्डें. पुणून तरीय ह्या वत–पावसान ताका खूब कितें तरी शिकयलां. ताणे आपलें भविश्य नियाळलें. आनी धाडसान हो आनंद मेळोवपाचो यत्न केलो. पक्व–मॅच्युअर्‌ड, निती–अनितीच्या झगडयांत तिजें हें धाडस पूर्णत्वाक येवूकय पावना आशिल्लें. पुणून तशें जालें ना."

निमणे वाक्य अुलयतना आपल्या आवाजांत आयिल्ले अुदास जडपण तिकाच कळटा. ती आपल्या आपणाकच सांवरून घेता.

"संध्या जिकलें. आपल्या पोटांत आपल्या आनंदाचो गर्भ वाडवपाच्या कामात तें जैतिवंत जालें. तातूंक तिजी वासना विकार ना. तो तिजो एक यज्ञ आशिल्लो. ताजेकडसूनच कळळां हें म्हाका गेल्या दोनदीसांपैलीं आनी हांवें ते आपणायलां."

अुंच कड्यार अुबो रावन सकयले दोंडींत नदर भोंवडयतना फाटल्यान कोणेय धुकलचें तशें ताका जाता. ताजी नदर जमीन फोडून लिपूं पळयता.

"संध्यान आपल्या भुरग्याचो जन्मदातोय बरो वेंचून काडला."

ताका आपूण फुटून अुध्वस्त जाल्ल्यावरी जाता.

"........पुणून तरीय तो कोण हें सांगपाक ती तयार ना. म्हाका लेगीत सांगपाक तयार ना. तुमच्या दोतोरकेच्या शास्त्रांत लेगीत अशेंच आसता खंय.

आर्टिफिशियल अन्सिमिनेशनच्या वेळार वीर्यदात्याचें नांव अुक्तायनात खंय. खरें ? आपणे आपल्या आवाजांत हाडिल्ल्या कृत्रिम मेकळेपणाचेर ती खूश जाता. ताजोय घुस्मटिल्ली जीव मेकळो जाता.

खरें तर तनुल्या मनांत कवचेच्या सर्याच्यो कंवच्यो–कवच्यो करून फोडून अुडवपाचे आसता. पुणून ते तशें करीना. आनी आपणे तशे केलेंना हेंच ताका खूब बरें दिसता. ताजे आनी म्हजे नातें कसलें. तो म्हजो कोण. कोणूच न्हय ! कोणूच न्हय !! कोणूच...

" विनय, असो वगी कितें रें ? कसलो विचार करता ?"

तो अुलोवचें म्हुण अुलयता. तो केन्नांकाळ अूठून वता काय अशें तिका जाता. तो अुठून वतरीच तरी आपणाक घोघो रडून मन हलकें करूंक मेळटलें हाजी तनू वाट पळयीत रावता.

***

□ ११ □

अपूर्णताय

□ □ □

दोन दिसांपैली फ्लॉवरपॉट फुटप आनी त्याअुपरान्न दुसऱ्याच दिसा, शोभाल्या जीवनात तें तशें घडप हाचो एकमेकांकडेन तसो कांय संबंद नाशिल्लो. पुणून शोभाक तो तसो आसूंये अशें दिसूं लागिल्लें.

फ्लॉवर पॉट खूब्ब पोन्नो. पुणून तरीय अप्रतीम. दुर्मीळ. दवरिल्लेकडच्यान पडलो आनी फुटलो. कोणे हात लायलो ना. कांय ना. आनी दुसऱ्याच दिसा शोभालो पांय निसल्लो. आजमेरेन सांबाळिल्लें स्रीत्व-बायलपण भश्टलें.

दोन दिसांसान शोभाले तकलेंत एकच घोळटालें परतून परतून.

आत्महत्या. जीव दिवप.

ताचें कित्यांकच मन लागना आशिल्लें. म्हजेच जिणेंत अशें कित्याक घडलें. अशें कशें व्हावलें हांव. कितें करूं ? कोणाक सांगूं ?

तकलेंत चिंतनाचो झडमडो. प्रस्न येवून सण्ण सण्ण करून आपटताले. खिणांत अुग्र रूप घेवन तकली खावन अुडयताले.

प्रस्नच प्रस्न. मळबाक तेंकिल्ले. आनी तातूंक शोभा पुराय बुडिल्लें.

सकाळी च्यांत साकर घालूंकच तें विसरिल्लें. कपडे धुयतनाय तशेंच. खंयतरी पळयत तें कितलोसोच वेळ बसून राविल्लें. आपूण कितें करता हें विसरून.

रातचो पिक्चराक वचपाचो घरच्यांलो बेत आयकून लेगीत तें सदीच्यावरी फुल्लें नाशिल्लें.

शोभामदीं जाल्लो हो बदल घरच्यांलेय नदरेक पडिल्लो. पुणून शोभा कांयच अुलयनाशिल्लें. सांगना आशिल्लें.

शोमाली अस्वस्थताय वाडत आशिल्ली.

आत्महत्त्या. धा-बारा कांगोज गुळयो. खेळ खतम.

विचारांक घटाय येत गेली.

अुटंगाराच्या पावसांत रमेश दारांत येवन अुबो. हांवें ताका भीतर घेतलो. बसवन घेतलो. ही म्हजी चूक ?

हांव घरांत अेकटेंच आशिल्लें म्हुण दारांत आयिल्ल्यांक वच म्हुण सांगू ? आनी तशें कित्याक सांगतलें हांव. तो म्हजो ल्हानपणासानचो अिश्ट. ताका म्हजेविशीं कितें तरी दिसूं लागलां, हें हांवय जाणा आशिल्लें. म्हज्या मनातय तशेंच कितें तरी दिसूं लागिल्लें. म्हाकाय तो गेल्लो नाका आशिल्लो.

मोग ! प्रेम ! म्हळयार कितें ?

दादलो आनी बायल हांका अेकमेकांचे कुडिचें जाल्लें आकर्शण ? तशेंच आसये.

नाजाल्यार तो म्हजेकडेन एक ‘चान्स’ मागता. आनी हांव, ‘म्हजेर तुजो विस्वास ना, म्हजो मोग ना तुका ? मागीर कित्याक भियेता ?’ ह्या म्होवाळ अुतरांत निसरतां.

घरांत त्यावेळार कोणूय येवन पावूंक येतालो. तरीय हांव हें धाडस करतां.

अितलें कशें पिशें जालें हांव. खंय गेली म्हजी बुद्द ?

कितें करूं ? खंय वचूं ?

म्हजें हें घुस्मटप कोणाक तरी कळूंक जाय आशिल्लें. कोणाक सांगू ? म्हज्यान जायना हें सहन करूंक.

रमेश !

पयरमेरेन रुपनांतलो राजकुंवर दिसतालो.

सात्विक, सरळ सभावाचो, थंड तकलेचो ... आसतय तसो.

ताजो म्हजेर खरोच मोग आसा काय हें कुडिचें आकर्शण ? नागडे कुडीक वेंगावपाची वासना.

नाजाल्यार एक फावट घडिल्लें तें सहज घडलें म्हुणू येता. नाकळत. पुणून तो दुसरे फावट परतो ‘चान्स’ मागता. अर्दवर जावचे पयलींच, शी ! थू !

हाजो अर्थ एकच. ही विकृत वासना. सुण्यां-मांजरांलो हो खेळ. हो मोग हय. ही मोगाची विटंबणा.

आतमघात !

परतो एकफावट शोभाले तकलेंत तोच आलार्म घणघणलो.

ताका आतां आत्मघाताबगर दुसरें कायच दिसना जालें.

कांपोज. न्हिदेंत सासणाची न्हीद.

बाबाक हार्टाचें दुयेंस... बाबा कितलो जीव करता ... हांवे अशें केल्यार ... कितें करूं ? कितें करू !

कोणूयतरी येयात. म्हाका कितें तरी सांगात.

शोभा अुशांत तोंड लिपवन हुमसूनहुमसून रडत रावलें.

□

एक पंद्रस जावन गेल्या.

शोभान अजूनय आत्मघात करूंक ना. ताणे तो विचारच सोडून दिला.

तसो शोभान दोन-तीन फावट यत्न केल्लोय बी. पुणून बापायलो चेरो दोळयामुकार येतरेच तागेले अंवसाणच गेल्यावरी जाल्लें. मुठींतल्यो कांपोज भायर शेवटून तें बुळूबुळू रडत बशिल्लें,

खंयचेय ल्हान चलयेक पळयतरेच ताका दिस, हीच पिराय बरी. अशें कांय घडूंकच शकना.

खंयच्याय तरनाटे चलयेक पळयतरेच ताका प्रस्न पड, हागेले जिणेंत अशें कितेंय घडलें आसत काय ? काय हांव अेकटेंच अशें !

शोभान आतां एक थारायिल्लें, आत्मघात करून घेवप ना. कित्याक वगीच लोकांक नसतेंच अुलंवक संद दिवप ? फुकटचें घरच्या लोकांचेर मागीर नस्ते आरोप. चूक पातक हांवें केलां. प्रायश्चितय हांवेंच घेवंक जाय. घरच्या लोकांक कित्याक हातूंत ओडून घेवंक जाय ?

ताणे रमेशाकय कितें सांगपाचें तें थारायन दवल्लां. मोग-बीग तूं विसरून वच. हांवें तुजेर केन्ना मोग केलोच ना आजय हांव तुका ते नदरेन पळयना.

रमेशान शोभाकडेन लग्न जावपाची तयारी दाखयिल्ली. शोभाक समजून सांगपाचो यत्न ताणे केल्लो. पुणून तें कांय एक आयकूंक तयार नासलें. शोभान एकूच पालुपद लायिल्लें. ' हांव लग्नच जावचें ना. अशेंच रावतलें. '

रमेशान आपलो लग्नाचो विचार फक्त शोभाकडेनच अुलवन दाखयिलो हेंय तितलेंच खरें. शोभाल्या बापायकडेन जांव आवयकडेन ताणी हो विशय काडलो नासलो. घरांत सगळयांक तो जाय आसलो. ताणे तयारी दाखयल्यार घरची कोणूय ना म्हणचीं नाशिल्लीं. पुणून शोभाल्या न्हयकारा अुपरान्त तो वगी आशिल्लो. हीं तागेली भिजूडपणा शोभाक तोपिल्लीं.

"तुजी अित्सा आसल्यार तुंवे यत्न करचे आसले. तुवें ते नदरेन कांयच केलें ना. हाजो अर्थ किते ? "

शोभाली आशिल्ली नाशिल्ली आशेची किट्ट पालवत गेली.

शोभान सामको निश्चेव केलो.

चूक हावें केल्या... ही चूक न्हय पातक. ताजें प्रायश्चित घेवंक जाय. तेंय हांवेंच. दुसऱ्या कोणाकय ताजो हुलोप दिना आसतना.

ही भश्ट कूड आनी दुसऱ्या कोणाक ओंपप ना. हे कुडीन न्हय त्यावेळार भोग घेतला. खीणाक हांव भुल्लें. आतां हें सुख सासणाखातीर पैस करप. आंकवारच रावप.

हें प्रायश्चित्त ? न्हय.

भविश्यांतले भिरांतेकडसान पैस वचपाचो हो मार्ग. प्रायश्चित हो ताजेर दिल्लो मनभुलायणो लेप.

फुडें केन्नाय कितेंतरी कशेंतरी अुक्तें जालें. पुरिल्ल्या मड्याची घाण सुटली... तशें जावंक येता... तेन्ना म्हजें जीणें कितें ? शीलभश्टा पातकी ! !

तेन्ना तें सोसप असह्य जातलें.

त्यापरस हें बरें... आंकवार शोभा.

□

"बाबा, ही गजाल वाचून पळयात. हुंडाबळीचो दुबाव. लग्नाअुपरान्त वर्सा भीतरच एके लग्न जाल्ले बायलेक अपघाती मर्ण. मांय आनी घोवाक धल्यात."

बापायन शोभाकडेन सूचक नदरेन पडयलें. तें आपल्याक अशोच खबऱ्यो वाचून दाखयता हें बापायले नदरेंतल्यान सुटूंक नाशिल्लें.

"तुगेलो कितें लग्नाबगर अशेंच रावपाचो विचार आसा काय कितें गो ?"

"हांव म्हण्टा, लग्न जातरेच जर हेच भोग भोगचे पडटात जाल्यार बापायन आपले चलयेक लग्नांच्या माटवांत अुबी करतना आपूण एक व्हड जबाबदारेंतल्यान — जापसालदारकेंतल्यान मेकळो जालो अशें कित्याक समजूचें. तातूंन धन्यता कित्याक मानची... आनी लग्नाबगर चली अुल्यार तकलेर दोंगर कोसळिल्ल्यावरी कित्याक समजूचें ?"

"सगल्याच चलयांक अशे घोव मेळनात कोणूय आसत एकाद-दुसरो असो."

"हुंडाबळी हो आतां सदींचो जाला. तो आडवाद अुरूंक ना. आनी बाबा, भायल्यान सगले दिसूंक बरेच दिसतात. तांचे चामडेचो रंग लग्नाअुपरान्तच दिसता."

"कळ्ळें म्हाका. खूब फावट सांगलां तुवें."

"तशें न्हय बाबा. आतां हांव नोकरी करतां, स्वताच्या पायांर अुबें आसां. म्हजें वय लेगीन व्हडलें चड ना. म्हज्या मनासारको कोणूय मेळयार हांवच तुमकां सांगन म्हजी पसंती.. हाजो अर्थ वेगळो घेनाकात तुमी, तशें कांयच ना.

अर्थ अितलोच कि खंयच्याय मनशाविशीं विस्वास मनांत निर्माण जालेबगर हांव लग्नाक अुबें रावचें ना. म्हुण म्हण्टां, तुमी वगीच म्हजी पत्रिका घेवन हांगा थंय भोंवप थांबयात. "

□

फाटल्या पांच–स म्हयन्यात पांच–स जाणाकडसान जातकां परती आयिलीं. जातकां 'पडना' आशिल्लीं. शोभाक तसो मंगळबिगळ कांयच नाशिल्लो. पुणून तरीय तशें घडटलें.

ताका कारणच आशिल्लें.

शोभालें जातक 'कोणागेर दिनाफुडें दुसऱ्या तिसऱ्या दिसा थंय एक पत्र पावतालें ' चलयेक हार्टाचें जन्मजात दुयेंस आसा. तुमी हे भानगडेंत पडनाकात.'

आज पांच-स म्हयन्यांत पयलेच फावट कोणतरी चलो-तरनाटो शोभाक 'पळवंक' आयिल्लो.

शोभाक ताजें अजाप जालें. अशें कशें ? पत्र पावलें ना काय ? काय पत्र पाविल्यानच मुद्दम येता ?

पळवपाची कार्यावळ सोंपली. तो वेळ मेरेन शोभा मख्ख चेऱ्यानूच वावुल्लें. ताका केन्नाकाळ हें सगलें सोंपता काय जाल्लें.

आयिल्ले लोक परतूंक लागले. शोभाली नदर सहज चल्याभुरग्याचेर गेली. आनी ताका खऱ्यानीच तो आवडलो.

आवडलो ! कितें आवडलें म्हाका ? शोभान स्वताकच प्रस्न केल्लें. चेऱ्यान सगले सारकेच दिसतात मागीर मात्र तांचो सभाव कळटा अशें हांवूच म्हण्टालें. आता तशें जांव येना ? प्रस्नाची जाप निश्चित नासली पुणून शोभाक दिसतालें, अशें जावचें ना. तो सभावानूय बरोच आसतलो.

शोभाल्या विचारांत बदल जायत गेलो. वागण्यात बदल जायत गेलो.

ताका हांव पसंत पडन काय ? समजा ताणे पसंती कळयली जाल्यार हांव कितें करतले ? तयार जातलें लग्नाक ?

ताका दिसलें, आपूण लग्नाक तयार जातलें.

ताणे थारायलें, न्हयकारप ना. न्हयकारप सारकें जावचें ना. हयकारच कळवप. ही एकूच संद घेवप. लग्न जाल्यार हाजेकडेनच. नाजाल्यार केन्नाच जावप ना.

दर दिसा शोभा पोस्टमनाली वाट पळयतालें.

आज आयल्यार पुरो पत्र. हांव पसंत आसल्यार पुरो. देवा म्हज्या मनासारके जांव रे !

एकेक दीस वचत आशिल्लो. नवो दीस नवे आशेन अुदेतालो आनी अुदास जावन पडटालो.

आठ–धा दीस गेले.

शोभाल्या काळजांत आजूनय आशा धुगधुगताली. देव सदींच म्हजेर अन्याय करचो ना. एक दीस तरी दोळे अुगडटलो.

पुणून शोभालो बापूय निर्शेलो. ताणे परते हांगा थंय हेलपाटे घालूंक आरंभ केलो. पुणून शोभाक ताजी कांय जाणवीक नासली.

एकदोन कडेन पत्रिका पडून आयल्यो. 'चलयेलो फोटो धाडून दियात' म्हुण रकाद आयले.

आनी शोभाक जेन्ना हें कळ्ळें तेन्ना ताणे आपले आशिल्ले नाशिल्ले फोटो पिदून अुडयले. नवे फोटो काडून घेवचेंच ना म्हुण तें खटून रावलें.

"हांव परतें परतें म्हजें म्हाकाच दाखवन घेवचें ना. एकटो पळवन गेलो. पसंत पडलें, हांव तयार आसा लग्नाक. ना जाल्यार सध्याक तरी म्हजो विचार तुमी तकलेंतल्यान काडून अुडयात." ताणे बापायक स्पश्ट सांगून दवरिल्लें.

पंदरा दिसांनी पत्र आयलें. चली पसंत. फुडली अुलोवणी करपाक येयात.

खूब दिसांनी शोभा प्रसन्न हांसले. आपले आपूणच.

लग्न थारलें.

खरें तर अुमेदिच्या ल्हारांर नाचपाचे शोभाचे दीस आसले. पुणून दीस लागी येतां येतां अुमेदिची सुवात नवे नवे काजळेल्ले प्रस्न घेवंक लागले. ताजी घुसमट वाडत गेली.

हें सारकें न्हय. हें आनीक एक पातक. हांव भश्ट. दुसऱ्याक फटवूंक पळयतां.

लग्नाअुपरान्त लेगीत एक भिरांत म्हाका मेडसाओत रावतली.

वैवाहीक जिणेत लेगीत हांव खंयचोच आनंद पूर्णाशान घेवंक पावचें ना. दिवूंकय पावचें ना. म्हज्या म्हाकाच चोर कशें जातलें.

त्यापरस ही जीण बरी. ख्यास्त भोगपाची. तातूंतय एक आनंद आसा.

श्रीनिवास-जाचेकडेन हांव लग्न जांवक तयार जालां ताकाच हें सगलें सांगल्यार ? खरें खरें सागपाचें. जशें घडला तशें. कितें जायत ? लग्न मोडत. मोडूं! आनी तें आयकूनय ताणे लग्नाची तयारी दाखयली जाल्यार ? तशें घडूं येता ?

कितेंय जांव. ताका हांवे फटयलें अशें जांव नजो. ताजे कडेन ओकून अुडवप.

□

शोभालो रकाद श्रीनिवासाक मेळिल्लो. आनी म्हुणच तो शोभालें ऑफीस सुटपाची वाट पळयीत ऑफीसालागीं राविल्लो.

ऑफीस सुटलें. श्रीनिवासाल्या तोंडार नदर पडटरेव शोभाल्या काळजांत

धडधडिल्ल्यावरी जांवक लागलें.

तणजेसान मिरामार पावता मेरेन तर धडधडप वाडतच गेलें. आपलो विशय श्रीनिवासाकडेन कसो मांडचो हें तें सकाळसान थारयीत आसलें. पुणून आता ताका आपली विशयाची मांडाय विस्कटिल्ल्यावरी दिसूंक लागली. आंगात कडकडो भरिल्ल्यावरी जांवक लागिल्लें.

हेवटच्यो तेवटेच्यो, घराकडच्यो–ऑफिसांतल्यो खबरो जाल्यो. शोभाक विशयाकडेन येवपा नदरेन अुलवणी करचीं पडटालीं तर श्रीनिवासाक अुलवणें चालू दवरपा खातीर विशय सोडून काडचे पडटाले.

"हय. खरें तर हांवेंच तुका पयलीं पत्र बरवपाचें. बरवचेंशें दिशिल्लेंय बी. पुणून म्हळें, तुमच्या घरच्यांक तें आवडत–नावडत ... तुजें पत्र पळवन म्हाकाच लज जाल्ल्यावरी जाली."

श्रीनिवास.

"लग्नापैली दोगांकय एकमेकांची वळख आसप बरी अशें दिसलें एकामेकांल्यो आवडी–आंवढे कळप बरें. एकामेकांले जिणेंतल्यो बऱ्योवायट घडणुको बरे वायट गुण हांची एकमेकांक वळख आसप खूब बरें. तुमी एकाद्रे रेडिओचेर एक श्रुतिका आयकयिल्ली आसतली. लग्ना अुपरान्त घोव–बायलांक रोकडेंच कळून येता कि, दोगांल्योय आवडी–आंवढे, खंयच्योय घडणुकेंकडेन पळवपाची नदर सामकी वेगळी. साम्य कांयच ना. तेन्ना घोवाक दिसता, आपुण सामको फटवलों म्हुण. ... आमचे बाबतींत अशें जांव नये अशें दिसता ..."

शोभा.

"खरें तुजें. तुका म्हजेविशीं माहिती ––"

"तशें न्हय. म्हाकाच थोडें अुलोवचें आसलें. कितें सांगचें आसलें."

"तशें जाल्यार अुलय. सांग. आयकुंयां तरी."

तो मंद हांसलो. शोभा मान सकयल घालून पायांबोंटानी रेंव अुस्तीत रावलें. श्रीनिवासानच मागीर अुलवंक आरंभ केलो.

"तुका एकाद्रे कितेशेंच दिसत. पुणून म्हजो जातकाचेर पूर्ण विस्वास आसा. जातक बरें पडलां. म्हण्टरेच हुसको ना. दुसरें, म्हजो म्हज्या दोळ्यांर विस्वास आसा. तुजेविशीं खबर करून घेवची अशी म्हाका केन्नाच दिसली ना. मनशाक पळवन हांव मनीस बरो काय वायट वळखूंक शकतां. तूं म्हाका बरें दिसलें. तिसरें, लोकांक तूं कशें दिसता हाजेर हांव विचार करपी मनीस न्हय."

श्रीनिवासाल्या अुतरांतलें मोळेपण पळवन शोभा घुसपलें. हाका कशें सांगू ?

"तें...सारकें. पुणून तें तुमच्या मनाचें व्हडपण."

जें अुलवपाक जाय तें ओंठार येना जालें. कितें तरी अुलवूंक म्हण तें अुलयीत

गेलें.

" आज जंय थंय हुंडाबळीविशी आयकूंक येता. वाचपाक मेळटा. मन खंयतरी भियेलां. हें भंय काडटलें. म्हळ्यारय वचना .. खरें तर लग्नाविशी म्हज्या मनांत भिरांतच चड आसा. लग्नाचो विचारच नाशिल्लो म्हजो. मनाची तितली तयारीय जाली ना."

" शोभा, मनशान अितलें सेंटिमेंटल आसचें न्हय. म्हज्या व्हडल्या दोन भावालीं लग्नां जाल्लीं आसात. हुंड्याखातीर आमी केन्नाच व्हकलकारांक ताणून धल्लेंना. हुंड्याखातीर आमी केन्नाय लग्नां मोडली ना. तूं हें भंय मनातल्यान काडून अुडय."

" तुमकां राग येवंक फावो. सॉरी हां. म्हका तशें म्हणपचें नासलें. ... वगीच हुंडाबळीचेर पावलें. सॉरी हां. .. म्हळयार म्हजें ... म्हाका ... म्हज्या भावाचें आंग अुजळल्लें आसा. आंगार धवे – कोडाचे दाग आसात म्हुण...

तें आपलें आपुणच नेर्व्हस जालें. परतीं अुतरां ओंठार येवन फाटीं फिल्लीं.

"आमी हें सगळें जाणात. तूं हें तकलेंतल्या काडून अुडय पळवया."

शोभाल्या विचारांचेर श्रीनिवास मनांतल्या मनांत हांसलो. तें नेर्व्हस जाल्लें पळवन तर ताका कितेशेंच जालें.

" म्हाका नाटक सिनेमाची खूब आवड. आर्ट फिल्मां तर हांव मुद्दम पळयतां. तशींच नाटकां. नाटकांत केन्ना केन्ना कामाय केल्यांत हावे.'

" तशें जाल्यार बायल खूब बरी मेळ्ळी म्हणची पडली."

" तशें न्हय. लग्नाअुपरांत ह्या आवडींक लागून संशय वाद–– "

" तूं कांय भिये नाका. हांव केन्नाय माचेर चडलों ना जायन पुणून नाटक पिक्चर म्हाकाय पळवंक आवडटात, एक रसिक जावन. "

अशेंच न्हयनसल्यां विशयांचेर बरोच वेळ संभाशण जालें.

वेळ बरोच जाल्लो. दोगांय अुठलीं. शोभा घरा वचपाक म्हुण बशींत चडलें. बस हाल्ली. श्रीनिवासालो निरोप दिवपी हात बशीच्या फाटल्या काचेंतल्यान तें दिसतामेरेन पळयीत अुल्लें.

हें अशें कशें जालें ? कितें अुलोवपाचे तयारेन गेल्लें आनी कितें अुलयलें ! अुतरां जुळयिल्लीं, वाक्यां पाठ केल्लीं, सगळी तोंडातल्या तोंडानच अुल्लीं. अुतरां भायरच सल्लींच ना.

अशें कशें जालें ?

घरा पावतामेरेन ताका ह्या प्रश्नाची जाप मेळ्ळीच ना.

□

शोभा श्रीनिवासालें लग्न जावन चार – पांच म्हयने जाल्या. दोगायलें बरें

चल्लां. एकामेकांक समजून घेवप, चूक मान्य करप, दुरूस्त करप.

मुकावल्यान येंता तो जोडो तोच. शोभा – श्रीनिवास. पिक्चराक वचून परतल्यां तीं. हें पिक्चर शोभान पयलें पळयिल्लें.

"आवडलें पिक्चर ?"

शोभा. चेऱ्यार अुमळशीक.

" आसा सादारण."

" म्हाका खूब आवडलें."

"आवडपाचेंच. शेवट नायिकेन जीव दिलो न्हय. लोकांल्या दोळयांत अुदक हाडलें. कौटुंबिक – हृदयस्पर्शी –"

" तितलें फोकाणा मारपासारकें ना तें. हांगा नायिकेक कथाकारान आत्महत्या करूंक लायलीना. ती आपूण आत्महत्या करता. तिजी आत्महत्या हें कथेचें नातोड आंग. शेवट तसोच जांवक जाय आसलो."

" ना जाल्यार पिक्चर कसो चलता आशिल्लो."

" पळय, नायिकेलो आत्मघात खंयच दिसना. ती अितली सेन्सिटिव्ह आसा की तिणे आत्महत्या केली नाजाल्यार तें विसंगत दिसता आशिल्लें. म्हज्या मनान तिज्यामुकार दोनूच मार्ग आशिल्ले. एक आत्मघात. दोन घटस्फोट. कथेचो तिसरो शेवटच आसूं येना "

"आत्मघात. जीव दिवपाचोच आशिल्लो जाल्यार, जेन्ना पळय तिगेलो नाकळत पांय घसरता, शीलभ्रष्ट जाता तेन्ना दिवपाचो. तें सोबता आशिल्लें."

श्रीनिवासालो कोणाकूय पटपासारको मुद्दो.

" त्या वेळार तिग्ल्या मनांत जीव दिवपाचे विचार घोळटात. पुणन तशें घडना आनी त्या वेळार तिणे जीव दिलो ना म्हुण मागीर दिवचो न्हय अशें गणीत मांडू जावचें ना. मनशाल्या मनाचीं गणीतां अितले सोपे रीतीन मांडूंक आनी सोडोवंक येनात. हो गुंतो खंयचो धागो वडल्यार गुंतो सुट्टोलो आनी खंयचो धागो वडल्यार गुंतागुंत वाडत वतली म्हुण सांगप कठीण. म्हाका दिसता, एक वेळार घोवान घटस्फोट दिल्यार, मारून – बडवन घराभायर घातल्यार ती आत्मघात करना आशिल्ली. आपल्या कर्माचें प्रायश्चित म्हुण तेंच भोगत रावत आशिल्ली. पुणून तो तिगेलो घोव, – सुधारक विचारांचो म्हणपी, बायलांल्या हक्कांखातीर झगडपी सामको अडाण्यावरी वागता – हेंय ह्या पिक्चरांतली एक विसंगती दर्शन. तिजेर व्हडले अुपकार केल्ल्यावरी वागता. सदींच तिगेल्या पातकाची याद करूक दिवंक धन्य समजता – हेंच तिज्यान सोसूं जायना ! "

शोभा नायिकेली कूस घेवन पूर्ण समरस जावन अुलयता.

" तें आसूं. पुणून ते नायिकेक – सीमाक आपल्या जीवनात घडिल्लो –नकळत

घडिल्लो अपघात घोवाक सांपागची गरजच नाशिल्ली. ताणे कांय तिजेर संशय घेतलो नाशिल्लो. स्वताच घोवाक सांगप आनी स्वताच आत्मघात करप विचित्र दिसता ...... तिका कितें घोव आयकून आपणाली तुस्त करतलोशें दिसलें ?''

''ती आपली हिस्टरी घोवाक कित्याक सांगता होच तर विचार करपासारको प्रस्न. ती अितली निर्मळ मनाची आशिल्ली कीं आपले पाप लिपवन दवरप म्हळचारच आनी एक व्हड पाप करप अशें तिका दिसतालें. आपलें पाप अुक्तायना आसतना आपूण ओवाक फसयतां अशें तिका दिसलें. आनी त्याच विचारांनी ती चड अस्वस्थ जाली. म्हुण फुडल्या खंयच्याच परीणामाचो विचार करीना आसतना तिणे सगलें घोकून अुडयलें.''

''घोवाल्या विसंगतीविशीं तूं जे म्हण्टा तें खरें. ताणे तशें वागप हेंय चूक दिसता.''

''कोणे कशें वागप हो जाचो ताचो प्रस्न. सीमा वागली तशी प्रत्येक बायल वागतलीच अशें ना. पुणून थंय तिगेल्या घोवाली वागणूक आदर्शवादाक घल्ल्यार वांकडी दिसत. पुणून आज दर एकटो दादलो घोव म्हण असोच वागतलो. तो मागीर कितलोय, शिकिल्लो, सुदारिल्लो आसूं.''

शोभाच्या अुतरांत उंटाची तिरपी चाल आशिल्ली.

''हें पळय तूं दादल्याचेर निसल्लें. आतां हांव घोव. हांव तसो वागतलों काय कितें? ना. तशें जाल्यार म्हजे विचार सामके वेगळे. कुडिची भूक सगल्यांकूच आसता. दादल्यांकय-बायलांकय, दादले आपली भूक भागयतात. वेश्यो जल्माक आयल्यो दादल्यां लागूनच. दादल्यांनी लग्नापैली वेशेलीं सोपणां चडल्यार भौसाक कांय व्हडलें वायटशें दिसना. पुणून चुकून अपघातान जरी चलयेलो पांय निसल्लो जाल्यार तिका सामकी 'तसली' च म्हुण समजतात. अशें कित्याक? अशें जांव जायना!''

श्रीनिवास मनांतल्यान अुलयता अशें दिसतालो.

''सांग तूं.''

शोभाल्या मनांत आशेचे कीर्ण अुदेवूं लागिल्लें.

''म्हाका दिसता हो विचार दादल्यांनी करूंक जाय. हांगा सीमाली चूक हो अपघात आशिल्लो. अपघातान घडिल्ले चुके बद्दल लेगीत ती आपल्या आपणाक भोगशिवूक शकता. ती पतीत न्हय. म्हण सीमाल्या घोवान तशें वागप चूक म्हुण म्हण्टा हांव!''

''घोव तूं सांगता तसो वागल्यार तो चिल्लर-सुखान्न पिक्चर जाल्लो. वास्तवांत अशें घडना''

शोभा शादूरसाणेन सोद घेता. श्रीनिवासाल्या विचारांचो-मनांचो. मानसिक तयारेचो.

" तूं तुका जाय तशें अलयता. सीमान आदर्शवादी अवास्तव वागल्यार जाता पुणून घोवान तशें वागल्यार मात्र जायना. तेन्ना तो चिल्लर पिक्चर जाता. तेन्ना वास्तवात घडना म्हूण म्हण्टा तूं ? "

" हें पळय, दादल्यांनी जे नदरेन विचार करूं जाय अशें तूं म्हण्टा तसो तूं वागशी ? "

आडकातरेंत धरिल्ले सुपारेवरी शोभा श्रीनिवासाक पळयता.

" केन्नाय. म्हुणूच तर हांव तुजेकडेन वाद घालतां. "

श्रीनिवासाल्या अुतरांत खर आत्मविस्वास.

" सीमाले जिणेत घडिल्यावरी अपघात म्हजेव जिणेंत घडला-घडिल्लो. "

शोभाल्या काळजांत मायर आयकूंक येवपा अितली धडधड. तिची नदर श्रीनिवासाचेर पडली. मेकअप पुशिल्ल्यावरी ताजो चेरो एकदम अुतल्लो. तो घामेल्ल्यावरी जालो. शोभा कांचवेलें, आपूण मायणांर पांय दवरतां हें रोकडेंच ताका कळ्ळें. ताणे आपणाक शादूर केलें.

" पळय, निकटे कल्पनेनच तूं अितलो भियेलो आनी खरेंच घडल्यार कितलो भियेता आसलो. मुद्दो घडपाचो नाशिल्लो. पटवपाचो आशिल्लो. "

शोभान खळखळून हांसपाचो यत्न केलो. पुणून ताका तें तितलें जमलें ना. ताका दिसलें नाटकांत अभिनय करप खूब बरें.

" खरेंच तशें कांय ना म्हगो. "

श्रीनिवासाल्या आवाजांत थंडकिरांव भंय आनी नदरेंत संशय.

तेन्ना मात्र शोभाक खऱ्यानीच हांसचेशें दिसलें.

श्रीनिवासालें समाधान करपाखातीर शोभाक यत्नान अभिनय करचो पडलो.

" तशें कॉऽयच ना. विस्वास दवर तूं म्हजेर ! "

शोभाल्या आवाजांतल्या मेकळेपणान ताचें समाधान जालें. ताका विस्वास आयलो.

" हें पळय अशी नाका जाल्लीं फोकाणा नाकात. तुगलीं भुरगेपणां जाणा हांव. पुणून परतें अशें नाका. कानांतल्यान अुजो गेल्ल्यावरी जालें. पोटांत झेल घातिल्या वरी जालें. आता तो विशय नाका. पिक्चर नाका. दुसरें कितेंय अुलय. "

श्रीनिवासालो चेरो, आवाज निवळत गेलो.

आतां अुलवण्यांत शोभाक रस अुल्लो ना.

श्रीनिवासान दुसऱ्याच विशयाचेर अुलवूंक आरंभ केलो.

□

ते रातीन शोभाक न्हीद लागलीच ना. आनी त्या दिसासान रातीन न्हीद लागना आसतना रावपाचो रोगच ताका लागलो.

एक अपूर्णताय शोभा अणभवत रावलें. ***

□ १२ □

अजय

□ □ □

पत्त्यावेलें घर सोदून काडपाक अविक चडसो त्रास पडलो ना.

सराफगल्ली–बेळगांव. रिक्शावालो पावयन गेलो.

हांतांतलो पत्तो दाखयिल्ल्या पयल्याच मनशान अविक दारांत हाडून पावयलो.

डोरबेल वाजयली.

"येतात, भीतर येयात."

पंचावन्न–साठच्या हुंबरार आशिल्ल्या गृहस्थान दार उक्ते केलें. अनवळखीपणानच अविक येवकार दिलो.

"म्हाका वळखचे ना तुमी. अजय–अजय रायकर म्हुण हांगा कोणी आसता–रावता ?"

तो गृहस्थ अदीक बारीकसाणेन अविक नियाळत आसलो.

"तूं अजयाक सोदूंक आयला. खंयचो तू ?"

त्या गृहस्थालो निर्विकार चेरो अविक गोंदळयतालो.

"हांव काणकोणचो. अजयालो मामा."

"म्हाका दिशिल्लेंच. तुमच्या आनी अजयाल्या चेऱ्यांत खूब साम्य दिसता. अजय हांगाच आसा."

अविन मेकळेपणान स्वास घेतलो. हेवटेन तेवटेन पळयलें. अजय, तो खंयच

दिसलो ना.

"भीतर आसा दिसता ! "

"ना, तो दुकानार आसता... मीना अजयाक मात्सो आफवान हाड गो. मामा आयला म्हुण सांग."

एक तेरा–चवदा वर्सांची चली, साखरपुडयाक आयिल्ल्या नव्या भावोजीक नियाळपाचे नदरेन अविक पळयीत भायर धांवली.

"जय सांगतालो, काणकोणा आपणालो मामा मावशी आसतात म्हुण. दोन वर्सां जालीं तो हांगा आसा. पुणून केन्नाच ताणे तसो काणकोणबी वचपाचो विशय काडलो ना. हेंच घर जालां तागेलें आतां."

"आमकां कांयच खबर ना. तो खंय आसा ? कितें करता ? म्हयन्यापैली तागेले आईलें, सवती आईलें पत्र आयिल्लें. तातूंक तिणे तो हांगा आसा म्हुण बरयिल्लें. पत्तोय दिल्लो.

"पुणून अितलो तेप तुमी ताजी खबर घेवपाचो कांयच यत्न केलो ना ? "

"चार वर्सांपैली अजयागेरची मण्डळी कारवार आसताली तेन्ना अजय येवन वचून आमगेरच आसतालो. मागीर ताणी कारवार सोडलें. तेन्नासान तीं खंय आसात कितें करतात म्हुण कांयच कळना जालें. खरें तर भावोजीन तरी पत्रांतल्यान संबंद दवरपाचो."

"वर्सभर पैली लग्न जाल्लें ते तुमचेंच काय दुसऱ्या भावाचे ? "

"ना. म्हजेंच."

"जयाक म्हणिल्लें आमी, तुगेल्या मामालें लग्न बी जालें खंय म्हरे. तूका आफवंक कोणच आयलो ना."

फुडें बशिल्लो मनीस गरज नासतना आपणाक कित्याक खरजेच्या आंगार बुरकिता म्हुण अविक कळना जालें. आपल्या लग्नावेळार अजयागेरच्यांलो पत्तो मेळवपाक आपणेन कितले यत्न केले ते आपूण हांका सांगून कितें अुपेग म्हुण तो वगीच बसून रावलो. बेजारूनसो.

"... जांव बरें दिसलें. जयाक लागीचो रक्ताचो कोणीतरी आसा म्हुण. खरें तर तुमी आयिल्ले पळवन जयापरसय म्हाका चड आनंद जाला."

"अजय आतां मस्ती बी करता कांय ना ? "

"अजिबात ना. तो मस्ती करतालो हें तुमचे कडसूनच पयलीं आयकतां हांव."

"मात्शें सवल्यार पुरो आशिल्लें, दीसभर अुपाशी पोटार रावतालो. जेवतना लेगीत जेवणाच्या ताटावेल्यान अुठून वतालो मनाआड कितेंय घडल्यार घरांतल्यान नाऽ जातालो. तेन्ना णव–धा वर्सांची पिराय ताजी. तागेली आवय–म्हजी भयण भायर पडली तेन्ना हो दोन–अडेच वर्सांचो पुणून तरीय आपल्याक आवय ना, आसा ती आपली आवय न्हय हें ताका खबर आशिल्लें.

कोल्हापुराक सवती आवयक सतायता म्हुण ताका आमगेर हाडून दवरिल्लो. थंय अशेंच करतालो खंय. तशें जाल्यान आमी भियेल्ले ताका. नाजाल्यार आमच्या वांगडाच अुरपाचो तो. व्हडल्या मामागेर एक फाइट व्हेल्लो ताका, पणजे. थंय एकटचालो फातर मारून दोळो सुजयलो. आमचे बरोबर एक वर्सभर आशिल्लो तो. तेन्ना थंयच शाळेंत घातिल्लो. थंय दियार भुरग्यांक बडवप. सदींच लोकांल्यो कागाळचो. एक दीस सगल्या भरग्यांक बडवप. सदींच लोकांल्यो कागाळचो. एक दीस सगल्या भुरग्यांनी एक जावन ताकाच बडयलो. वेल्यान हो किते म्हण्टा जाणा, आपणान तांका बडयल्यार ते रडटा–आशिल्ले म्हुण वग्गी रावलो... धाडशीय तितलोच. हागेल्या बापायलें घर तोडूर. तेन्ना जय आमगेर आशिल्लो आनी बापूय कोल्हापुराक. आमगेर मस्ती करता म्हुण हाका तोडूर आजोळा पावयलो. जाल्यार दुसरे दीस हो एकटोच थंयसान चलत कारवार आनी कारवारसान बशीर काणकोणा. तोडूराक कांय खबर ना. मागीर हांवें वचून तांका कळयलां. एक वर्स अुपरान्त मावोजीन कारवाराक बिराड केल्लें. तेन्नाय हाणे तशेंच करप. मनांत आयल्यार पुरो. हो कोणाक सांगनासना काणकोणा... वर्स–दोन वर्सां नाका जीव करून सोडलें ताणे आसकां."

"तुमी सांगता म्हुण आमी खरें म्हुणूं जाय. नाजाल्यार हांगा येतसान अेकय दीस तो असो वागलो ना. अुलटें ताणें कितेंय मस्तीपणा करची अशें केन्नाय दिसता म्हाका... आतां तो घरांत नाजाल्यार आमकां, चुकलें चुकलेंशें जाता."

तो गृहस्थ–दत्तारामदाद–अुलयतालो सादेंच. थंडसाणेन पुणून अविक ते खंयतरी रोंबिल्ल्यावरी जातालें. कित्याक म्हुण कळना आशिल्लें.

अितल्यांत अजय आयलो.

भीतर कोण आसा हाजो अदमास घेत तो येतालो. आपणाली फकाणा मारतात दिसता, अशे नदरेन तो भीतर सरतालो. ताजी नदर अविचेर पडली.

अजय घुस्मटिल्ल्यावरी जालो. पुणून हांसलो ना. तीन–साडे–तीन वर्सां अुपरांत अवि ताका पळयतालो. आपणावरीच अजयाक खोस जातली अशें ताका दिशिल्लें. पुणून अजय हांसलो लेगीत ना. अवि नेर्व्हस जालो.

तीन–चार वर्सांत अजयामदों व्हडलोसो दृश्य बदल जावंक नासलो. अुंचाय मात्शी वाडिल्ली. अितलेंच.

"अजय, वळखलो म्हरे."

"हय."

अितलेंच अुलवन तो थांबलो आनी खंयतरी नदर लावन वग्गी बसलो.

"जय, कितल्या तेपान मामा मेळटा म्हरे. कितेंय अुलय म्हरे मामाकडेन."

दत्तारामदादान ताका समजायलो.

"कितें अुलवूं ?"

अजयालो प्रश्न अविक घुसमटावन गेलो.

"किते अुलवूं हांव. कितले अुमेदीन आयिल्लों आनी हो अशें किते अुलयता ?"

"काणकोणची याद येना रे ? "

अवि.

"ना ! "

नदर चोरत अजय अुलयलो.

–तीन–चार वर्सां आमी हाची कांयच याद केलीना तर हाका कित्याक याद अुरची आमची ? भुरगेपणात दुसऱ्यागेर रावचें पडप, घरचे कोणेय ताजी खबर घेवप ना, आवय– बापायले प्रेम ना हाजो अितलो परिणाम जालो हाच्या मनार ?

"कोणालीच याद येना रे ? "

"आजेली याद येना."

"मावशी–मामाली याद येना ? "

अजय कांयच अुलयलो ना. ताणे मानेनच हयकार दिलो.

दत्तारामदाद थंयच आसलो. तागेली चली मीना, बायल, सगलीं आसलीं. सगळ्यांमुकार अविक अुगडो करूंक सोदतल्यावरी अजय अुलयतालो.

"राजनाले शाळेची सहल बोंडला वचपाची आशिल्ली आनी त्या दिसा आमकां कोणाक सांगना आसतना, आमी अुठचे पयलींच तूं राजनाले बशींत वचून बशिल्लो. आमी तुका सोद–सोद सोदलो आनी मागीर कळ्ळें तूं राजना बरोबर सहलीक गेला म्हुण. त्या दीस सहलीसान येतरेतच हांवे तुका अुपशीच्या शिपटान बरोच बडयिल्लो आनी तेन्ना तूं हां–चूं करीनासतना, दोळयांतल्यान एकय दूक अुडयनासतना न्हिदिल्लो. याद आसा ? "

अविन आपल्या काळजांत रोंबून बशिल्ली याद अुक्तायली. अुलयतां अुलयतां ताणे दोळ्यांवेल्यान लेस भोंवडायलो.

अजय वग्गी आसलो. जमनीक नदर तोपून.

"असल्यो यादी आमचेमुकार केल्यार तो कितें अुलयतलो ? अितल्या दिसांनी भेटले अुपरान्त असल्या यादींची याद दिवप... "

–दत्तारामदादा अितल्या थंड अुतरांनी ताजी बाजू घेवन म्हाका कित्याक समजायता ? हांव ताजो कोणूच न्हय ? म्हाका कांयच कळना ?

अवि प्रत्येक वेळार घुसमटिल्ल्यावरी जातालो.

"ना. हें म्हजे तकलेंत घट्ट रोंबला. अितलो ल्हान भुरगो, दुकां काडिना आसतना, रडना आसतना चुपचाप मार सहन करता. हें म्हजे तकलेंतल्यान वचूंना."

अविली नदर आजूनय अजयाचेर आसली.

मदींच च्या आयली आनी अजयाक भीतर आफयलो.

"अजयाक एक पंदरा दिसांखातीर काणकोणा आफवन व्हरपाक म्हुण

आयिल्लों."

बशेंतलो शेव तोंडात अुडयता अुडयता अविन विशयाक हात घालो.

"हं."

दत्तारामदादान फक्त एक हुंकार दिलो. सकयलेनदरेन च्या पिवप ताचें तशेंच चालू आसलें.

"आतां आमकांय फिर्याद पडल्या. अजयालो व्हडलो मामा मावशी सगळीं घराकडेन आयिल्लीं आसात. भुरगींय आयल्यांत. ताका सगळी जाणां मेळटलीं."

"हं."

दादान आनीक एक हुकार दिलो. आनी च्याचो रितो कप सकयल दवल्लो.

"तुमचे बरोबर जयाक धाडूंक म्हाका आनंदच दिसतलो. ताका आपलो रक्ताचो, लागोचो असो कोणीतरी आधाराक मेळ्ळा, तुमच्यारूपान. पुणून..."

तो कांयवेळ अुलवचो थांबलो...

"तुका जय हांगा कसो पावलो हें खबर नासये. जयालो बापुय–तुमच्या भावोजीलो दोन अडेच वर्सांसान कांय ठाव–ठिकाणो ना. बाजारांत म्हुण गेल्लो घरा परतलोच ना खंय. खंय आसा, कितें करता हाजी आजूनय खबर ना."

"जाणा हांव. अजयाल्या आतांचे आईन पत्रांत बरयिल्लें म्हाका. ह्या पांच-स म्हयन्यांक पत्रां येतात तिचीं."

"आनी कितें बरयिल्लें ?"

"हेंच. आपुण कसो तरी संसार फुडें धुकळटां. अजयाक हांगा दवल्ला. आपणेय खंयतरी ल्हानशी नोकरी धरल्या. भावय थोडीभोव मदत करनात खंय. गेल्या पत्रांत तिणे आपुण सम्की अडचणेंत पडिल्ल्यान, शक्य आसल्यार एक पांचशें रुपय धाड म्हुण बरायल्ले पयरच एक पत्र आयिल्लें."

"हेंच खरें. तिका फक्त पैशांचो सोस. तिका पैशे जाय म्हुण अजयाक शाळा सोडची पडली. एक वर्सभर ताणें बेकरींत लेगीत काम केलें. हमालासारकें. बारा वर्सांच्या वयार, हांगा आयिल्लो तेन्ना जयाक आनी पळवचो नाशिल्लो. पापामडें सामकें. कोणूच शेट ताका मांडार बसवन घेवंक तयार नासलो. मागीर आमी दवरून घेतलो. जयाली सवती आवयच घेवन आयिल्ली ताका. तीय आमची अविले पयसल्ली नातलगाचीच. चार म्हयन्यांनी परत आयली. दर म्हयन्याक शंबरेक रुपया आपणाक धाडून दियात म्हुण सांगपाक. आम्ही धाडून दिले ना. परत आयली. आपुण तांका कोल्हापुराकच मांडार बसयता म्हुण सांगपाक. आमी ताका धाडलो ना. पुणून तिका मात म्हयन्याक पन्नास पन्नास रुपय धाडून दिले. दितात. कामाक शिकूक दवरिल्ले कडेन कोणच भुरग्यांक पगार दिनात. आमी दिले. ही हांगा एककडेन आशिल्लो एकच कडेन उरूं. कामधंदो सारको शिकूं. आवयबापूय नाशिल्लो भुरगो ! जय हांगां येतसान आमी ताका कोल्हापुरांत धाडलो ना. ही

व्हरतलीं आनी चड पैशे मेळटात म्हुण खंयतरी दवरतली. धड हेंय काम ना आनी खंयचेच काम ना. जयालो सत्यानाश ! जयच कोल्हापुरात वचपाक तयार ना. एक फावट तागेली आवय येवन व्हडलें झगडें करून गेली. 'तूं मेलो म्हुण समजता हांव. बेमान खंचो ! अशें सुद्धां ताका सांगून गेली... सांगपाचें म्हळ्यार जयाक आमी कोल्हापुरांत धाडलो ना. आनी तसलेकडेन काणकोणात कशें धाडूं फट् करून. तिका–तागेले सवती आवयक कितें दिसतलें. .आमी ताका काणकोणा धाडूंच पुण तूं आयलो आनी घेवन गेलो अशें जांवक जायना...शिरोडचा कामाक्षेच्या अुत्सवाक दर अुमाशेक वतात. आज तय आनी धा–एक दीस आसात. त्यावेळार हांव हाडून पावयतां ताका काणकोणां."

अविक तागेलो पर्याय वायटसो दिसलोना.

"पळयात तुमी. तुमचे अिच्छेचेर अवलंबून आसा. म्हजे बरोबर धाडल्यार म्हाका चड आनंद जाता आशिल्लो, अितलेंच."

"दुसरें म्हळ्यार, आतां लग्नाचो सिझन ; कामाचो पेलो. म्हुणन एक पंदरा दीस वचू."

दादान ताजेमुकार आनी एक अडचण दवल्ली.

□

काप्या फणसाचे कुडके घेवन घरे वडीत सगळीं भुरगीं वाटकुळीं बशिल्लीं. जय, मृणाल, रानी, राजन. घरे रूचीक आनी जय आशिल्ल्यान सगल्यांक एक नवीच अुमेद आयिल्ली.

"घरांत कोण कोण आसात रे अजय ?"

मामीन आदोळेर बरकयचे अर्द चिरलें.

"दाद म्हळ्चार तागेलो मालक, भाई म्हळ्यार दादालो चोवीस-पंचवीस वर्सांचो चलो. मीना चली. अजयायेदोच बाबू हो आनीक चलो. आसात विशेक वर्सांचो, माँ म्हळ्चार दादाली घरकान्न."

अविन स्पश्टीकरण केलें.

"सगली बरीं करतात म्हरे तुका ?"

मामान काथ्यान बरकयेचो दीक पुसलो.

प्रस्नाची जांप अविनच दिली.

"घरांतल्यासारकींच वागयतात ती अजयाक. अजयानच सगळें घर फिरवन दाखयलें म्हाका. जेवतना बी तांचे बरोबरच जेवता तो. भाईल्या भयणीले लग्नाचे फोटो पळयिल्ले हांवे. कितल्याशाच फोटोन अजय दिसता."

"ना म्हळचार, नव्या गेल्याक तशेंच दाखयतात."

अविले बायलेन, वीणान आपलें बायलेपण सार्थ केलें.

"ना. म्हाका बरीं करतात ती. दाद-माँ पिक्चराक गेल्यार म्हाका व्हरतातच."

"त्या दिसा तशें कितें अुलयलो रे तूं, अजय ? "

"केन्ना ? "

"काणकोणची याद येना रे म्हळ्यार ना म्हणू लागलो. कितेंय अुजय म्हरे म्हळ्यार कितें अुलवूं काय म्हणू लागलो. द्रोणाखातीर बावयिल्या चोळक्यावरी थिती जाली म्हजी."

अविन आपले आवयकडेन अजयाली खबर अुक्तायली.

पाती काडून तोंडात घालतना अजय लजिल्ल्यावरी हांसलो. वगी रावलो.

"कित्याक रे पुता ? "

आजेन नातवाक खाक्यांत वडलो. शेळे बांदून गोल गोल घुंवडयिल्ल्यावरी जय घुसपलो.

"तुका याद येना आशिल्ली रे पुता आमची ? "

"यताली. सगळी याद आशिल्ली म्हाका. तोडूग्सान धांवून आयिल्ली. मामान मारिल्ली, जात्रेक व्हडली पिशवी भरून खेळ आनी खाजें घेवन दिल्ली, मामा सद्दी आयस्क्रिम घेवन दितालो ती सगळ्यो यादी येताल्यो..."

अजय मान सकयल घालून लजेल्ल्यावरी परतो हांसलो...

"अविमामाले लग्न जाल्ले न्ही गेल्ले वर्साक, तेन्ना म्हाका कळिल्लें."

"तुका कोणे सांगले ? "

"दादानच सांगिल्ले."

"दादाक कशें कळळे तर ? "

"कितें की ! "

"मागीर " ?

"दाद म्हुणू लागलो, मामान तुझी खबर तरी केला की पळय. म्हुण पयलीं हांव हांगची याद काडटालों. दाद म्हुण लागलों, आतां काम शिकून जातामेरेन हांगा थंय खंय वचप ना. मामा, मावशी कोण खबर घेनात तुजी. तुका कित्याक जाय काय म्हूण थंय वचूंक."

"आपुण अमकेंकडेन आसा म्हुण तुवें आमकां पत्र घालचे न्ही ? "

अविलें तोंड पडिल्ल्यावरी जालें.

"म्हाका पत्तो खबर नासलो...एक दीस धाकली आई म्हाका कोल्हापुराक व्हरूंक आयिल्ली. तेन्ना स म्हयने जाल्ले हांव बेळगावांत येवन. म्हाका कोल्हापुराक वच्चेशें दिसतालें. हांव वता म्हुण रडलों लेगीत. तेन्ना म्हाका दादान तापयलो. थंय गेल्यार कांयच काम शिकचो ना. परत बेकरेंत नाजाल्यार रस्त्यावेल्या हमालाचे काम करचें पडटले म्हुण."

"तेन्ना तुवें आईक आपुण कोल्हापुराक येना म्हुण सांगले मरे?"

"दादान सांग म्हणलें म्हाका."

"आई परती वतरेच तूं रडलो ना?"

"ना. रडचेशें दिसतालें. बाबाली खुब्ब याद येताली. बाबा म्हाका परत परत सपनांत दिसता...आजे, हांगा आशिल्लो आई–बाबालो फोटो म्हाका दिता?"

चडशीं सगळीं जाणां अचकीत मोनी जालीं.

"...आता थंय मायेचो कोण ना. न्ही गे आजे? बाब लेगीत ना... थंय आता हांवे वचूंक नाका न्ही गे. धाकले आईक पैशे धाडून दिल्यार पुरो, तिका तितलेंच जाय."

"कोणे सांगले रे तुका?"

अवि चाट पडिल्लो.

"दाद म्हण्टालो."

□

अवि हाथरूणार लोळत पडिल्लो. तासभर लोळून मागीर च्या घेवप ही ताजी संवंय. ताजी बायल वीणा रानचे कुडींत गोंदळटाली. तीय तिची सदींचीच संवंय. साडेपांच–पावणेसंक अुठून घरच्या कामांक लागप. पुणून आज अविक रानचेकुडींत दोन आवाज आयकूंक येताले. ताणे कान दिलो.

"अितले बेगीन कित्याक अुठलो रे अजय. न्हिदचो आसलो."

"हांव सदीं येन्नाच अुठ्ठा तूं अुठचेपयलीं जागो जाल्लों हांव. कोणच अुठलीं ना म्हुण न्हिदून रावलों."

"आरे, तो कोळसो घेवन खंय वता?"

"भाणाक अुदक घालतां."

"कांय नाका. बस तूं."

"हांव भरता थंय. सकाळीं अुठ्ठरेच घरांत सगळें अुदक हांवूच भरतां. एकेक दीस च्या लेगीत करून दितां हांव दादाक."

"आसूं रे. हांव भरतां मागीर. तूं बस पळवयां. ही च्या घे."

"आनी कितें कितें करता तूं थंय?"

"सामान हाडटां, नुस्तें हाडटा. मांडार सान्न मारतां."

"थंय मस्ती बी करूंक जायना हां. काम करपाची संवय अुल्यार बरी... आरे, कप कित्याक धुंवक गेला तूं. दवर थंय."

□

आज सकाळसान अजय, मृणाल, रानी आनी राजन हाणी कितलीशीच

घोटां पुंजाशिल्लीं. दर चार–पांच मिनिटांनी घोटां पडटालीं. खावचेपरस पुजावंक सगल्यांक अुमेद येताली. एकमेकांक फाटीं घालून घोटां पुंजावपाची सर्त लागताली.

मृणाल, राजन, रानी ही अजयालीं मावस भावडां. तातूंतले तांतूक राजन आनी रानी ल्हान.

"मामा, रानी अजयाक मेळिल्ले आंबे आपुण घेता. ताका दिना."

मृणालान आंब्यापोंदांतल्यानच घरांत भीतर बशिल्ल्या मामाकडेन तक्रार केली.

"ना मामा, हांवेच दिल्ले ते रानीक."

अजय.

"तूं खा म्हरे अजय, रानीन सकाळसान थोडे खाले ना."

मृणाल.

अितल्यांक राजन दपत दपत अजयाच्या खड्ड्यार 'टंव' करून पिपट मारून धांवलो. मात्सो पैस वचून खिखीत रावलो.

"तूंय मेळटलो म्हाका."

अजयान बोड पुशीत राजनाक शिटकायलो.

"अितले बारीक कित्याक कापता तूं हे केस?

अजयाक तंवलायिल्लें पळयन मृणालाकय हासूं आयिल्लें.

"कापून घे म्हण्टा तशे कापून घेता हांव हांव खंय कापता तर ते?"

"तुवें म्हाल्याक सांगू जाय, अितलो खड्डो दिसपासारके काप नाका म्हुण"

"हें ... दादान सांगिल्लें तशेंच करूं जाय."

अजयाक मृणालाली बद्द रूचली ना.

"घे!"

मृणालान आपणे पुंजायिल्यांतलो एक आंबो अजयाक दिलो.

"खा तूं."

एक आंबो आपणे घासाक माल्लो.

अजयानय आंबो घासाक माल्लो. खातांखातां फुटिल्लेकडसून रोस गळूं लागलो. मागीर एकफात्रट ह्यावाटेन आंबो चोखप एकफावट दुसरे वाटेन चोखप अशें सुरू जालें. मदींच रोस गळून अजयाले हाफ पॅण्टीर देंवलो. तो आंबो चोखपाचो थांबलो. तसो धांवत न्हाणेकडेन गेलो. चड्डुवेलो रोसाचो दाग धुवन आयलो.

"तुगेली ही हाफ पॅण्ट बॅश्ट दिसता. ती दुसरी ब्रावनय बरी दिसता...ती ब्लू पॅण्ट बरी दिसना. पातळ चिरमुल्यावरी दिसता."

मृणालाक अजयाली हाफ पॅण्ट खरीच आवडिल्ली.

"खंयची बरी ना."

" ब्लू-निळी. "

" तीच तर नवी. ती ताईल्या लग्नाक शिंविल्ली. "

" ताई म्हळ्ळचार ? "

" बाबूक पळयला न्ही तुवें. पयर हांगा आयिल्लो तो. तागेली भयण व्हडली. "

" हां...आनी ही ? "

" ही आनी ती मातेरंगाची, बाबुले पोन्ने पॅण्टीच्यो. एक वर्साभीतरच ताका पॅण्टी घट्ट जातात. ते पॅण्टीच्यो मागीर म्हाका चड्डयो शिवतात. "

" पुणून त्योच बऱ्यो दिसतात म्हरे. पोन्न्यो जाल्यो तरी. तुका खूब कपडे हाडल्यात म्हरे. "

" शिवन घेऊंक मेळच्यो ना म्हाका. आनी दोनूच दीस आसात हांव वचूंक. "

" बेळगवां शिवन घे. "

" शिवूंक खूब पैशे पडटात. "

थोडो वेळ अजय ओगी रावलो. मागीर येवजल्ल्यासारको अुलयलो.

" हांव कपडे हांगाच दवरून वतलों. मामाक शिवन दवर म्हुण सांगतलो. चवथीक येतलों तेन्ना व्हरतलों. "

अितल्याक सर–सट धब्ब जालें. सगळीं जाणा आवाजाचो सरांव घेत धांवलीं.

□

" तुमी अजयाक कपडे शिवनच दियात. "

" तो तशें म्हणटालो तुजेकडेन वीणा ?

" तो म्हण्टा, दादान शिवन दिता तेन्ना घालचे पडटले म्हुण. आपुण शिवन दी म्हुण कशें सांगू काय म्हण्टा तो. आमी कपडे दिवप आनी शिवपाचे पैशे तांचेर सोडप बरें दिसचें ना. "

" तेंय खरें, शिवनच दिल्यार जाले. तो मारूती दोन दिसांभीतर दितलो शिंवन. "

" तुमी ताका केन्ना व्हरून पावयतले बेळगवां ? तो एक हुसको पडला ताका. आठ दिसांजाग्यार पंदरा दिसांनी व्हरून पावयल्यार आपणाक हांगा परत वेगीन धाडून दिना जाल्यार ? "

" जांव गो. ते कितें मनीस न्हय तर. अवेरां व्हरून पावयतलोंच ताका. तशें पळयल्यार पंदरा दीस जालेच ते. "

" म्हाका कितें. म्हाका तो राविल्लोच जाय. तो म्हण्टा म्हुण सांगलें आनी तुमी हाडिल्लें जोतेंय मानवलें ना ताका. "

" तो मागतालो रबरी जोतें. हांवे बरें तीस रुपया दिवन कोल्हापुरी घेवन दिलें ताका. "

" तेंच. बरें जोतें आसल्यार कोणूय घालून वतात म्हण्टा तो. ताका घालूंकच मेळना खंय. "

"आमी येवजितात अेक आनी घडटा दुसरेंच. "

□

अजय ओलतेरांत पोटली करून बशिल्लो. आपल्याच विचारांतसो. बावकोसो जावन.

लागींच ताची आजी वंटीक तेकून अटंबासोलांच्यो बियो काडटाली.

कांयवेळ आजेलें सोलां निवळ करप तो निर्विकार चेऱ्यान पळयत रावलो.

मदींच जाग आयिल्ल्यावरी ताणे आजेक प्रस्न केलो.

" आजे, तूं प्रकृतीन बरी आसल्यार जांव मामालें लग्न जाल्लें आसल्यार तूं म्हाका तीन–चार वर्सां पैलीं हांगाच दवरून घेता आशिल्लो न्हीं गे ? "

" हय रे पुता. हांव आसलें लडकें. चार दीस ह्या मामागेर आनी चार दीस त्या मामागेर. तुका रांदून कोण वाडटा आशिल्लो ? आता कित्याक येवजलें तुका पुता ? "

" मामा म्हाका चवथोक परतो हांगा आफवन हाडटलो, न्हीं गे ? "

" हय रे बाबा. "

" तेन्ना आमकां काम बी चड आसना. तेन्ना म्हाका हांगा खूब दीस रावूंक मेळटलें न्हीं गे ? "

आजेन दोळ्यांचे ओक्ल काडून दोळे पुसले.

□

अजय कॅलेंडराचेर चवथ सोदतालो.

अठ्ठावीस ऑगस्ट.

ताणे हिशेब केलो. तीस दुणे साठ आनी अठ्ठावीस. अठ्ठयांशी दीस आसात आजून चवथीक...हांव मामागेरच्यान आयल्यार कितले दीस जाले ? पांच. पांचच ? खूब दीस जाल्लेवरी दिसतात...अठ्ठयांशी ! खूब दीस आसात.

तो येवन आपल्या डेस्काकडेन बसलो. झुंब्यांक परतो पाती घालू लागलो.

आयचो दीस वतलो. फाल्यांचोय तसोच वतलो. तशेच अठ्ठयांशी... अतां दोन वर्सां गेलीं ना...

मीना शाळेंत वचपाक भायर सल्लें.

...हाका कितलें बरें. घराकडेनच रांवक मेळटा. आई–दादा सगले आसात.

हांव एकटोंच असो. सगळे घराच आसात.

ता पाती घालपाचे विसरूनच गेलो.

मामान माका दवरून घेंवक जाय आसले–थंयच. थंयच कोणाकडेन काम शिकूंक दवरचेलें...

अितल्यांक पोस्टमन आयलो. अजय अुठून धांवलो. पोस्टमनान ताज्या हातांत एक पत्र दिले.

"आनी पत्र ना ?"

"ना."

अजय निर्शेलो.

मामा वचून चारच दीस जातात. अितले बेगीन कशें पत्र येतलें...

हातांतलें पत्र घेवन तो घरांत गेलो.

"...ताका पळयला तुवें ह्या दिसांत. मामागेर वचून येतसान भांबावल्ल्यावरी जाला. रातीन सपनेता. मामी, आजे म्हुण आफयता. दोन फावट पाती पासतना खोबे आटवन अुडयले म्हुण बाबू म्हण्टालो. ह्या दिसांनी बरो जेवय ना.

"जयाल्या मामान जयाक चवथीक परत व्हरूंक येता म्हळा. परतो गेल्यार परत आठ-धा दीस असोच भांबावल्यावरी जातलो आतां आनी वर्सभर ताका खंयच धाडप ना. दोन वर्सां काय बरो करून आसलो."

दादाले आनी मांले संभाशण आयकून अजय थंयच थाल्लो. ताज्या कानांतल्यान अुजो भायर सरिल्ल्यावरी जाल्लो. पोटांत कलकल्लें. आंगातली शक्तच गेल्यावरी जाली.

आनीक एक वर्स.

ताका घो घो रडचेशें दिसलें.

तो तडक बाथरूमांत गेलो. नळ सोडलो आनी हुंडक्या हुंडक्यांनी रडत रावलो.

"जय...ये जय. बाथरूमांत नळ कोणे सोडला पळय."

अजयाल्या कानांत अुतरां पडलीच ना. तिसरी फावटीं ताका ती आयकूंक आयलीं.

अजय तोंडावेलें अुदक निस्तीत दादा म्हऱ्यांत आलो.

"नळाकडेन कोण रे ?"

"हांवूच. दोळ्यांत कुस्कुट पडिल्लें. दोळे धुयतालों.

तो तोंड पुसून भायर शेवटलो.

* * *

□ १३ □

लुंड दुख्ख

□ □ □

Mr. and Mrs. Gajanan Pisurlekar,
request the pleasure of your company on the occasion of the marriage ceremony of their second son

Chi. Deepak

(Jr. Engineer)

with

Sheela

(B. A.)

प्रकाशान वेल्यान सकयलमेरेन ती लग्नपत्रिका वाचली. सकयल तागेलें आनी तागेले बायलेलेंय नांव आसलें.

प्रकाशान हातांतली पत्रिका भिरकावन उडयली. फर्रर्र करून ती वयर गेली फॅनाक आपटली आनी घुंवन परत प्रकाशाल्या पायांकडेन येवून पडली.

प्रकाशाली नदर सहज पत्रिकेच्या लाखाटयाकडेन गेली. लाखाटयांतल्यान एक चीट अर्दकुटी मायर दिसताली. ताणे ती उगडली.

चि. प्रकाश,

तुका मेळना आसतना गेलों म्हुण रागार जाय नाका. तुका समक्षच मेळटलों म्हुण आयिल्लों. पुणून तसो योग नासये. फाल्यां हुबळी वचपाचें काम जाल्ल्यान

रावंक मेळळे ना. तूं रागार जावचोना अशी आस धरतां.

दीपकालें लग्न......तारखेक थारायलां हें तूं जाणाच आसतलो. तुजे बायलेकडेन पत्रिका दवल्या म्हजेवतीन तुका सांग म्हुण तिका सांगलां. आमंत्रण दिवंक म्हुण मुद्दम आयिल्लों.

तुवें लग्नाक मुद्दम येवूंक जाय. घरचें कार्य आमीच सोबवूं जाय.

आमच्या मनांत तुजेबद्दल कांयच ना. तुवेंय कांयच मनांत धरूंक जायना.

घरांतली सगळीं लग्नाक येतलीं. तूं एकटो आयलो ना जाल्यार सगल्यांल्या आनंदाचेर विरजण पडटलें. दिसपाकय बरें दिसचें ना. घरांतलें घराकच उरिल्लें बरें. लोकांक तोंड करून दिवप बरें न्हय.

आमी कोण–कितें हाचो विचार कर. म्हजेकडल्यान कितेंय चूक जाली जाल्यार तूं ल्हान म्हणिना आसतना हांव तुजी चूक मागतां. तुजी आईय तुजे वाटेकडेन दोळे लावन बसल्या.

हांव आनी तुका चड कांय सांगना.

घरच्या मंगलकार्यांत तुजी जबाबदारी कितें हें तुका हांवे सांगू नाका.

आठ दीस पैलींच यो. बायलेकय घेवन यो. वाट पळयतात.

तुजो,
दाद

प्रकाशान चिटिच्यो पिदून तिस्त्यो केल्यो. रागान तो थरथरतालो

हांव घरा नाशिल्लोंच तें बरें जालें. आसल्यार बरें जायना आशिल्लें.

विंगळचावरी रसरशिल्ली नदर खंय तरी थोर जाली.

एक भोंवर प्रकाशाचे तकलेर घोंघेतालो. प्रकाशाक ताका चिड्डून माडयन उडवचेशें दिसतालें. ताणे पायांचें रबरी जोतें भोंवरार शेवटिल्लें. मात्शें चुकलें. भोंवर मात्सो पयस धांवलो. परत घोंघेंवक लागलो. प्रकाशान दुसरे जोतें शेवटिलें. भोंवर चुकलोच. पुणून वन्टीवलो बल्ब सुटलो.

प्रकाशाक जाग्यावेल्यान उठूंक जीवार आयिल्ले. तो तसोच बसून रावलो. नदर परत खंयतरी थीर जाली. दोळचांवेलो ताण वाडत गेलो. दोळयांमुकार चित्रां हालूं लागलीं. जितीं.

एक पन्नास-पंचावन्न वर्सांचो असिम पेपर वाचत बसला. तेलकट केस व्यवस्थित फाटल्यान वळयल्यात. केसांर अनंताच्या फुलांची धवी पाकळी सिलींग फॅनाच्या वाऱ्यार थरथरता. कपलाक गंधाचो तिबो. छातेर, भुजांर गंधाचे पट्टे. गळयांत तिरूपती वचून आयिल्ल्याची खूण म्हुण तुळशीची माळ.

हो प्रकाशालो बापूय. दाद. ताजेमुकार प्रकाशय बसला.

" तुमी सुमित्रालो गजाल आयकल्या जातली. "

" अं. "

एक हुंकार. बापूय पेपरांतली नदर हालयना.

" लोक अुलयतात तेंय आयकलां जातलें तुमी. "

बापूय ओगी.

" तुमकां ताजेबद्दल कांयच दिसना ? "

" आरे, पुणून हांव कितें करूं ? "

बापूय प्रकाशाले नदरेक नदर दिना. आतां ताणे पेपर आनी ऑक्ल काडून कुशीक दवल्लां.

" आजमेरेन कांय केलें ना. सुमित्रान बांयत अुडी घेवन जीव दिवपाचो यत्न केलो तरी कितें करूं जाय म्हुण कळना तुमकां ? "

" आरे, पुणून तो आपणाले तें काम न्हय म्हुण सांगता न्हय. "

" तें तुमकां खरें दिसलें ? सुमित्राक स्कुटरीन भोंवडयतना दीपकाक तुमी केन्ना पळयलोचना दिसता. लागीचो मार्ग सोडून पयसल्ल्या मार्गान स्कुटरीन तो सुमित्राक कॉलेजीक व्हरून पावयता. हें तुमकां खबरच नाशिल्लें आसये. "

" तरीय तो तें आपलें काम न्हय म्हण्टा. "

" तुमी चौकशी केली ? सुमित्राक विश्वासांत घेतलें ? सुमित्राल्या घरचे लोक सुमित्राक ताजेबरोबर कित्याक भोवं दिताले, विचाल्लें ? गोश्टी जीव दिवपाचे धडेर पावतरेच तरी तुमी विचार करतले अशें दिशिल्लें. "

" तूं सांग, हांव कितें करूं तें. "

बापूय असहाय्य जाल्लेवरी दिसता.

" तें हांवे सांगपाचें न्हय तें तुमीच थारावं जाय. "

सीन बदलता...

पात्रां तीच. काळ, वेळ एकदोन दिसां अुपरांतचो.

" दादा, कांयच घडलें नाशिल्ल्यावरी तुमी दीपकाकडेन वागतात. ताणे हाडिल्लें नुस्तें रूचीन खातात. आई ताका कितें जाय कितें नाका विचारीत विचून नुस्त्या कुडके घालता. ताणे व्हडलो दिग्विजय केलोसो दिसलो तुमकां ? "

" तो आपुण न्हयच म्हण्टा. कितेंय विचारल्यार घरांतल्यान भायर सरपाची भाशा करता. "

" सरूं भायर. "

" तागेलो बापूय जितो आसा मेरेन तो पाळी ताजेर येवची ना. "

बापायलो आवाज़ मात्सो चडटा.

"एके चलयेल्या जीवनाची वाट लावपी चल्यालो बापूय म्हणून घेवंक तुमकां लज दिसूं जाय आसली."

प्रकाश रागान थरथरता.

"खूब शाणो म्हुण समज नाका रे स्वताक."

"हांव जातीभायर लग्न जाल्यार तुमच्या घराण्याक दाग लागता आशिल्लो. आता लागना? कित्याक लागतलो? ताचेले जोडीर सगळें चलता न्हय तुमगेलें. तो घरांतल्यान भायर सल्यार कशें जातलें? कोणा चलयेलो जीव गेल्यार जायत. तुमचें कितें वतलें?"

प्रकाशालो दाद थंयसान अठून वता. "उलय तूं, तोंडाक येता तें" अशा अर्थान.

घरांत वचून अनुप जलोटाली कॅसेट फुल्ल वोल्यूमांत वाजयता. हात फाटल्यान कवळून पासय मारीत आपुणय म्हण्टा 'मैंया मोरी, मैंऽऽ नहीमाखन..."

तो शेजाऱ्याले वाटेची जनेलांय बंद करता.

भोंवर परत घोंवेंत आयलो. पुणून प्रकाशालें लक्ष थंय नासलें. ताज्या डोळ्यांमुकार आजूनय चित्रां हालतालीं.

– सुमित्रा-दीपक कारणाक लागून तो घर सोडटा. आजोळा जंय आजेबगर कोणूच नाशिल्ले थंय तो येता.

आठ–धा दिसांनी बापूय येता.

घराकडेन परतो येवपाक तरतरांनी ताची समजूत घालता. घराण्याचो अितिहास आळयता. आपणाक भायर तोंड दाखवंक जागो उरचो ना म्हुण दोळ्यांतल्यान दुकां गळयता.

प्रकाशालो निश्चेव ठाम आसता.

"ह्यो तुमच्या कोल्ड्रिंकाच्या गाड्याच्यो चाव्यो, ही कागदपत्रां. म्हाका तुगेलें कांय नाका. बरो करून राव. केन्ना घरा येवचें दिसता तेन्ना यो. आनी हे दोन हजार रुपया. गरज पडटली तुका."

प्रकाश ढिम्म बसून रावता.

तागेलो दाद ह्यो सगल्यो वस्ती मेजार दवरता. अितल्यांन ताका याद जाता बल्सातल्यान एक काळो दोर काडटा. ताका एक तावज आसता.

"हो दोर बांदून घे. ग्रह वायट आसात तुका."

प्रकाश फातर जाता. दोळ्यांत फक्त दाहक काकुळत.

"बांदून घे."

सोंपणा देवतना तो परतो एक फावट प्रकाशाक याद करता.

प्रकाशाक त्यावेळारय सोंपणा देंवतना सुरंग दिसलो.

सुमित्रा येवन लागींच्याच कदेलार बशिल्लें ताका कळ्ळें लेगीत ना.

सुमित्राक प्रकाशाले मनस्थितीची जाणीव जाल्ली. कितें तरी करूंक जाय म्हुण ताणे लागींचोच पेपर अुगडून चाळील्यावरी केलो. ताजो वेळ वचना जालो.

प्रकाशाली समाधी आजून देंव नाशिल्ली.

" वगीच विचार करीत बसनाका पळवयां तूं. "

सुमित्राल्या अुतरांनी प्रकाशाक जाग आयली.

" दाद कितें सांगतालो ? "

" हांव कांय अुलयलेंच ना. तुका लग्नाक घेवन यो म्हुण सांगतालो. हांवेंच म्हळें ताका, कितें सांगपाचें आसा तें बरयन दवरून वच म्हुण. हांव तुमकां कांय अेक सांगचें ना म्हुण. "

सर्पाफोडावरी सुमित्राली नाक–पुडां फुलिल्लीं.

" म्हाका लग्नाक यो म्हण्टना कांयच दिसलें ना रे ताका ? "

ठप्प करून भोंवर वेल्यान सकयल पडलो. अुमथो पडलो. दोके फाफुडत वळवळत पडून अुल्लो.

दोळे बंद करून प्रकाश मोन्यान बसून अल्लो. एकदोन मिनिटांनी तो अुठलो. टी. व्ही. ऑन केलो. चित्रां हालिल्ल्यावरी दिसता मेरेन लायट गेली.

ताणे लायटीक अेक सणसणीत गाळ घाली. तो येवन परत ओलतेरांत बसलो.

भोंवर पांय फाफुडत वळवळत आसलो. मांजर वेतभर पैस बसून तागेलो खेळ पळयतालें. मदीं मदीं दावकुलान ताका खेळयतालें.

" हांव घराकडेन नाशिल्लों तेंच बरें जालें. वातावरण वगीच तापता आशिल्लें. "

प्रकाशान एक शिगाराचे पोत ॲशट्रेक चिडिल्लें आनी दुसरें तोंडांत धल्लें...

" तुका सांगू, हांव तापलों तरी हो मोन्यान आयकता आसलो. 'देवा हाका गुन्याव भोगशीय,' अशे तरेन एकदोन अभंग म्हण्टा आशिल्लो. नाजाल्यार असोच बागांत पासय मारिल्ल्यावरी करता आसलो. बापूय–पूत झगडटात म्हुण तिसऱ्याक दिसू जायना ! अितलेंय करून घराकडेन वचून सांगता आशिल्लो, 'हांव वतरेच खूश जालो प्रकाश, म्हाका राव राव म्हुण आग्रो करतालो.' घरांत अुजो पेटल्यार जाता पुणून धुंवर भायर दिसूं नजो ! आपुण कोणाले वाटेक वच्चो ना. कितेंय बरें करपाची आंगांत तांक ना आनी वायट करतल्याक आडावपाचे आंगांक बळगें ना. हांव घरांतल्यान भायर सल्लों. तुजेकडेन लग्न जालों. ताका हेंच एक कारण आसा. हांव दादाचेर एकतरेन सूड घेवंक सोदतालों. "

" बापायन भुरग्यांचेर धाकय दवरपाचो आसता हें हाका केन्ना कळळेंच ना आमका शिकचें दिसता तितलो तेप आमी शिकले. मागीर मदींच शाळा सोडली. आमकां कोणे विचाल्लेंच ना. धपकायलेंच ना. शारदा, प्रसन्न आठवेवेल्यान घरा

बसलीं. दिनेश सेकंड इयर कॉमर्स फेल जातरेच फुडें कॉलेजींत गेलोच ना. आपल्या ब्लॅकाच्या धंद्याखातीर म्हाका अेक सवेवेल्यान शाळेंतल्यान काडिल्लो. बाकीच्यांक तरी शिकोवपाचें. हो दीपक दिवटो अेक शिकलो, तोय काकागेर राविल्ल्यान... अेकल्याकय आपल्या पायांर अुबो करपाचो यत्न केलो ना. रावल्यार लेगीत हजार आडमेळीं. जोडिल्लो पैसो कितलो पावतलो हें चिंतले ना आनी आता पैशांखातीर गू खाता ... म्हाका आनी लग्नाक आफवंक आयला... नाजाल्यार लोक विचारतले–प्रकाश आयलो ना कित्याक ? हो कितें जाप दितलो ? आनी आपले परीन लग्नाचे आमंत्रण दिवन ताणे आपलें कर्तव्य केलां. कर्तव्याक आपुण चुकलों ना. केदें व्हडलें समाधान ! थूऽऽ! .. लग्न–एक बापूय आपल्या चल्यालें लग्न व्हड दबाजान जाले म्हुण गांवभर लाडू वांट्टलो. दुसरो बापूय म्हयन्याक पगाराच्याक तिबलायेन जोड घरांत हाडपी पी. डब्लू. डी. तलो ज्यु. अिंजनेर आपणाक जांवय मेळ्ळो म्हुण कृतार्थ जातलो...शीला तुगेले मावशेल्या देराली चली. शीलाल्या बापायक कितें खबर नाशिल्ले ? "

"सगलें आशिल्लें खबर."

"मागीर ? ...... पैशांखातीर गू खातात मेल्ले ! "

"तूं दुसऱ्यांक कित्याक गाळी घालता... "

सुमित्रा आपले मदींच घुसमट्टालें.

"तूंच चुकलो. तूं कित्याक लग्न जालो म्हजेकडेन ? तुजीच ती भानगड आसूं जाय. नाजाल्यार तूं वगीच लग्न जाता ? भावाल्या सादेपणाचो फायदो घेवन धाकल्या भावाचेर धुकलूं सोदतालो. जमना जातरेच सज्जनतेचो आव हाडलो. कळळें. म्हुण ते शीलालें लग्न त्या जनावराकडेन करून दिवंक अुठल्यात. हातूंन तांगेले किते चुकलें. चुकलो तूंच ... दर अेकलो बापूय असोच विचार करतलो. आनी ताणी मांडिल्लें गणित सहज पटपा सारकें. चली म्हळयार जड जाल्लें वजें. देवल्यार पुरो जाता. जांवयाली जोड, स्वभाव, घराणे अश्या कित्याचें तरी खोटे समाधान चलेल्या बायायक जाय आसता. लोकांकडेन गावूंक. शीलाल्या बापायन जोड पळयली. जोड चड म्हुण चलयेक सुख चड ... हेंच कित्याक, पुण्याच्या त्या केमिकल अिंजनेराली खबर पळय. बायलेक लासून माल्ली. फाशी जाली. पुणून वयल्या कोर्टांत सुटलो. परत ताका चली दिवपाक लक्षाधीश बापूय तयार. पैशेकार सगळे गुणवंत आनी बलवंत. पैशे नाशिल्ले सगळे अुबंत. तांका चली दिवंक कोण फुडें सरना. म्हजेंच पळय. बांयत अुडी घेतिल्ली तेन्ना अुदकांत पोटांतले पाप धुवन गेल्लें पुणून कपलावेलो दाग तस्सो आसलो. अशे थितींत म्हजें लग्न करून दिवप सोपें नासलें. तूं देव कसो पावलो. मागणी घातली. पुणून म्हज्या कट्टुल्यार कसलोच दाग नासतना तुवें मागणी घातल्यार म्हजो बाब तयार जायत आसलो ? प्रस्न आसा."

"हो अुपदेश कित्याक ? शीलाच्या बापायलें समर्थक करूंक ?"

"हें समर्थनय न्हय आनी अुपदेशय न्हय. अितलें भोगून अितलो अणभव घेवन तुजे तकलेंत आदर्श जग आसा."

"ह्या हलकट लोकांक तोपून मारूंक जाय."

मांजरान भोंवराक तोंडात धल्लो. भोंवर ताका चाबलो जांवक जाय. मांजरान शेवटून अुडयलो. तो पोटात पडलो. पाखां ल्हवू ल्हवू सोडवंक लागलो.

प्रकाश अुठलो. ताणे भोंवराक पांयामुळांत करकरीत चिड्डिलो. खोंट मारून भायर अुडयलो. मांजर भायर धावूं लागलें. प्रकाशान ताकाय एक खोंट फुलयली.

"शेवटय घरांत."

तो परतो येवन बसलो.

"मनीसपण सोडिल्लो चलो घरांत वी. आय. पी. जाता. आवय ताका जाय नाका तें करून ताटांत वाडटा. बापूय मांडेक मांडी लायन ताचे पंगतेक बसता. घराण्याची व्हडवीक म्हाका सांगता. निर्लज्ज जावन तुका ह्रोंवळीक दिता. सगळें रामायण खबर आसूनय तुगेल्या मावशेलो देर आपले चलयेक एका जनावराच्या गळयाक बांदता."

"..हांव ह्यांका बुद्द शिकवंक सोदतालों. हांव थंयच अुल्लों दिसता. हे सगळे मेळून म्हजेर सूड घेतात. चवताळील्ल्यावरी जाता म्हाका."

सुमित्रान प्रकाशाल्या दोळयांत खोल पळयलें.

"जातलेंच. जावपाचेंच. !"

कांय खीण अशेंच गेले. मोने.

"पुणून म्हजी थिती जाणा तूं."

सुमित्राली नदर कांय खीण पयस शेंगिल्ली अुल्ली. ताणे प्रकाशालो हात आपल्या हातांत घेतलो.

"तूं घरांतल्यान भायर सल्लो. घरच्यांचेर नदर लेगीत घातली ना तुज्या मनातलो राग तुवें अुक्तायलो. स्वताचें अस्तित्व दाखवन तूं जगलो. जगता. म्हजेकडेन लग्न जालो. म्हाका एक जीण दिली. तुजे हे करणेत तुका दोट्टी धादुमकाय मेळटली. एक-अन्याया आड आपण झुजलों म्हुण आनी दोन-म्हज्या सारख्याले जीणेत कितेंय अर्थ हाडपाचो आपणेन यत्न केलो म्हुण."

तुवें दुख्ख भोगलें. पुणून त्या दुख्खाकय एक व्हडपण आसा. तुज्या जळण्याकय अुजवाडाची तांक आसा. सगळे मेळून आपल्याचेर सूड घेतात अशें दिसतनाय तुका ही धादुसकाय-समाधान मेळटलें.

म्हजो विचार कर. म्हाका हें समाधान ना. स्वताचें अस्तित्वच ना रे म्हाका. तें केन्ना होगडावन बसलां हांव.

म्हाका लग्न जायपाचेंच नाशिल्लें. एका जनावरान फटयतरेच सगल्या

दादले जातीवेलो विस्वासच हुबून गेल्लो म्हजो. तुवें तो विस्वास जागयलो. अितल्या अुदात्त विचारांचे दादले जात आसता हे अणभवलें, ही गजाल वेगळी... पुणून जेन्ना म्हाका कळळें कि घरांतच हांव एक वजें जालां तेन्ना हांव लग्नाक तयार जालें.

आयच्यावरी तुजी अस्वस्थता पळयतरेच दिसता म्हाका लागूनच तुका हें भोगचें पडलें न्हय ? तुगेले जिणेंत येवन हांवे तुका दुख्खत्र दिलें. म्हाका तुवें सगळें मेळवन दिलें. हांवे तुका कितें दिलें ? फक्कत मनःस्ताप.

दिसता, सूड घेंवक जाय आशिलो, म्हज्यावेल्या अन्यायाचो. खून करूंक जाय आशिल्लो ह्या जनावराचो. सुडाचें तरी समाधान मेळटलें आशिल्लें.

लग्नाबगर आंकवार रावल्यार तरी अेका जनावराक मनीस समजून नाचिल्ल्याचें प्रायश्चित घेतिल्ल्याचें समाधान मेळटलें आशिल्लें. तेंय केलें ना. कांयच केलें ना. अुरफाटें तुका मात्र घुसमट दिली. सासणाचे भग्ट दुख्ख हांवे वेंगयलें. तुजी घुसमट पळयल्यार जीव वयर सकयल जाता. हांवच कारण जालें न्हय ह्या घुसमटमाराक ! एकटेंच आसतना तर जीव नाका जाता. कित्याक जगूंक जाय काय दिसता. जीव दिवचोसो दिसता. हय रे, जीव दिवचो दिसता मागोर रोकडेंच दिसता, अशें करून तुजेर अन्याय करूं ? ह्या त्रासांतल्यान मुक्ती मेळवचे खातीर तुका अुबंत अुडंव ? म्हाका म्हजे अस्तित्वच ना रे. हांव मेलें तरी तुजे भोंवतणेंच अुरतलें. तुजेखातीर जगतां..."

सुमित्रालो गळो भरून आयलो दोळयांत दुकां दाटलीं.

"आसूं गो तें. दुसरे कितेंय अुलय."

प्रकाशान सुमित्रालीं दुकां आपल्या हातान पुसलीं.

सुमित्राच्यान आपलो ओग थांबोवंक जालो ना. तें प्रकाशाले मांडेर तकली दवरून घसघसून रडत रावलें.

प्रकाशान एक आंवडो गिळळो. तो सुमित्राक थोपटीत रावलो.

अितल्यांत चकचक जाले. फॅन घुवूं लागलो. टी. वी. आपसोच अुलोवूंक लागलो. ट्यूबलायट पेटली.

●●●

□ १४ □

श्री सत्यनारायण हांसले

□ □ □

चक्क श्रीसत्यनारायण हांसतना दिसले म्हाका. हय ! फोट न्हय.

मंडपात पुजिल्ले सत्यनारायण हांसले.

कित्याक हांसले ? कोणाक पळवन हांसले ? खंयच्या अर्थान हांसले ? तातून धादुसकाय आशिल्ली काय दुख्ख ? राग आशिल्लो काय काकुळत ? कांय कळ्ळेंच ना.

हय कल्पनाच नाशिल्ली न्हय, अशें कितें घडत म्हुण. तेन्ना म्हाका हांशिल्ल्याची खरी जाणवीक जाली तेन्ना तें हास्य अंतर्धान पाविल्लें.

छे छे ! भासब्रीस काय न्हय. आनी कोणाच्याय बाबतींत घडिल्लें जाल्यार हांवय तशेंच म्हण्टा आशिल्लों. ताका पिशांत काडटा आशिल्लो. 'रातीचे देवलें ना दिसता आजून' म्हुण फोकाणार व्हरता आसलों ... पुण तुमका सांगता, तसलें कांय न्हय. तो भास न्हयच.

श्री सत्यनारायण कोणाक पळवन हांसले तें कळ्ळेंच ना अशें हांवे तुमकां म्हळ्ळें. आरंभाकच म्हळ्ळें कित्याक जाणा ? त्यावेळार आमी दोग जाणा आसले. हांव आनी गणपा. गणपा म्हजो शेजारी.

नमस्कार करतना आमी हात जोडटात. पापण्योय धापतात. पापण्यो कित्याक धापतात ? एकाद्रे संवयेन आसत, संस्कारान आसत वा अनुकरणान आसत.

पुणून त्यावेळार म्हज्यो पापण्यो पूर्ण बंद नासल्यो. दोळे अर्दकुटे उगडेच आसले.

—आनी श्री सत्यनारायण चक्क हांसतना पळयलें हांवे. दोळे उगडून पळयल्यार खंयचेकडेन कांय ना. हास्य केन्नाच अंतर्धान पाविल्लें.

गणपालो तो काळजाथावन केल्लो नमस्कार. तो आजून सोंपलो नाशिल्लो. दोळेय बंदच आशिल्ले.

म्हजेय दोळे बंदच आसात असो बी श्री सत्यनारायणाचो समज जालो ना मू ?

सर्वज्ञानी ते. तांका कळूं जाय आसलें.

हय ! तर श्री सत्यनारायण खंयच्या अर्थान हांसले, कित्याक हांसले म्हाका कळळेंच ना.

आतां तुमी तकली चलवन पळयात. एकादे गणित सुटत तुमकां.

सगलें सांगतां. जशें घडलें तशें सांगता. मीठ – मिरसांग कांयच ना.

फाटली गजाल. एक दीस, घरांत पांय दवरतनाच खबर कळ्ळी. गणपाल्या चल्याक हॉस्पिटलांत व्हेला s.

म्हजी बायल – वीणा सोप्यारच बशिल्लें. मांबावनशें.

"विजयाक हॉस्पिटलांत व्हेला. नकळो तुमी ! "

"कितें ? "

"हय. सरलाले हांडिवेल्यान निसल्लो. फातरार तकली आपटली आसूं जाय. रोकडेच दोळे वयर व्हेले."

"मागीर ? "

"कांदो घासलो, लसूण फुंकली. हां–चूं कांय ना. तकलेक व्हडलें बोंग आयला. तकलीच फातरार आपटली आसूं जाय."

"सरलाक खबर ना तर ? "

"तें कांय उलोवंकच तयार ना. आवयय घरांत कामार आशिल्ली ... दोतोराक सोदूं गेल्यार दोतोर ना. गणपाय घराकडेन नाशिल्लो."

"आतां खंय व्हेला ताका ? "

"चावडेर व्हेला. त्या गाब्रियालाली पिकप वताली काणकोणा. हात दाखयतरेच थांबलो बाबा."

"कोण कोण गेल्यांत ? "

"आवय आसा. शेजराचो आंतोन सायेर आनी म्हादेव गेला."

गणपा पडलो शेजारी. अडीनडीक सदांच पावपी मनीस. हांव हॉस्पिटलांत वचना जाल्यार म्हजेमदीं मनीसपण तें कितें उल्लें ?

अशें केन्ना तरी घडटलेंच हें हांव जाणाच आसलों. खात्रीच आशिल्ली म्हळचार जाता.

लग्न जालो, भुरगीं जालीं म्हुण संसार जाता ? संसाराक कितें तरी शिस्त जाय. घरांतल्या जाण्टयांनी आपल्याचेरच कांय बंधना घालून घेवंक जाय. भुरगींय तांच्या बंधनात जाय. भुरग्यांकय रितीभाती कितेंय शिकवूं जाय. मुख्य म्हळ्यार घरांतले घरकान्नीक घरांत घरपण हाडूंक कळूंक जाय. आवयबापायकच जर भुरग्यांचे कांय पडलें ना जायत, देवान दिल्यांत व्हड जातली कशींय म्हुण जर ताका बडयलें जायत जाल्यार तांचेमदीं कशी येतली शिस्त ? कशी कळटली तांका रीती–नीती ? तीं अशींच वाडपाचीं, मळार वांडिल्ल्या आंब्राळचा झोंपावरी.

आतां हो विजय. विजू घराण्याचो कुलदीपक. हय कुलदीपक. गणपाक आनी भुरगीं जावपाचीं ना. डॉक्टरानच ताका तशें सांगला 'बायल जर परती गुरवार रावली जायत जाल्यार तिगेल्या बऱ्या–वायटाचो जबाबदार गणपा तूं.'

म्हुण हो एकटो एकसुरो चलो. निमणो. बाकिच्यो तीनूय चलयो. सरला, सविता. सुजाता.

अडेच वर्सां पिराय ह्या विजूची. पुण ह्या अडेच वर्सांत दोन फावटी मर्णादारांतल्यान परतो आयला.

कारण !

दूद पिवपाच्या वयांत हाका दूद मेळ्ळेंच ना. मेळ्ळें ते वाटलीभर उदक आनी चमचोभर दुदाचो पिठो. नशीबय पळयात कशें तें. गणपाले बायलेक आंगावेलेंय दूद ना.

उदकाचेर तरी भुरगें कितले दीस काडटलें ?

पंदरा दीस विजू हॉस्पिटलांत. जगता काय मरता अशे स्थितींत.

गणपान दोतोराले पांय धल्ले. रडलो. आकांत केलो. आनी विजू वांचलो. हॉस्पिटलांतल्यान घरा हाडटना दोतोरान गणपाक सरळ सांगलें– हाका दिसाक अमकें अितलें दूद, एक तातयें दिवंकच जाय. नाजायत जाल्यार परतो म्हजेकडेन घेवन येनाका.

गणपा तरी कितें करतलो. जोडपी एकटो. बायलेक घोळटिकेची कामां सोडच सादचा कोणाल्या कामांत हातबोट घालपाचेंय लक्षण ना. नेटच चड. दीसभर भुरग्यांकडेन नाजाल्यार घोवाकडेन पिरपिर.

गणपा तसो कामाक वाग. दिसाचें काम मायत्याक करपाचे कापस्तादेचो. आमकां केन्नाय ताजोच आधार. दोतोरान सांगिल्ल्यावरी वागपाचो तो आपल्यापरीन यत्न करतालो.

विजू दूद पितालो. तातयां खातालो. तागेल्यो भयणी आंवडे घोट्टालीं. केन्ना केन्ना दूद चोरून पितालीं. तातयांचो नाकुटभर कुडको जिबेर दवरून चोखतालीं. आंगावेल्या एकच कपडचार दीस काडटालीं.

विजूली बलायकी सुदरत वताली. आंगार मासशी कात चडिल्ली पुणून त्या

सुदारपांत कितें अर्थ येत काय ? एक व्हड निरर्थक प्रश्न मुकार आसलो. पुणून आजून तो गणपाक दिश्टी पडलो नाशिल्लो जावंये. काय कळूनय बी हो ताजेकडेन दूर्लक्ष करता ? कळना जालें.

अडेच वर्सांचो विजू. आजून अलयना. चलना. घातिल्ल्याकडेन पडून रावता. केन्ना किळांच मारून रडिल्लोय आयकूंक येना. बटबटीत दोळे घुंवडयत रावता. तोंडातल्यान लाळेचो झरांव.

चलतलो. अुलयतलो. अमक्या अमक्यालो चलो कितलोसो अुसरां अुलयला. चल्ला. अशेंच चलतालें.

कांय दिसां अुपरान्त दूद – तातयांची अपुरबाय कमी जायत गेली. अरबट–चरबट कितेंय तागेल्या गोटांत वचूं लागलें. आवय खुटो च्या पितना लेगीत तो आपली जीब भायर काडूं लागलो. विजू च्या पिवूं लागलो.

" च्या पिवपाक कसो जीव भायर काडटा पळय. आनी जाय ले बाबाक ... हासता पलय कसो ... शानो तो."

विजू सदींच सरलाले नाजाल्यार सविताले हांडीर. ताका कसो घेवप – धरप हें तांका कशें कळटलें. आवयन सांगू नाका ?

हांडीर बसून बसून विजुले पांय फेंगडेले. फाटीकांटयाक बाग आयली.

कसलीच शिस्त ना. घरच्यांलो कसलोच धाक ना अशी हीं भुरगीं. मावाक हांडीर दवरूनच खेळप. धांवप. पागरावेल्यान उडी घेवप. विजू आंव्यापोंदा आनी ह्यो भयणी आंब्यार फातोर शेवटितात. आवय दारांत रावन हें पळयता. पुणून कांयच सांगना, धपकायना. पयर जें घडलें, तें केन्नातरी जावपाचेंच आसलें.

हांव जो हॉस्पिटलांत गेल्लों तो शेजारधर्मांक लागून. ह्या दूर्सांतच विजयान दोळे धांपचे अशेंच मनांत दिसतालें. तोय त्रासातल्यान मेकळो, घरचींय मेकळीं.

तागेल्या भाविष्यांत आसा तरी कितें ? सगळो काळोख. गुप्प काळोख. मेंदूचीय वाड ना, कुडीचीय सारखी वाड ना. घातिल्लेकडेन पडून रावपाचें जीवन आतां एक चलत. फुडें कितें ! कित्याखातीर तो जल्म ? ऐच्छिक मर्णाची सवलत मनशाक आसूं जाय. अशे तळमळे काडपी जीवांक दिवपाचें एक अिजेसाव–मोक्षाचें. जालो. खेळ खतम 'जन पळ भर म्हणतील हाय हाय.' एकदोन दीस 'हायहुय' जातलें.

पुणून अशें अुक्तेपणान अुलवूं येता ? वीणाक वगीच म्हजो हुस्को जांवक लागतलो. म्हजे तकलेर कितेंय अेफेत बी जालो म्हुण ताजे तकलेर टेन्शन येतलें.

हांव हॉस्पिटलांत पाविल्लों तेन्ना गणपाय येवन पाविल्लो.

विजू तो वेळमेरेन शाबुतभायरच आशिल्लो. सांजवेळमेरेन गुण येना जाल्यार मडगांव व्हरपाचें थारिल्लें.

पुण तशें कांय घडलें ना. तो रोकडोच शाबुतेंत आयलो. कांय वेळान हांवय घराकडेन परतलों.

वीणा वाटेक दोळे लावन बशिल्लें. खबर आयकना फुडें ताज्या जिवांत जीव आयलो. तो वेळमेरेन ताणे कांय रांदलें नाशिल्लें. शीत एक करून दवरिल्लें. कशेंतरी दनपारचें जेवण साकसून घेतलें. गणपालीं भुरगीय आमगेरच जेवलीं.

म्हाका एक प्रश्न सदींच पडटा. वीणालो खंयच्याय भुरग्यांचेर इतलो जीव कित्याक ? आमकां भुरगीं नाशिल्ल्यान ?

सांजेक चारांक सुमार गणपाकडेन पावलों.

"विजू कसो आसा रे ?"

"बरो आसा."

"हॉस्पिटलांत दवर म्हळा ?"

"हय. कांय दीस हास्पत्रेंतच दवर म्हळा. बायल आसा थंय ... येतां."

तो बरोच अस्वस्थ दिसतालो. भांबाविल्लो. खाला मानेन तो घराकडेन गेलो.

केन्नाय विचारांतसो आसल्यार तो असोच वागता. चडसो उलयच ना.

बरोच वेळ गेलो. गणपा घरांत गेल्लो भायर आयलोच ना. घरांतच बसून राविल्लो आसतलो. भुरगीं मात्र भायरच खेळत आशिल्लीं.

वीणाक कितें दिसलें देव जाणा. वचून तागेली खबर घेवन आयलें.

तो वण्टीक तेकून विडयो ओडत बशिल्लो खंय. नदर वाशार. आपल्याच विचारांत बशिल्लो. भोंवतणें विडयांची पोतांच पोतां.

वीणान विजूविशीं विचारतकेच जितल्याक तितलेंच उलयलो खंय.

वीणा फाटोफाट रोकडोच घरांतल्यान भायर पडलो.

"खंय रे ?"

"हास्पत्रेंत वचून येतां."

रातच्या साडे–आठ णवांक परतो आयलो.

विजूली खबर विचारपाक म्हुण आयल्यार हो पैसल्यानच उलयता. पुणून तरीय वास येतालोच. अुतर जडवतालें पुणून तसो तो 'तायटसो' नाशिल्लो. दुसऱ्या दिसासान तागेलें सगळें वेळापत्रकच बदललें – जेवतकर दनपरां आनी रातचें जेवण हॉस्पिटलांत घेवन वच. आनी ह्या घुस्पटेंत खंय कामाक वचपाचें अुल्लें.

एक दीस असोच खंयसान तरी आयिल्लो.

"खंय गेल्लो रे ?"

"ना, असोच भायर गेल्लों."

तकलेर व्हडलें वजें घेतिल्ल्यावरी तो चलत रावलो.

"यो. बस तरी म्हरे."

तो परतलो. न्हजो जाल्ल्यावरी येवन बसलो. हांवे शिगारा पाकीट फुडें केलें.

"कितें रे ? सामको विचारांतसो बसता. कांयच अुलयना !"

"हें ... हरशींच."

तो मिळमिळीतशें अुलयलो. विटिल्ल्यावरी हांसलो. बरोच वेळ कांयच अुलयलो ना. शिगराचो धुंवर भीतर घेवन भायर सोडीत बसून रावलो. नदर मात जमनीक वशिल्ली

"थोडच्या पैशांची नड आशिल्ली."

जमिनीवेली नदर हाल्ली नाशिल्ली. आपलेमदींच अुलयिल्ल्यावरी तो अुलयलो.

हांवे आयकले – नायकलेंशेंच केलें,

गणपा तसो प्रामाणीक. फटिंगपणा ताज्या आंगात ना. पुणून केन्नाय परिस्थितीक लागून ताका फटींग जावचें पडटा. अुदार घेतिल्ले पैशे जेन्नाचे तेन्ना दिवप ताका केन्नाच जमलें ना. एकदम हातांत पैशे येतले कशे आनी आयले तरी दितलो कसो ? जोडपी एकटो. खावपी तोंडां स. हाजेपैली घेतिल्लेच चाळीस रुपया ताणे म्हाका पाववचे आशिल्ले. तशें आमगेर कितेंय काम आसल्यार काम करप गणपानच. म्हाका ताजे मजुरेतल्यान कापून घेवपाक मेळटालें. पुणून हांवे केन्नाच घेतलेना. हांवे तशे कापून घेवचे अशें गणपाक दिसतालें. तशें तो अुलवन दाखयतालो. पुणून हातार पैशे पडटरेच आपुण जावन हात अुकलून ताणे केन्नाच तांतुतले कांय पैशे म्हज्या हातार दवल्ले ना, हेंय तितलेंच खरें.

परती एक फावट ताणे आपली नड म्हजेकडेन अुक्तायली.

हांवे ताजी गरज भागयली.

अुपकाराचे पडबिंब गणपाच्या चेऱ्यार हांसतालें.

"भाऊ, हे पन्नास आनी पयलींचे चाळीस. सगळेच..."

त्या हिसोपाक कांय अर्थ नाशिल्लो.

"पळवयां रे मागीर."

हांवे त्या हिसोपांतल्यान आंग काडून घेतलें. तागेले तें ल्हान जावन अुलोवप, म्हाका वगीच व्हडपण दिवप, ह्यो गजाली म्हाका संवयच्यो जाल्ल्यो पुणून तरीय आपूण हे पैसे बुडोवचो ना म्हुण परत परत विस्वास दितालो.

कांय दिसांनी विजयाक घरा हाडलो. पयलींच्या वरी तो 'सुदरल्लो.'

मदें दोन दीस गेले.

एक दीस तिनसांजचो, अचळय गजाली करपाक आयिल्ल्यावरी गणपा आमगेर पावलो.

हांगच्यो थंयच्यो खबरी जाल्यो.

"भाऊ, आंगवण, सांगणी सगळी हांवे पावयली. आतां एक अुल्लां. सत्यनारायणापुजा एक करपाची अुल्ल्या."

" मर्दीच सत्यनारायण आनी खंयचो आयलो ? "

" सांगून घेतिल्ले न्ही... दोतोरांक लेगीत आशा नाशिल्ली विजू बरो जायत म्हुण. देवालीच किरपा. "

ताणे बशिल्लेकडेनच देवाक हात जोडले.

" सांगणी पावकंच जाय न्ही. "

" परतो खर्च आयलो म्हरे तुका. कित्याक वगीच अितले बेगीन आडावन घेवन बसता. ? "

बल्सांत हात घालून ताणे एक पुडी भायर काडली. सोडयली. तातूंन चलयेले कानातलें रिंग आसलें.

ताणे सहज ती रिंग म्हज्या हातांत दिली.

" भाऊ, आसूं दी तुमचेकडेन. दवरून घेयात... म्हाका एक देडशेंक रूपयांची गरज आसली. "

तो दाडेचे खूट खरपीत ल्हान जावन अुलयतालो.

म्हाका ताजी तिडक माल्ली.

" कसलीं पिशेंपणा घेवन बसला. एक पैसो मेळचो ना. सत्यनारायणापुजेखातीर चलयेलें रिंग घाण दवरूंक अुटला ? परतें सोडवन व्हरूं जातलें म्हरे तुज्यान ? घे आनी शेंवटय घरा... देव जाय तुमकां ? देवाक सगळें कळटा. आनी एक पुजेक अितले पैशे कित्याक रे तुका ? "

ताका हांव असो झिडपून अुडयीतशें दिसलें नाशिल्लें आसये. तो सामको थंड पडलो. नेर्व्हस जाल्ल्यावरी जालो तरीच, गरजवंताक अक्कल नासता, तसो अुलयलोच.

" भाऊ. तितलो खर्च येतलोच. कळटा तो ? देवालें काम केल्लें सारकें करूं नाका ? "

" सारकें, किते सारकें ? घरांल्या घरांत कर. पन्नास–साठ रुपयांत जातलो. देव आनी धर्म ! तरी बायलेलें ते मंगलसूत्र घेवून आयलो ना. "

हांव ताजेर तापलों.

ताकाय राग आयिल्लो आसये. वोगी बसलो. येदोळचें तोंडावेलें ल्हानपण खंयचेखंय नाच जाल्लें. खंयतरी स्वाभिमान आंगाक फुलिल्ल्यावरी तागेल्या चेन्यावेल्यो रेषो बदलत वताल्यो.

हांवे गणपाक समजावपाचो यत्न केलो.

" अरे मेल्या, कितेंय मोडूंक वेळ लागना. घडूंक खूब त्रास पडटात. चलये रिंग घाणाक दवरपाचे भानगडेक पडनाका. पुजा कितें फाल्याच करूंक जाय अशें आसा ? करच तूं. पुणून सवकासायेन कर. आतां तुकां विजूलो खर्च जाल्लोच आसा. त्या खर्चांत आनी खर्च कित्याक ? थोडे पैशे हातांत घोळूं दी. तेन्ना करची

पुजा. देव आपणाली पुजा कर म्हण्टा तुका ? चल, घरा वच. पुजेवें तकलेंत घेवन बसनाका. आनीक एक म्हयनोमर वचू. तेन्ना हांवच दितां तुका पैशे कितेंय कमी पडल्यार."

तरीय तो बसूनच आसलो.

"घरा वचून थंड तकलेन विचार कर. आनी तुवें कितें थारायलां तें म्हाका फाल्या सांग."

दुसरे दीस तो म्हजेकडेन आयलोच ना. पुणून तागेली पुजेची तयारी चल्ल्या हें दिसतालें. आनी कोणेय ताजी गरज भागयली आसूं येता.

तागेली पिशेपणा पळवन हासचें काय रडचें अशें म्हाका जालें. आरे दुसऱ्यान सांगिल्लें तरी आयक. हाका विचार ना तो ना. बायलेकय कांय पडलेंच ना. चारशें रूपया खर्चून लेगीत पुजा करूक तयार जातलो.

आमचो वाडो तसो व्हड. वाडयावेल्या एकूण एक घराक पुजेचें आमंत्रण आशिल्लें. आमकांय आशिल्लेंच म्हणा.

पुजेदीस सकाळसानच गणपागेर लाऊडस्पीकर घणघणत आशिल्लो, फुल्ल वोल्युमांत.

शेजारपाजाऱ्यांनी नाल्ल, कापूर, अुदबत्ती घेवन वचून गणपाल्या आमंत्रणाक मान दिलो. वीणाय्र तांतून आसलें. तागेले बरेच नातलग पुजेनिमित्त्यान तागेर पाविल्ले.

पुजा सोंपिल्ली. लोक परतल्ले. त्यावेळार हांव गणपागेर गेलों.

हांव आयिल्लो पळवन गणपाक धन्य जाल्ल्यावरी जालें काय कितें हांव नकळो. पुणून तागेलो चेरो तशेंच अुलयतालो. तो घरांतली एक खुर्ची घेवन आयलो. ताजेर बस म्हुण तो म्हाका आग्रो करतालो. ताजो आग्रो पळवन शेंदरेवेलो अुठून कदेलार बसलों.

एक व्हड कार्य बरे तरेन पार पाडिल्ल्याची धादुसकाय गणपाल्या चेऱ्यार नाचताली. तो परतो परतो सांगतालो. अमको येवन गेलो. तमको हें हें घेवन आयिल्लो. घरांत बसपाक जागो नाशिल्लो. आमच्या घराचींय कोण येना आसतना रावलीं ना हां. केन्ना पावलो नाशिल्लो तो अमको अमको येवन गेलो. जांव बरें तरेन जालें सगळें. देवाली कृपा, आमीं करतले कोण ?

तो अुलयीत आशिल्लो. हांव आयकतालों.

म्हजी नजर हेवटेन तेवटेन भायर-भीतर भिरभिरत आशिल्ली.

गणपाले धाकले चलयेल्या हातांत प्रसादाचे दोन द्रोण आशिल्ले. तोंड ओल्या रोसान आनी पंचखाद्ये माखिल्यावरी जाल्लें. सरला विजूक घेवन देडपायांन दारांतच अुबें आशिल्लें. तें विजूक केळयाची फोड खावयतालें. 'बाब', केदी व्हडली फोड खाली पळय बाबून ' गणपालें ताजेकडेन लक्षच नाशिल्लें. तो म्हाका दिवपाक

म्हुण प्रसादाचो द्रोण भरतालो. म्हजी नदर सरलाल्या नागडचा कानांवेल्यान विजूचेर देंवली. तागेलो एक दोळो पुर्वेक जाल्यार एक इशान्येक लागिल्लो. तागेल्या तोंडातल्यान देंविल्ली लाळ तागेल्या स्वताच्या नव्या ताल्ल बनियानावेल्यान सरलाल्या नव्या पोलक्यावेल्यान देंवन पोन्न्या स्कर्टीत जिरताली.

देवाक नमस्कार करपाचे निमित्त्य करून हांव अुठलों. देवाक हात जोडले. गणपानय फाटोफाट जोडले. म्हज्यो पापण्यो बंद जांवक आयिल्ल्यो. इतक्यांत...

श्री सत्यनारायण चक्क हांसतना दिसले म्हाका.

●●●

□ १५ □

देवा, तूं पाव !

□ □ □

शाळेमुकाल्ल्यान बाजारांत वचपी सदुमाम महेशाक दिसलो आनी महेशान अदमास केलो. शाळा सुटूंक आनी थोडोच वेळ उल्ला. अितल्यांन बाईय शिकोवपाचें सोपोवन कदेलार वचून बसली. वॉक्ल काडून मेजार दवल्लें आनी ती दोळे धोळीत बसून रावली. महेशाक पयलींच सिग्नल मेळिल्लो. आतां ताजी खात्रीच जाली. आतां रोखडेंच टणटण. ताणे आपली पाटी आनी पुस्तक बोटव्यांत भल्लीं. बोटवो खांदयाक लायलो आनी एकेक बांकावेल्यान उडी मारत तो जनेलाकडेन धांवलो. जनेलाची वयली खिळी घातली. मदली खिळी घातली. जनेल धांपलें.

"महेऽश. जाग्यार बस पळवयां पयलीं."

फाटल्यान बाईलो धेंगसो पडलो.

"वेळ जालो न्हय बाई."

"ना, कळाव आसा अजून."

"सदुमाम पासयेक भायर सल्लो बाई."

"सरू, तूं येवन बस पळवयां जाग्यार."

आपणें सांगलें म्हुण तो बसचो ना हें बाई जाणाच आशिल्ली. तो आपलें तेंच करतलो आनी आपूण मारूंक गेल्यार तो आपणाकच नाचयतलो हेंय बाईक अणभवान खबर आशिल्लें. बाई मागीर महेशाल्यो उचापती पळयत ओगी बसून रावली. बांकावेल्यान उडयो मारीत मारीत महेशान चारी वाटांची जनेलां बंद

केलीं. कोनशाक दवरिल्ली घांट बडवपाची तोणी घेवन तो बाईल्या मेजाकडेन आयलो. बाईल्या घड्याळांत ताणे बारीकसाणेन पळयलें.

"घंटा मारूं बाई ?"

"पांच मिण्टां आसात."

तो धांवट भायर घांटीकडेन धांवलो. घांटीमुळांत घांट बडवपाचे तयारेंत रावलो.

"वेळ जातरेच सांग हां बाई."

"तूं ये भीतर. म्हाका नोटीस वाचून दाखवची आसा."

"कसली नोटीस बाई ?"

दुसऱ्या दिसा संसारपाडव्याची सुटी आशिल्ली.

बाईन नोटीस वाचून सोंपयली.

"चल रे. घंटा मार."

ताणे घंटा वाजयली. गुणून तांतूत कानांत वारो भरिल्ल्या पाडकाली मस्ती नाशिल्ली.

फुटिल्ल्या धोटेरांतल्या मुयांवरी भुरगीं शाळेच्या भायर धांवत सुटलीं.

महेश फाटल्यान उल्लो.

"बाई फाल्यां आमकांच सुटी काय सगल्यांक सुटी ?"

"सगळ्यांकच आसा. कित्याक रे ?"

"म्हगेल्या दादाकय आसतली ?"

महेशान आंवडो गिळीत विचाल्लें. तो रडकुरो जाल्लो.

महेशालो दाद मडगवां एके शाळेंत शिपाय आसलो. दर सुटेच्या दिसा तो घरा येतालो. बाई तें जाणा आशिल्ली.

दादाकय सुटी आसतली म्हुण कळटरेच महेशाक पोटांत झेल चेपयिल्ल्यावरी जालें. पोटांत घपघपूं लागलें.

महेश जड पावलांनी शाळेचें एकेक सोपण देवूं लागलो.

सदां शाळा बंद करचेवेळार भीतरच नाचत रावन दाराक कुलूप लायसर नाकाशिवड करपी महेश आज थंड कसो गेलो ? दाराक कुलूप लायतना बाईन फाटल्यान वळून महेशाक पळयलें. हें अजाप आजच घडटालें अशें न्हय. सुटयेच्या पयल्या दिसा तो असोच नेर्व्हस जातालो. केन्ना बाईन ताचेर विचार केलो नासलो. आज मात्र तें तिचे तकलेंत उल्लें.

आतां कितें करचें तेंच महेशाक कळना जालें. घरा वचपाक ताचें मन कांचवेतालें.

प्रतापमाम केन्ना केन्ना बशींत दिसता. आज दिसल्यार पळवचो. माम मेळ्यार मामागेरच वच्चें. ताचीं पावलां बाजारावटेन पडलीं.

त्या गांवचो बाजारय सुपुल्लोच. सगळींच सात आठ दुकानां थंय. गरजेच्यो वस्तू मेळपासारकीं. थंयच एक देऊळ. एका अर्दान देऊळ. एका अर्दान हीं दुकानां. देवळाकुशीकच बशी थांबतात.

महेश देवळांत येवून बाळग्यार बसलो.

कितलोसोच वेळ गेलो. बस आयलीच ना.

तो अुठलो. दुकानांफुडें पडिल्लीं कागदां, शिगारा पाकिटां ताणे सारवून पळयल्लीं. दोनचार बेगडी कागदां ताका मेळ्ळीं. तीं ताणे काडून घेतलीं. रिकामीं शिगारा-पाकिटां अुडवन दिलीं. ताणें पुस्तक अुगडलें. तांतुतली घडी घालून दवरिल्ली बेगडी-कागदां मेजलीं. सात. आनी हीं चार. ताणे बोटां मोडलीं. अकरा. पुस्तक घडी घालून बोटव्यांत दवल्लें.

तो परतो येवन देवळांत-बाळण्यार बसलो. पांच-स बशी वता येतामेरेन तो बसून रावलो. बस येतरेच तो फुडल्या दारांतल्यान चडटालो आनी फाटल्या दारांतल्यान देंवतालो. एकाय बशींत माम नाशिल्लो. महेश निर्शेलो.

आतां कितें करचें ?

शाळा सुटून तासभर जाल्लो. तो घरची वाट चलूंक लागलो.

राक्षसाक शिंगा आसतात खंय. दादाक ना कशीं ? पिलो जाल्यार दाद राक्षस जाता अशें सगले लोक म्हण्टात. दादाले दोळे राक्षसावरी तांबडेगुंज दिसतात खरे.

दाद आज घराकडेन येना जाल्यार पुरो. देवा तूं पाव. दादाक आज सुटी आसना जाल्यार पुरो.

पृणून दाद येतलो म्हुण ताजें हडुं धडधडत अुल्लें. ताच्या दोळ्यांमुकार परत परत दादालो चेरो येतालो. दर सुटये दिसाच्या रातचो.

राक्षस खुब्ब वायट खंय. सोरो पिल्ल्या दादा अितले वायट ? दाद राक्षस काय ?

दाद ! घप्प करून फाटल्या शेनवारचो दाद ताज्या दोळ्यामुकार आयलो.

महेश न्हिदिल्लो. दारार ढाऽढाऽ करून खोंटी बसताल्यो. त्या आवाजान महेश जागो जाल्लो. तागेले आईन चिमणी पेटवन दार अुगडिल्लें. दादान हात माल्लो ती चिमणी अुडयली... महेशाल्या आंगारच पडपाची ती. मातशी चुकली. पडिल्लेकडेनच तेल भायर येवन भगभगत अुल्ली. महेश अुब्रो आशिल्ले कडेनत थरथरत आसलो.

"तुका दार काडपाक अितलो कळाव कित्याक ?"

तागेल्या दादान आईल्या केसांक-शेंड्याक धरून हेवटेन तेवटेन झिडपिल्लें, आई वळवळ्ळी. तशेंच धरून दादान तिका जमनीर आपटिल्लें. आनी वेल्यान आपुण पोटार मुठी घालीत राविल्लो.

"आवय गे ऽ ! देवारे ऽ ! मेलेंऽरे देवाऽ !"

आवय सोंसू नजो जावन बोबो मारताली दाद मारतच आशिल्लो.

"कोणाक घेवन न्हिदिल्ली रांडे सांग."

हांवूच न्हिदिल्लो आईकडेन. म्हाका पोटाकडेन घेवन न्हिदिल्ली ती म्हुण दाद मारता आईक ? म्हजेंच चुकलें. हांवे आईकडेन न्हिदू नजो आसलें. तो आवयल्या पायांक मिठी घालून भिवन किळांचत राविल्लो. दादान ताकाय खोट माल्ली. कुशीक अुडयल्लो. आवय-चल्यालो कलकल जाल्लो.

शेजारी धांवन आयिल्ले.

दादाक ताणी ओडून व्हेल्लो. दादाले दोळे राक्षसावरी तांबडेगुंज दिसताले.

आईलें न्हेसण रक्तान भरिल्लें. खंयच घाय जाल्लो दिसना आशिल्लो.

आनी एक रात.

दादाल्या हातांत नुस्तें कापपाचो व्हडलो सुरो आसलो. दादान सुरो हातांत घेतिल्लो पळवन आई घराभायर धांविल्ली. दादान महेशाक एका हातांत घट्ट धरून दवरिल्लो. महेशाक कडकडो भरिल्लो.

"घरांत सर पयले. ना जाल्यार गळोच हाणटलों."

दाद हातांतलो सुरो नाचयतालो.

आई काळखांत लिपून बशिल्ली.

"यो म्हगो तें."

दादान महेशाल्या गळ्याक सुरो तेंकयलो.

"आपय, आईक आपय. नाजाल्यार कापतां गळो."

महेशाले दोळे भयान वाटये अितले वाटकुळे जाल्ले.

आई घरांत भीतर सरिल्ली.

भीतर येतनाच दादान तिका हातांतलो सुरो झिडपून मारिल्लो. आईक तो भुजाक लागिल्लो. भूज रक्तान भरिल्लें. महेश किळांच मारून रडू लागिल्लो.

दाद परतो सुरो घेवन आईल्या आंगार धांवन गेल्लो.

महेशान ताका चरचरीत घांस काडिल्लो.

शेजारी मदीं पडिल्ल्यान महेश त्या दिस सुटिल्लो.

एकेक याद पोटांत झेल घालताली. मुतूं जाल्ल्यावरी करताली, हड्ड्यांत खपखप घालताली.

यादी नाका म्हळ्ळ्यो तरी यादी तकलेंत येताल्योच.

आपले आनी आईले नवे नवे कपडे लांसून अुडयिल्ली याद.

मामान हाडून दिल्लो, नव्वो रेडिओ जमनीक मारून फोडिल्ली याद.

यादीच यादी.

थंड भिरांत. पोट कापून अुडवपी भिरांत.

महेश आपल्याच विचारांत. वाट पावलांमुळांत पडटाली.

कुशीच्याच दोंगुल्लेर महेशाल्याच वर्गांतले दोन–तीग मुरगे आंब्यार फातर शेंवटीताले. रूखार दरींच पिकिल्लीं घोटां दिसतालीं. लंव्वंट वेदोळसान ते तांका फातर मोखताले. घोसांक फातर लागताले. घोस हालताले पुणून घोटां पडना आशिल्लीं. भुजां दुकूं लागिल्लीं. घोटां चाळयतालीं. सोडून वचूंकय तांचे मन तयार नासलें. अितल्यांक तांका महेश दिसलो.

"महे ऽ श ! ये ऽ महेश ! "

"महे ऽ ऽ श."

"सामको भेड्डो म्हरे हो ! "

"भेड्डया ऽ ! महे ऽ ऽ श ! "

महेशाली नदर तांचेर पडली.

"वयर यो. आंबे पिकल्यात."

तो धांवतच दोंगुल्ली चडलो. घोटां पळवन तोय फुल्लो. रूखार चडूंक, फातर शेवटूंक तो सदींच फुडें. ताणे फातराफाटल्यान फातर मोकून पांच स घोटां पाडलींच.

ते सगळे घोटां चोखत दोंगुल्ली देंवंक लागले.

दुसरे दोंगुल्लेर धुंवराचे लोट मळबांत वतना दिसताले.

"कितलो धुकट पळय."

"तो म्हरे... अशोकाल्या आज्याक अुज्यार दवल्ला दिसता.

"अुज्यार कित्याक ? "

"काल मेलो तो. आज अशोक आयलो ना पळय शाळेंत."

"हय. मेल्यार अुज्यार दवरतात. व्हडलो अुजो करतात. म्हगेल्या काकाक दवरिल्लो."

"तेका दुखना, लासना ? "

"मेल्ल्या मनशाक दुखता ? "

"अुज्यार कित्याक दवरतात ? "

"तो देवाकडेन पावूं नाका ? लासतरेच तो देवाकडेन वता."

"धुंवर मळबांत वता. तेंतुतल्यानच तो मळबांत वता देवाकडेन."

"आतां ह्या धुंवरांतल्यान अशोकालो आजो मळबांत वतलो ? "

"तो पळय, तो वता. दिसता पळय."

"अें... मळबांत वतना तो कोणाक दिसता ? पिसो म्हरे हो ! "

"अशोकालो आजो कसो मेलो ? "

"तेका देवान आफयलो."

"आतां तो केन्ना येतलो ? "

"आतां येवचो ना."

"केन्नाच ना."

"ना."

आतां ते दोंगुल्ली देंवन रस्त्यार पाविल्ले.

मेल्लो मनीस परत घराकडेन येना. म्हगेलो आजो खंय आयला ? खुब्ब दीस जाले... दाद मेल्यार ? दाद केन्नाच घराकडेन येवचो ना. देवा तूं पाव. दादाक तूं तुजेकडेन आफवन घे. .दाद मागीर खुब्ब दीस येवचो ना. आईक-म्हाका मारचो ना.

महेश वाट चलतना 'देवा तूं पाव, देवा तू पाव,' चो जप करीत आशिल्लो.

आई सद्दां देवाली पूजा करता. त्याचखातीर आसतली. फाल्यां हांवूंय करतलो. खुब्ब फुलां हाडूंक जाय.

हे देवी शिर्शम्मा...... देवी शिर्शम्मा भ्रुंवभ्रुवभ्रुवभ्रव...... वाटेरच म्हार्कमकाराली बायल वाजयताली. म्हार्कमकारान देवीची पेट सकयल दवरिल्ली.

"ताप थंडी बरी करायी...गांवची रोगरायी बरी करायी... "

काळो पाशाणावरी म्हार्कमकार. आंगार कुकुमाचे पट्टे. दोळे तांबडेगुंज. हातांत येद्दें व्हडलें चाबूक. तो तें हवेंत गर्रर करून फिरयतालो आनी फडेच्च करून आंगार मारून घेतालो.

फडक फकव फट !

महेशाल्या हड्डुचांक कच्च जालें.

कमराच्या पट्टयान दाद आईक मारतना असोच आवाज येता

यवणमामा, यवणमामी थंडी ताप बरी करायी...गांवची रोगरायी बरी करायी...म्हार्कमकार कितें कितें बडबडटालो. कळानाशिल्ले.

म्हार्कमकार भोंवतणे जाण्टे नेण्टे अुबे आसले लोकांनी सुपात, मीठ, मिरसांग, कोचोप घालून हाडिल्लो. तें सूप ते देवामुकार दवरताले. देवाक पैशे घालताले.

महेश पळयीत अुबो आपलो. तो बावगलो. बारीकसाणेन देवाले पेटेंत ताणे पळयलें. भीतर खूब कितें कितें आशिल्लें. चांदेचे चकचकीत हात, सुरी, काती, ल्हानशेंच एक पाळणें आनी मद्दी कुकमान भरिल्लो देव. दोळे मोठ्ठे.

महेशानन देवाक हात जोडले.

"देवा, तूंच पाव म्हाका. कितेंय कर दादाक घरा धाडिनाका. जाय जाल्यार ताका तुजेकडेन आफवन व्हर. केन्नाच धाडिनाका. तुका हांव आंबो दितां."
ताणे बोटव्यांतल्यान आंबो भायर काडलो.

देवाक आंबो कसो दिवूं. लोक दुसरेंच कितें कितें दितात. पैशे दितात. हांवें तेंच दिवूं जाय. आंबो दिवन देव पावलो ना जाल्यार ?

"तूं फाल्या आमगेर यो हां."

म्हार्कमकारान तें आयकलेंच ना. महेशान तागेल्या तोंडासामकार बावगून

परतें सांगलें. म्हार्कमकारान हयकार दिलो.

म्हार्कमकारालें भुरगें महेशाल्या आंब्याकडेन आशेन पळयीतआसलें. महेशाक तिडक माल्ली. देवाक दिवूं जाय तो. मागीर ताका रोकडीच आईल्या अुतरांची याद जाली. ' देव खंयच्याय रूपान मागता. '

देव म्हजेकडेन मागना म्हू ?

आपल्या हातांतलें घोट ताणे त्या भुरग्याक दिलें.

महेशाली आतां खात्री जाल्ली. देव आपल्याक पावतलो.

दादाक आपणाकडेन आफवन व्हरतलो.

अुडयो मारीत तो घराकडेन शेंवटलो.

आनी कांचवेवन आकाडयांतच थांबलो.

आमगेर अितले लोक कित्याक जमल्यात ? कितें जालें काय ? रस्त्यारय लोक. घराकडेनय लोक. मोटरसायकलीय थांबल्यात...कोण रड्टा ? आईक कितेंय जालें ना म्हू ? दाद घराकडेन पावलो दिसता. आईक माल्लें काय ? अितले लोक...

" आयो गे ऽ "

बोब घालीतच तो घरांत धांवलो.

सोप्यार पळयल्यार लोक. घरांतय लोक. आई खंय ?

" आयो ऽ "

काचाबुल जावन ताणे परत बोब माल्ली. नदर आवयक सोदत आसली.

" आयो ऽ आयो ऽ ऽ "

आई जाप दिना. खंयच दिसना.

धव्या कपडयांक कितें तरी गुटलावन दवरिल्लें.

हें कितें ? हो कोण ? आई खंय ?

" आयो ऽ ऽ "

अितल्यांत ताका आई दिसली. ताजे आई भोंवतणी कोंडाळे करून खूब बायलो बशिल्ल्यो. तांका माडयीत ताणे आवयक वेंग माल्ली. आवय रडटाली. ती आतां आनीकय व्हडान रडूं लागली. परत परत परत परत.

तागेले आईले दोळे रडून सुजिल्ले.

दादान अितलें माल्ले आईक ?

महेश आईली खाडकी परती परती आपलेवटेन करतालो. तशी ती ताका फुडयांत घेवन चडच रडटाली. आई रडटा तें पळवन महेशाकय रडूं आयलें. तोय आवयक वेंग मारून व्हड व्हडान रडूं लागलो.

" आई, दाद येयील्लो ? "

महेशान रडत रडतच आईक प्रश्न केलो.

तिगेलो वोग आटापलो ना. तिगेलो हुंडको घोग्यावरी भायर पडलो. महेशाक आपणे कितें विचाल्लें काय दिसलें. तो भियेलो.

आवयच्या शेजराक बशिल्ल्या एके जाण्टेलेन ताका ओडून आपल्या खाक्यांत घेतलो.

"बाबा, रडनाका हां. दाद आमकां सोडून गेलो पुता. देवान आफयलो ताका रोकडोच. दोळे पूस."

महेशान खऱ्यांनच दोळे पुसले. खोशेचें एक ल्हार ताज्या आंगांत देवलें.

दादाक देवान आफवन व्हेलो ? अितले बेगीन देव पावलो ? दाद खंय तर ?

ताका याद जाली. आज्याक देवान आफयिलो तेन्ना आज्याल्या आंगार धव्वें चादर घालून आज्याक न्हिदयिल्लो. दिवली पेटवन दवरिल्ली. तो धव्या कपडचापोंदचो दाद न्हय म्हू ?

महेशाली नदर धव्या कपडचाचेर दसली. तोंड मात्शें दिसता. तो दोळे ताणून पळयीत रावलो.

"पळयता पळय कसो ! बापूय न्हय !"

"समजवपाचे तरी वय ? नाका गो बाये, काकुळत !"

"लागी व्हरून दाखवयां तरी पळवन घेऊं मागीर केन्ना पळवूं मेळटा."

एके बायलेन महेशाक अुठयलो. मडचाकडेन व्हेलो.

भोंवतण हळहळ्ळी. हुंदकेली.

महेश दोळे ताणून पळयीत अुल्लो.

दादच तो. दाद खऱ्यानीच देवाघरा गेलो ?

महेशाक तें फोट दिसतालें. दाद मदींच दोळे अुगडीत म्हूण मंय दिसतालो.

आजो देवाघरा गेल्लो तेन्ना माम, काका, आत्या, आजी सगळीं आशिल्लीं. आतां फक्त एक काकाच दिसता. अशें कशें ?

काकान ताका आपल्या म्हऱ्यांत घेतलो. तकलेवेल्यान हात भोंवडयलो.

"भोंवतणचे लोक फुतफुत्ताले.

"पिवन तरं जाल्लो खंय."

"मोटरसायकलीचो ॲक्सीडेंट खंय."

"सदींच रफ तो. तातूंक सोरो."

"घडलें तरी खंय ?"

"मडगांव. आक्यां भाव पोलीशेंत आशिल्ल्यान तरी मडें अितले बेगीन घरा हाडूं मेळ्ळें. आजून घरच्यांक–सगळयांक खंय खबर आसा ?"

सगळेजाण रडकुरे जावन अुबे आसात. दिवलीं पेटवन दवल्ल्या. आज्यावेळारय अशेंच आशिल्ले. तर दाद खरोच देवाकडेन गेलो. देव पावलो. आतां दाद केन्नाच घराकडेन येवचो ना. बडवचो ना.

WORLD KO… LIBRARY 1824

महेशान आपल्याक काकाल्या खाक्यांतल्यान सोडवन घेतलो. तो अुब्रेन अुमेदीन आवयकडेन धांवलो.

आवय तोंड लिपयन रडत आशिल्ली.

ताणे आवयल्या तोंडावेले हात पैस केले.

"आयो... आयो..." आपली धादोसकाय, आनंद ताका आवयक सांगनसो जाल्लो.

पुणून आवय ताका वेंगेंत घेवन परती व्हडव्हडान हुंडकेवंक लागली.

आईक पळयतां पळयतां महेशाकय रडूं आयलें.

●●●

□ १६ □

गीद

□ □ □

सदाले बायलेले सदाले वाटेकडेन दोळे लागिल्ले. भुरगीं शाळेंत गेल्लीं. देर भायर कामाक गेल्लो. घर खांवक आयिल्ल्यावरी दिसतालें. कितेंय काम काडून तिणे वेळ पासार करपाचो यत्न केलो. पुणून कितेंय आडावन घेवन बसलें तरी अुमेदच गेल्लेवरी जाल्ली.

धा–एक वर्सांपैलीं हुंबऱ्यावेलें माप अुमथून ती ह्या घरांत आयिल्ली. आनी आतां त्याच घराचो हुंबरो बांदाळून भायर पडपाची वेळ आयिल्ली. फाटले पंदरा दीस ह्याच विचारांनी अर्दमेली जाल्ली.

सदा आजून पावंक नाशिल्लो.

भाटकारान रकाद धाडिल्लो आनी थंयच तो गेल्लो.

सदाले बायलेक कितेंच सुचना जालें. कित्यांतूच मन रिगना जालें. ती अुटून शेजराक गेली.

शेजान्न तांदूळ विचीत बशिल्ली. सदाले बायलेनय थोडे तांदूळ आपलेकडेन घेतले.

"केन्नाय तूं तरी कित्याकय हातबोट घालूंक मेळटाली. आतां तूंय चल्ली. कोण आसा गे ह्या वाठारांत ?"

शेजान्न.

सदाली बायल वगीच रावली. तिका आनीक अिल्लें कालयिल्लेवरी जालें.

"...तुमी घर सोडून वतात म्हुण आमकां हें पळय वयरसकल जाता. तुमकां किते जावंक फावो. तुमचें तर स्वताचें घर."

"व्हने, ह्या दिसांक जेवण लेगीत चलना गे. अितलो तेप घर म्हुण मानिल्लें... रावूंक खंयय झोपडी मेळटली. पुणून ह्या हातान हांवे हें घर सारयिल्लें, शेण काडिल्लें, तें घर सोडून वचूंक जीव जायना गे...आमगेले हे गेल्यात भाटकारागेर. येवन मेळ म्हणिल्लें ताणे. कितें सांगता पळवंचो."

"कसलें मरण मरतलो हो वास्तेव भाटकार, देव जाणा! घर मरून दार ओतता. हो येदोसो तिरांटो कसो जमनीचो कुडको विकना जाल्यार हो किनें अुपाशीं पडटा आशिल्लो...हो पळय तुगेलो घोव आयलो गे."

सदा आकाडचांतल्यान भीतर सरतालो.

"व्हने, मागीर येता हां. दवर ते तांदूळ. हांव विचून दीन."

सदाली बायल ताकतिकेन फाटलेवाटेन घराकडेन गेली. दार अुगडलें ह्या दिसांनी सदा किरकिरो जाल्लो. ल्हान ल्हान गजालिचेर तिडकतालो. दार बंद पळवन तापत तर? सदाले बायलेक भिरांत दिशिल्ली.

सदाले बायलेन घोवाखातीर च्या कडयली. ती च्या घेवन भायर आयली. सदा विडी फुकशीत बशिल्लो. दोळे धांपून.

"भाटकार मेळ्ळो तर!"

"हं......"

न्हिदेंतल्यान अुठिल्ल्यावरी सदान विडयेचो दम घेतलो. ती पेटलीच ना. ताणे तें विडयेचे पोंत भायर शेवटिलें आनी च्याचो घोट घेतलो.

"कितें म्हण्टा भाटकार?"

"ह्या आठ दिसांभीतर दुसरेकडेन खंयतरी रावपाचें पळवचें पडटलें. एक तारीख मेरेन प्राज दिला भाटकारान."

"घराचें कितें खंय?"

सदा विडी फुकशीत वगी बसून रावलो. सदाली बायल जमनीचे खवळे काडीत जापेची वाट पळयत रावली. सदा मोनो कसो बशिल्लो.

सदाले बायलेक आनी चड अुलवपाचो धीर जालो ना.

सदा तसोच अुठलो. भायर सल्लो. चार पावलां वतरेच फाटीं वळ्ळो आनी व्हाणो चडवन भायर सल्लो.

लायट गेल्ल्यान सगळेकडेन काळोख काळोख दिसतालो. काजुल्यावरो खंयखंय मेणवाती पेटिल्ल्यो. फिलोमॅन आण्टीगेरच मिणमिणो अुजवाड दिश्टी पडटालो. सदान दोनचार फस्का काडयो पेटवन आपणाल्या पायामुळांतली वाट तपासली. तो आण्टीगेरची सोपणां चडलो. आण्टीकडसून ताणे एक विडयांचो काट आनी एक माडेलाचो पाव मागून घेतलो. थंयच बसून ताणे एक विडी पेटयली.

ग्लास घेवन पाव तानूंत लकवचो अशें ताका दिसतालें. एकवटेन नाकाय अशें दिसतालें.

म्हयनोभर आदीं पिवन आजनेरी केल्ल्यान ताका वाटेर बरोच पेट पडिल्लो. तेन्नासान गादयेर बसून पिवप ताणे सोडिल्लें. घराकडेन व्हरूनच तो घेतालो.

आज तागेली तकलीच भरेल्ल्यावरी जाल्ली.

घराकडेन गेल्यार नागेश अशें तशें सांगतलो. बायल वगीच बशिल्लेकडेन दोळयांत दुकां काडटली. हें...माल्ल्यारच बरें अिल्लें.

आण्टीगेर भितल्ल्या कुडांत कांय जाण बशिल्ले. सदान जनेलाखाचीतल्यान भीतर नदर मारली. काशीनाथ, प्रभाकर, जुवांव, अनंत बी बशिल्ले. काल ताणीच ताका बुदवंतपण सांगिल्लें. घरांतल्यान भायर पडनाका म्हूण. कितें जाता तें मागीर पळवन घेवयां म्हुण धीर दिल्लो. सदान बशिल्लेकडेन काळखांत आनी अिल्लें आंग आखडून घेतलें.

हे आनी हांगा बसल्यात दिसता. वगीच आयलों हांव हांगा. सदाक वगीच खाकुडिल्ल्यावरी जालें. दिसल्यार कितेंतरी अुलोवप जातलेंच. झक मारूं.

सदान भितल्ल्यान कान दिलो. हे म्हजे विशींच कितेंतरी अुलयनात म्हू ?

मेजावेली बाटली अिल्ली अिल्ली ग्लासांत लकत वताली. शिगारां-विडयो पेटटाल्यो. एकेक खबरेक रंग भरतालो.

" तशें पळयल्यार सदा बी रावता तें घर वास्तेवालेंच. सदाले आवयक-अमृत्याक वास्तेवान दवरून घेतिल्लें. तेन्ना ताणे अमृत्याक रावंक म्हुण मुद्दम बांदून दिल्लें तें. "

" दिल्लें म्हळयार. दिवपाचेंच. खरें तर नांवार करपाचें. ताका ताणे ल्हानसो जमनीचो कुडको लेगीत दिवपाचो. एक बायल पावना हेंकां. दुसरी जाय. जापसालदारकी मात नाका. "

" हे आतां दिसतात ते पिकिल्ल्या केसांचे सगळे बामण तेच जातिचे. रातीन लाटण घेतलो आनी पडले भायर. "

" त्यावेळार सर्रास चलतालें. भाटकार न्ही. पद्दतच पडून गेल्ली. "

" पुणून अमृत्यान घोवा बायलेपरसय चड केलें. मरता मेरेन प्रामाणिक रावलें. वास्तेवान कितें केला ताजेखातीर ! वयार आसामेरेन ताका नाचयलें. मागीर खबर ना वासपूस ना. हांगा थंय घोळून पोट भल्लें म्हरे ताणे, आपलें आनी भुरग्यांलें. "

" येदो व्हडलो कुकूम लायतालें. वास्तेवान पयलीं भांगरय घातिल्लें ताका. "

" आनी आतां मरतरेच घरय विकूंक काडलें ! "

" हो सदा घड न्ही रे. अरे मेल्ल्या, वास्तेवाल्या रक्ताचे म्हरे तुमी. झगडात ताजेकडेन. वांटो मागात. हांव जाल्यार गोमटेक घास मारतां आशिल्लो. "

"तो नागेश मासो अभिमानी. हो सदा पोतो."

सदाक केन्नाकाळ थंयसान अठल्यार पुरो जालें. ग्लासांतले कुट्ट करून ताणे ताळयांत लकयलें. तोंड आंबट-तोरट करीत तो अुठलो. ओठांवयल्यान बोटां पुसत भायर सल्लो.

सदालो भाव नागेश, जेवणा जातली आनी सदाक आपुग जाप विचारतलो म्हुण राविल्लो.

सदा न्हिदपाची तयारी करतासो दिसतरेच नागेशान विशय अुस्तिलो.

"अण्णा, भाटकारान आपयिल्लो खंय तुका !"

सदान एक हुंकार दिलो.

"दोन हजार घेवन घर सोडूंक तयार जाला खंय तूं. भाटकाराकडसान हजारभर घेतल्यात खंय तुवें."

-सदा वगी रावलो.

"पैशे घेतना, कोतंराद करतना, आमकां कांय सांगप ना ? आमी कोणूच न्ही ?"

"आनी कितें करचें आशिल्लें हांवें ?"

"भाटकाराकडेन वतना, म्हणचें आशिल्लें तरी."

"तुका सांगून तरी कितें करप ? आज अितले दीस सांगता तुका हांव. तू आयकूंकच तयार ना. कोर्टांत वचयां म्हण्टा. वगीच जाता तें ?"

"आतांय हांव तेंच म्हण्टा. घेतिल्ले हजारभर परत कर. मागीर पळवयां."

"आरे, कोर्टांत वचून कितें करप ? खंयच्या आदारान वचप ? तूं म्हण्टा म्हुण गेल्यार जायत. घर तरी आमच्या नांवार आसा ? तेंय नां !"

"कोर्टांत गेल्यार आमी जिखतात खंय. काशीनाथबाब, सगले तशेंच सांगतात. भाटकारान आमकां आमचो हक्काचो वाटो दिवंक जाय. आतां तसो कायदो आयला खंय."

"तुकां कळना रे तें. लोकान तोंडान अुलयलें म्हुण जाता ? कोर्टांत वचप सोपें ? पैशे नाकात ? आनी आमी कोर्टांत गेल्यार तो कितें आमची तोंडा पळयीत बसतलो ? तुकां काय कळना. वगी राव पळवयां."

"कायदो आमचे वटेन आसल्यार तो कितें करतलो ?...तूं एकटोच कित्याक गेलो भाटकारागेर ? हांव येता आशिल्लों...तागेल्या भुरग्यांक विचारपाचें. बायलेक विचारपाचें. हो करता तें कितें ?"

"तुकां सांगल्यार कळना रे. थंड जा पळवयां."

"कितें वगी राव. कितलो तेप वगी राव. हांव सोडचों ना तेका. वच्चें पडू फांशेक."

नागेश फरफरत रावलो. अुठून भायर वचून बसलो. थंयच हाथरुण सोडवन

आड पडलो.

भीतर सदाय विचारांत हुकमळत अुल्लो.

ताका भितल्ल्यान खतखतो येतालो. पुणून आपल्या हाथरुणाची लांबाय तो जाणा आशिल्लो.

कितें करतलो ? कितें करचें ?

माटकाराक चांचावचेशें ताका दिसलें. आवयकय ताणी गाळी सवल्यो.

काळखांतच बिटीबिटी दोळयांनी पाडसाक नदर लावन तो तसोच पडून रावलो.

सदाक रातभर न्हीद लागलीच ना. सकाळ जातरेच नवो दीस अुजवाडिल्लो पळवन ताजें मन भियेल्ल्याबशेन जालें. कितें करचें ? कांयच कळना जालें.

जीव अुबवन अुडयिल्ल्यावरी जाल्लो. कित्यांकूच मन लागना जालें. अुमेदच नाशिल्ली.

बाजारांत सदालो एक भाजीपालो विकपाचो गाडो आशिल्लो. थंय लेगीत तो गेलो ना. घरांतूच बसून रावलो. कितल्योशोच विडयो चाखिल्ल्यावरी करून ताणे अुडवन दिल्यो. विड्डी ओडूंक लेगीत रूच नाशिल्ली.

दनपरां नागेशाकडेन ताणे परतो विशय काडलो.

"कितें करयां म्हण्टा ? "

"तुका बरें दिसता तें कर. आतां म्हाका विचारून कितें जातलें ? "

नागेशान विशय सोंपयलो. सदा खूब अस्वस्थ जालो. कोणूच विस्वासांत घेना. कोणूच आयकून घेना.

विचार करूनकरून तो विरार जाल्लो. सांज जायत आयिल्ली. आंगार खोमीस लकवन तो भायर सल्लो.

तो श्रीनिवास पैंगेर पावलो तेन्ना श्रीनिवास पै भायर सोप्यारच पेपर वाचत बशिल्लो. ताका घरांतच पळवन सदाक मात्शें सूऽ जालें.

"यो बस."

पैन ओक्लांतल्यान नदर दिली.

सदा बसलो. विशयाक कसो हात घालचो ह्याच विचारांत तो बसलो. हाडून दिल्ली च्या खाकुडत खाकुडत ताणे सोंपयली.

"हरशीं आयिल्लो म्हरे ? "

"काम जावनच आयिल्लों."

"हांवय म्हण्टा, सदा कसो वाट चुकलो."

पै मुमुरखो हांसलो.

"हांव मात्सो अडचणेंत पडलां. माटकार घर विकता खंय."

सदा जमनीर नदर लोळयीत उलयलो.

"आयकल्लें हांवें. तुवें किते थारायलां?"

वॉक्ला खाचींतल्यान पैन नदर माल्ली.

"थारायलां आनी किते? अुठचें पडलें ना. आमच्यान भाटकाराकडेन झगडूं जाता?"

पैन पेपर काडून कुशीक दवल्लो. मांडी मोडली. शिगार पेटयलें. सदाफुडेंय पाकीट धल्लें. सदा घेवंक अनमनलो. पैन तशेंच तें काडून कुशीक दवल्लें.

"सदा हांव सांगतां तें तुका पट्टा जाल्यार पळय. तू घरांत रावलो वो भायर सल्लो म्हूण म्हाका कांय सोयरसुनक ना.

पुणून भायर सरचे पयली धावाटांनी विचार कर. पिशेपणा करी नाका. तूं भायर सल्लो ना जाल्यार भाटकार किते करीत? बळजबरेन तुका भायर काडीत? म्हाका दिसना. कोर्टांत वचत. तो कोर्टांत गेल्यार तुकाच बरें. आनी हांव सांगता, तो तुकां, तुज्यान कांय करूं जायना, तू दुर्बळ म्हूण तुकां नाचयता. तू खटून बस. भायर सरना म्हूण सांग. आनी मागीर पळय. दोन हजार दिवन फटवंक सोदता म्हरे तो तुका. मागीर पांच–स हजारांचेर तरी येतलो. पन्नास हजारांक विकूंक काडला म्हरे ताणे तो कुडको. गिरायकय मेळळां ताकां. तूंय आडावन धर. ताणून धर.

तूंय मात्शें चितून पळय. हो वास्तेव, मनीस असो, दिसता तुका? तागेले रमेश, शेखर आनी तूं आनी नागेश किते फारफेर आसा? तुमकां तें घर आनी जागो हक्कान मेळूंक जाय. कायद्यान मेळूंक जाय. तुगेली आवय–अमृतें भांगर मनीस. हांव वळखता न्हीं तिका. नेण्टेपणासान. ह्या वास्तेवाक धंद्यांक लॉस जालें. अमृत्यान आपल्या आंगावेल्यो वस्ती काडून ताकां दिल्यो. तागेल्या हक्काचे बायलेन दिल्यो ना. वास्तेवानच केल्ल्यो रे त्यो. बरें ऽ भांगर करून घातिल्लेंय बी ताणे ताका. बरें तें बरें वायट तें वायट म्हणू जाय. किते?"

सदा वर्गाच बसून आशिल्लो. ताका हें सगलें नाका आशिल्लें.

"हें पळय, तुका वायट बी दिसत, पुणून ओग आयला म्हाका म्हूण अुलयलों. हय. तर अमृत्यान भांगर दिलें. परतें हाणे करून घातलें? कामापुरतोच माम. आनी आती आज तुमकां घराभायर घालूं अुठला.

पटल्यार घे. पटना जाल्यार सोडून दी. पुणून एक सांगतां फाल्यांच अुठ म्हणलें म्हुण अुठ नाका. तसोच प्रसंग आयल्यार आमगेर यो आमचें घर व्हड आसा. एक दोन कुडी दीन तुका हांव."

पै बरोच बुदवंत मनीस म्हुण सदाय जाणा आशिल्लो. पै आनी वासुदेव भाटकारालो जमनीक लागून तंटो आसा. हेंय तो जाणा आशिल्लो पुणून तरीय ालें अुतरान अुतर ताका पटिल्लें. सदा चडच घुस्पलो. किते करू? कशें करू?

सदा बिराड पळवंक म्हुण पैगेर आयिल्लो. आतां आनी ताका तो विशय

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001215

काडपाचें बळगें अुरूंक नाशिल्लें.

"बरें येतां तर."

म्हुण तो थंयसान अुठलो.

"कित्याक आयिल्लो ते सांगलेंच ना म्हरे तुवें ?"

"ना, हेंच विचारूंक आयिल्लो किते करचें म्हुण कळना जालें. तुमची बुद्द घेवंक म्हुण आयिल्लों. बरें येतां हांव."

"भियें नाका. हांव आसां तुजे फाटल्यान."

पैन वेतां वेतां ताका धीर दिलो.

सदाली तकली सामकी भेरेल्ली, तागेलीं पावलां फिलोमॅन आण्टीले गादये वाटेन पडूं लागलीं.

सदान घड्याळाचेर नदर माल्ली. सांजेचीं सात वरां जायत आयिल्लीं.

आण्टीगेर काळखांत कोनसो असो सोदून सदा बसलो. माडेलाचे घोट ताळ्यांतल्यान जळजळत देंवत गेले. सदाक मात्शी तरतरी येत गेली.

रातचीं णव वरांमेरेन सदा थंयच आशिल्लो. मागीर तो अुठलो. पांय पांयांकडेन पडना आशिल्ले. लकत लकत तो सोपणां देवलो. वाट चलूंक लागलो. वाट चलतां चलतां ताका भाटकाराली याद आयली. भाटकाराक गाळी सवत तो फुडें सल्लो.

वासुदेव भाटकाराल्या घरांत दिवो जळटालो. टी. व्ही. चो अुजवाड जनेलांतल्यान भायर सरतालो आतां सदाक भार भरिल्ल्यावरी जालो.

"चेडयेच्या, म्हाका नागयता ? म्हाका घरांतल्यान भायर सर म्हण्टा चेडयेच्या. ना, हांव अुठना घरांतल्यान. कितें करता तें कर. कर कितें करता तें. कर—

आसा कायोस्ताद जाल्यार यो भायर. आतांच शिकयतां तुकां बुद्द. मांयझंत्रण्या चेडयेच्या—

भाटकार ! यो रे तो भायर.

म्हाकां भायर घालता ? कसो घालता तें पळयतां. तुगेले दोन हजार घाल गांडीक मुत्तां हांव बसून."

काराल्या पागराभायर रस्त्यार रावन सदा गाळी सवतालो. व्हडव्हडान आडुतालो. नाचतालो, थुंकतालो.

भाटकारान दारय काडलें ना आनी ताका जापय दिली ना. जशें काय घरांत कोणूच नाशिल्लो. शेजराचे लोक मात जनेलांत तकली लावन पळयताले.

कितलोसोच वेळ सदालो बोवाळ चालू अुल्लो. आनी अचकीत तो थांबलो. कारीन करकरीत ब्रेक मारिल्लो आवाज आयलो.

जनेलांत तकली घालून आशिल्ले, बोवाळ घालीत घालीत रस्त्यार धांवले.

भाटकारान दार अुगडून पळयलें.

दारामुकारच कार थांबिल्ली. सदा कुशीकच पडिल्लो. तकलेंतल्यान रक्त व्हांवतालें. कारीचो पाव्रांव सामको काचाबूल जाल्लो दिसतालो.

गर्दी करून लोक जमले.

परिस्थितिचो नियाळ जालो.

कार मालकान ॲक्सिडेंट चुकवपाचो यत्न केल्लो दिसतालो. सदा कारीमुकार अचकीत आयिल्लो आसूंक फावो अशें दिसतालें. कारीच्या दाराकडेन आपटून सदा कुशीक पडिल्लो. तकली फुटिल्ली. मुजाक मार बशिल्लो.

भाटकाराच्या चल्यान स्कूटर भायर काडली. बेगोबेग दोतोराक हाडलो.

मडगांवां व्हरपाचें थाल्लें. भाटकार वासुदेवान फुडाकार घेतलो. ताणे कारमालकाकय धीर दिलो. भाटकारान आपली कार भायर काडली. सदाल्या भावाक नागेशाक आफवन हाडलो. सदाक कारींत घालून नागेशावांगडा भाटकार मडगांवा वचपाक भायर सल्लो.

ते राती वासुदेव भाटकार रातभर सदा बांगडा हॉस्पिटलांतच अुल्लो.

तिसऱ्या दिसाय भाटकार हॉस्पिटलांत वचून आयिल्लो. दोतोरान व्हडलो हुस्को दाखंव नाशिल्लो. आनी भिरांतय ना अशेंय सांगू नाशिल्लें.

आनी चौथ्या दिसा सांजेचो सदा सोंपलो म्हुण भाटकाराक कळ्ळें.

भाटकार सदागेर पावलो तेन्ना सदाक घरा हाडिल्लो. लोकय आयिल्ले. कलकल जाल्लो

वासुदेव भाटकारान सदाल्या बापोल्याक कुशीन आफवन घेतलो. धीर दिलो. शंबर रुपय हातार दवल्ले खर्चाक म्हुण. भाटकारान फुडारपण घेतिल्लें पळवन सदाल्या बापोलयाकय सू ऽ जालें.

आपली एक सुकिल्ली काज हाणून भाटकारान लाकडांचो प्रस्न सोडयलो. घराकुशीचेच कोंडे कापून निसणीक दिले. अुदबत्तेचे धा-बारा पुडे हाडून दिले. सादाल्या मर्णाविळार भाटकार बरोच वावुल्लो.

सदालो बारावो जावन चार-पांच दीस जाल्ले.

सदालीं भुरगीं शाळेंत वचूंक लागिल्लीं.

नागेशानय गाडो अुगडिल्लो.

वासुदेव भाटकार एक दोन फावटी नागेशाक सहज भेटलोसो करून गेलो.

दुसरे दीस भाटकार गाड्यार आयलो. बसलो. नागेशाकडून फस्क घेवन ताणे शिगार पेटयलें.

नागेश हुंदरांनी खाल्ले बटाट वेंचून काडटालो.

"कळ्ळें म्हरे नागेश. भाजेचें एक शास्त्र आसा. लोकांक भाजी ताज्जी दिसपाक जाय. ती पळवनच लोकांक घेवचीशी दिसूंक जाय."

नागेश आपलें काम करीत रावलो.

"एक फावटी हाडली भाजी. ती आठ दीस विकली म्हुण वेपार जाता? गिरायक येता? दोन दोन दिसांनी तरी भाजी हाडूंक जाय. केन्नाय खंयचीय भाजी फाल्त करूंक जायना. अमकी भाजी नागेशाल्या गाड्यार मेळटलीच म्हुण विश्वास येवूंक जाय. सदाक कितले फावटी सांगलें हांवें. ताका तें कळ्ळेंच ना.

तुका पैशांची बी गरज पडल्यार म्हाका सांग. कळ्ळें? आनी एक. धंदो करतल्याक कसलेंच व्यसन अुपकारना. सदालें पळयलें म्हरे? पिवन अशें कशें करून घेतलें. पयले दीस म्हजेकडसून अेक हजार घेवन गेल्लो तो. सगळेच मागतालो. खर्चून बसत म्हुण दिले ना. एक हजार म्हजेकडेन अुरिल्ले. तुका म्हणिल्लें आसतलें सदान."

"वाग खाल्ल्या ह्या हुंदराचो कितेंय बंदोबस्त करचो पडलो."

नागेशान चोबूलभर कुसके खाल्ले बटाट दारांतल्यान भायर शेवटिले.

भाटकारान सदऱ्याचे भितल्ल्या खिशांतल्यान नोटींचें एक बंडल भायर काडलें. मेजून नागेशाकडेन दिवंक केले.

"फळयार दवरात. हात बरे ना. घाण जाल्यात."

नागेश आपलें काम करीत रावलो.

"साडेपांचशी आसात. मेजून पळय. मसणटेर त्या दीस देडेक पिकप लाकडां लागलीं. तिनशींच धरल्यात ताजे हांवे. तुगेल्या बापोल्याक खर्चाक म्हुण शंबर रुपय दिल्ले. कोंडे-अुदबत्ती असो बारीक खर्च एक पन्नास रुपय जालो. पळय, मेजून पळय. अुरिल्ले पांचशें पन्नास हे पळय."

नागेश भायर पळयत, विडेचो धुंवर सोडीत रावलो.

"हय, तो जागो दिवपाचे निश्चित जालें. अुतरय जालां तेन्ना... तुमी दुसरेकडेन खंयय रावपाचें पळवप बरें. घेतिल्लो तो मनीस म्हजेकडेन दोन-तीन फावटी येवन गेलो. अजून तुमी अुठले ना. केन्ना अुठले म्हूण विचारत आसा. हांव ताका थोवन धरीत आसां पळय, ह्या म्हयनेभराभितर खंयय दुसरे कडेन पळय...सदालें अशें जाल्ल्यान म्हाका तुमकां सांगून कितेशेंच दिसता. पुणून कितें करतलों. आतां मालक पडलो तो...खरें तर सदा वाचपाचो. ताबडतोब व्हेलो ताका हांवे हॉस्पिटलांत. हे आतांचे दोतोर खरे न्हीं रे. व्हेल्ले हिसबान वाचूंक जाय आसलो तो...मडगांव व्हेले म्हुण पेत्रोलाचे पैशे बी मोडून घेतले ना हावें. मनीसच गेलो मागीर पैशे कित्याक!"

मोन्यानी आयकतां आयकतां नागेश हुस्कारलो.

भितल्यांक एकटो पेपर घेवन आयलो.

"वास्तेवबाब तुमचो फोटो आयला पेपरांत."

पेपर घेवन येवपी गांवच्या आदर्श मण्डळाचो सेक्रेटरी आशिल्लो. तांच्याच

एके कार्यावळीवेळार काडिल्लो फोटो पेपरांत आयिल्लो

"म्हजो ? "

वासुदेव भाटकारान वॉक्ल काडून दोळ्यांर चडयलें. पेपर हांतात घेतलो.

" हय म्हरे ! "

वासुदेवबाबान बारीकसाणेन फोटो नियाळळो. फोट्‌यासकल बरयिल्लो मजकूर वाचलो. वॉक्ल काडून हातांत घेतलें.

"तुमचीं फोकाणा हीं. तरी तुमगेल्या त्या अनीलाक म्हणिल्लें म्हरे हांवे. असलें काय करू नाकात म्हुण."

वासुदेवबाब पेपर घेवून आयल्याबरोबर अुठून चलूं लागलो.

"मेजून पळय हां. थंयच फळ्यार दवल्ल्यात."

वतां वतां भाटकारान नागेशाक याद करून दिली.

नागेशाक पेपरांतलो फोटो पळवंक मेळ्ळो ना. कसलो फोटो काय ? देंवचारालो आनी फोटो कित्याक आयला काय ?

नागेशान शेजरच्या दुकानांतलो पेपर मागून घेतलो.

वासुदेव भाटकार एका भुरग्याक कितेंतरी दितना दिसतालो. कितें दिता म्हुण सारकें कळना जालें. एकेक उतर जोडून नागेशान सकयल बरयिल्लें वाचलें.

पालयेंच्या आदर्श मण्डळान तांच्या पंदराव्या वाडदिसानिमित्तान दोन थोट्या विद्यार्थ्याक कुबड्यो, भुलां दिल्ल्यो. मुखेल सोयरे श्री. वासुदेव करमली विद्यार्थ्यांल्या खाक्यांत कुबड्यो दितना दिसताले.

* * *

ooks lost, torn, defaced, marked or dam
ned in any way shall

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on
		1215 / 10-7-Dev / 8448

LD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.
No. ________________
ooks lost, torn, defaced, marked or dam
ged in any way shall have to be
placed by the borrower.
ooks issued can be recalled at any time,
necessary.
HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

जल्म : ३ ऑगस्ट १९५३, शिकप : बी. एस. सी. बी. एड्; निराकार विद्यालय, मार्शे काणकोण हांगां शिक्षकाची नोकरी.

फाटल्या धायेक वर्सांसावन कथालेखन करता. कोंकणी बरोबर मराठी भाशेंतूय लेखन केलां. अेकांकी ह्या प्रकारांतूय बरोवप केलां.

आकाशवाणी आनी थळाव्या नेमाळयांनी साहित्य अुजवाडाक आयलां. थळाव्या नेमाळयांच्या आनी थळाव्या संस्थांच्या कथा सर्तिनी डझनभर अिनामां लाबल्यांत. अभिनय आनी रेखाटनां करपाची आवड.



शशांक सीताराम

"श्री. शशांक सीताराम हाणी ज्या नाजूकपणान तंत्राचो बंधनां तोडल्यांत तीं पळयतकच आपले आशयान उपाट भरिल्ले अणभुतीच्या म्हालवजारच कथाकार फुडलीं पावलां उखलूंक पावतलो आनी तशें करता आसतना पसून कलात्मक मूल्यांकडेन तो तडजोड करचो ना म्हणपाचो विस्वास दिसता."

"साहित्य साधना ही एक अखंड चलोवपाचो प्रक्रिया आसता. भायलो संवसार बदलता तशें कथाकाराचें अंतःर्मन खोल आनी विशाळ जायत वता. ह्या अंतर्मनाच्या तळांत उगडास आनी अणभव हांची एक खाण आसता तातूंत बुचकळयो मारून नवीं नवीं रत्नां भायर काडपाचें काम कथाकाराक करचेलें आसता. जितलीं मेळ्ळीं तितलीं खूब जालीं अशें लटकें समाधान जो कथाकार मानता ताका फुडार नासता. जो अतृप्त रावता तोच ह्या अनंत मळबार नवीं नवीं क्षितीजां हुपूंक पावता. ती हुपपाची तांक श्री. शशांक सीताराम हांच्या पाखांत आसा. देखून साहित्याच्या मळबांत ते खूब फुडें पावतले अशी म्हाका आस्त दिसता."

☐ अपुरबाय प्रकाशन ☐